Price Rs. 20/- (Rs. 25/- Outside Goa)

मासिक
बिम्ब
कॉंकणी समाजाचें पडिबिंब

मे २०१०

बिल्डर्स-राजकारण्यांच्या खेळांत सांतीनेझ खाडीचो बळी

GOA TILLARI IRRIGATION DEVELOPMENT CORPORATION

(A Government of Goa undertaking)

Participates in the Development of the State of Goa by speedy execution of the Tillari Irrigation Project, being a joint venture of the Government of Goa and Government of Maharashtra, which on completion will irrigate 16978 hectares including execution of the Command Area Development Works in the Command of the project, in the talukas of Pernem, Bardez and Bicholim of North Goa, in addition to supplying water for drinking and industrial purposes to the tune of 57.40 MCM to North Goa.

Issued by:

GOA TILLARI IRRIGATION DEVELOPMENT CORPORATION

Junta House (Annexe), 5th Floor, Panaji -Goa

कोंकणी मासिक

बिम्ब

वर्स : ९ अंक ५

मे २०१०

मोल २० रुपया

मुखेल संपादक
दिलीप बोरकार

भुरग्यांचें आंगण संपादन
सुफला रुद्राजी गायतोंडे

मुद्रक आनी प्रकाशक
दिलीप बोरकार

छापणावळ
सह्याद्री ऑफसेट, खोर्ली-तिसवाडी

मार्केटींग व्यवस्थापन
कामिनी किणी

अक्षर जुळवणी आनी मांडावळ
श्वेता नाईक

वर्गणीचे दर
वर्सुकी २०० रु. / तीन वर्सां ५५० रु.

खंयच्याय म्हयन्या सावन
वर्गणीदार जांव येता. वर्गणीचो चेक
'बिम्ब' ह्या नांवान धाडचो

संपादकीय पत्रवेव्हाराचो पत्तो
'धर्म-लक्ष्मी', सांत लॉरेन्स,
आगशी - गोंय ४०३ २०४
दूरध्वनी : (०८३२) २४३८३५५
E-mail : bimbkonkani@yahoo.co.in

ह्या अंकांत उक्तायल्ले विचार त्या त्या बरोवप्याचे आसात. संपादक मंडळ ताचेकडेन सहमत आसतच अशें ना.

बिल्डर्स-राजकारण्यांच्या खेळांत सांतीनेझ खाडीचो बळी

– डॉ. नंदकुमार कामत

मनसंवेदना ३९

संपादकीय /३ — अशोक भोसले
प्रतिबिम्ब /४ — हर्षा शेटये
उश्णी वायणां- उदय देशप्रभू/ ११ — व्यंकटेश शिरोडकार
इंद्रधोणू – रेखा रामनाथ नायक/१६ — अन्वेषा सिंगबाळ
उजवात – सुफला रुद्राजी गायतोंडे/१८ — जयमाला दणायत
कथा – आशा शानभाग/२० — श्रीनिशा नायक
कथा – ब्रॅण्डा मिनेझीस/२४ — उदय नायक
अथ्रेकणी – कुमूद भिकू नायक/२८ — अशोक शिलकार
वोवळां – अमोघ प्र. बुडकुले/२९ — निता म्हांबरे
काव्योत्सव – परेश नरेंद्र कामत/३०
समिक्षकाचे नदरेंतल्यान – एस. डी. तेंडुलकार/३१
दिका – विन्सी क्वाद्रूस /३३
खळांतली आंबली – सुश्रूत मार्टीन्स/४८
उश्णी वायणां - नं. ध. बोरकार / ५०
परमळ – अपर्णा गारुडी /५४
तेफळां – रूपा कोसंबे/५६
भलायकी – डॉ. वंदना धुमे/६०
उतरकुवाडें – संतोष शिवराम हळर्णकार/६१
रांदची कूड – सुफला रुद्राजी गायतोंडे/६२
पडवेर – कुसुम अग्रवाल/६३
डायरी-ए-काश्मीर – दिलीप बोरकार/६५
आयलें तशें गायलें – दिलीप बोरकार/७१

भुरग्यांचें आंगण ४२

सदानंद तेंडुलकार
संतोषी कोले
डॉ. भिकाजी घाणेकार
कुमूद भिकू नायक
अथर्व सुदत्त शेणवी मांद्रेकार
रोमा लाड
गंधा घारशे
सारिका भेंब्रे
धनविरा राऊत देसाय

रेखाचित्रां – गिरिश नंदा बोरकार

The Goa Inquisition

The Terrible Tribunal for the East



भारतातील गेल्या चार शतकांच्या कालावधीतील धर्मांतराशी संबंधित अत्याचारांच्या स्मृतींचा मागोवा

पोर्तुगिजांच्या पूर्वेतील धार्मिक धोरणाच्या विस्तृत पार्श्वभूमीविरुद्ध, भावनांच्या आहारी न जाता गोव्यातील अन्वेषणाची विविध बाजूंनी केलेली व्यक्तिनिरपेक्ष कारणमीमांसा ह्या पुस्तकात समाविष्ट. पुराभिलेख विभागाकडील उपलब्ध अधिकृत दस्तऐवज व चित्रे, ख्रिस्ती धर्मप्रचारकांचा पत्र व्यवहार आणि तत्कालीन युरोपीय प्रवाशांनी दिलेली माहिती यांवर आधारित असे हे पुस्तक.
फ्रेंच पर्यटक डॉ. डेल्लॉन यांच्या तीन वर्षांच्या तुरुंगवासातील कैद्यांच्या छळाच्या अनुभवांचा पुनर्मुद्रित चक्षुर्वैसत्यं वृत्तान्त.

लेखक :

अ. का. प्रियोळकर

आकार : **A5**
कागद : पांढरा **80 gsm**
बांधणी : सेक्शन शिलाई, हार्ड बाऊंड
मूल्य : रु. **695/-**
(ट. ख. नि.)

प्रकाशक : **राजहंस वितरण**
1 - मीनाक्षी बिल्डिंग, डॉ. व्होल्फांगु द सिल्व्हा मार्ग,
पणजी, गोवा 403001
Ph.: +91 - 0832 - 2220320 / 2232177
email : rajhaunsvitaran@dataone.in

संपादकीय

भांगराळें गोंय घडोवया

१९ डिसेंबर २०१० सावन गोंयच्या मुक्तीचो भांगरा उत्सव सुवाळो आमी गोंयकार मनोवंक आरंब करतले. ते खातीर राज्यसरकार विस्तृत अशी समिती स्थापन करून वर्सूयभर कसली ना कसली कार्यावळ घडोवन हाडपाचें आसा. ह्यो कसल्यो कार्यावळी आसतल्यो आनी हो उत्सव कशे तरेन वर्सभर चलयतले हें समिती घडून ताणीं कार्यावळीचो आराखडो थारायलो म्हणटकच कळून येतलें.

हे वर्सा तश्यो दोन समिती राज्यसरकारान घडयल्यात. एक म्हळ्यार मुक्त गोंयचे पयले मुखेलमंत्री सर्गेस्त भाऊसाहेब बांदोडकार हांची जन्मशती मनोवपाखातीर आनी दुसरी गोंयचे म्हा-कवी सर्गेस्त बाकीबाब बोरकार हांचीय जन्मशती मनोवपाखातीर. ह्यो दोनूय समित्यो घडोवन सर्दें वर्स सरिल्लें आसा. रोखडेंच हें शताब्दी वर्स केन्ना उलगलें हाची सुलूस लेगीत ह्या दोनूय समित्यांक लागपाची ना. खरें म्हळ्यार ह्या दोनूय भाग्यविधात्यांचेर आदारीत कसली ना कसली कार्यावळ दर दिसा जावपाची गरज आशिल्ली. पूण जन्म शताब्दीच्या उक्तावण सुवाळ्याचो दबाजो जाल्या उप्रांत तसो ह्या शताब्दींक व्हडलोसो नेट दिसना. शताब्दी वर्स चालू आसा काय ना? असोच दुबाव येवपा सारकी परिस्थिती आसा. म्हणटकच अशीच अवतिकाय गोंय मुक्तीच्या भांगरासुवाळ्या बाबतींतूय जातली असो अदमास केल्यार अतिताय जावची ना.

बाकीबाबांची आनी भाऊसायब बांदोडकारांची जन्मशती कार्यावळ गोंयच्या सगळ्या म्हालानी जावपाची गरज आशिल्ली. सगळ्या शाळा कॉलेजींतल्या विद्यार्थ्यांक गोंयच्या ह्या सुपुत्रांची वळख जावंक जाय आशिल्ली. पूण तशी कार्यावळ ह्या दोनूय समित्यांनी आखिल्ली दिसना. ह्या जन्मशती सुवाळ्या निमतान बाकीबाबांक आनी भाऊसायबांक गोंयच्या विद्यार्थ्यांकडेन व्हरपाची संद अशी आमी होगडायल्या. तशीच परिस्थिती गोंय मुक्तींच्या भांगरा महोत्सवी सुवाळ्याची जायना जाल्यार पुरो अशें आमी मागुया!

गोंय मुक्तीच्या भांगरामहोत्सवी सुवाळ्याची आमी प्रतिक्षा करतानाच आमी आमकांच एक प्रस्न विचारपाचो वेळ आयला. गोंय पुर्तुगेजांच्या शेकातळा साडेचारशीं वर्सां आशिल्लें. ते गुलामींतल्यान गोंयांक आनी गोंयकारांक मुक्त करपाखातीर कितले तरी सुटकेझुंजारी हुतात्मे जाले. कितलेतरी जाणांच्या घरदाराची होळी जाली. तांचे संवसार उबंत पडले. गोंयकारांक आपले भुंयेर आपलो शेक चलोवंक मेळचो, स्वाभिमानान जियेवंक मेळचें म्हणून खूब जाणांनी हे ताप-उपद्रे काडले. पूण ह्या पन्नास वर्सांत गोंयची जी अवतिकाय जाल्या ती पळयल्यार हें सगळें आमी केलें तें हेंच पळोवंक काय? असो प्रस्न ह्या सुटकेझुंजाऱ्यांक पडले बगर रावचोना.

अश्या वेळार आमच्या सारख्यांची भुमिका कितें? हें जें कितें चल्लां तें मोन्यानी पळयत बसपाचें? आयज गोंयची जी कितें अवतिकाय जाल्या आनी जायत आसा ती आमी उक्त्या दोळ्यांनी पळोवन त्याच गोंयचो भांगरा उत्सव मनोवपाचो काय आमकां जें आदर्श गोंय जाय आशिल्लें त्या गोंयची निर्मिती करूनच मागीर उत्सव मनोवपाचो?

गोंय मुक्त जावन पन्नास वर्सां भरत येतात. १९६१ सालांत म्हळ्यार गोंय मुक्तीच्या वर्सा जल्मल्लो भुरगो आयज ५० वर्सांचो तरनाटो जाल्लो आसा. ताच्या उप्रांतची सगळी पिळगी एक एका वर्साच्या फरकान जुवानपण मिरयत आसा. मागीर तांचें हें सळसळटें रगत कितें करता? गोंयची इबाडत वचपी संस्कृताय, सवस्तकाय उक्त्या दोळ्यांनी पळोवन, ह्याच गोंयचो आमी सुवाळो मनयतले अशें म्हणून हें रगत ओगी रावतलें काय गोंयची ही जाल्ली अवतिकाय सुदारतले? सुदारपा इतली शक्त नासली तरी ती थांबोवपाखातीर तांचेकडल्यान यत्न जातलो काय ना?

ही गजाल कोण तरी येवन करतलो म्हूण वाट पळोवपांत आतां अर्थ ना. ती गजाल आमकांच सुरू करपाची गरज आसा. ह्या अंका सावन आमी गोंयची एक एक समस्या शीर्शकथेंतल्यान घेवन येवंक सोदतात. बिम्ब हें फक्त मनरिजवणेचें साधन जावंक जायना तर तें मन जागवणेचें माध्यम जावंचें अशें आमकां दिसता. ते पासत गोंयचे जे साबार प्रस्न आसात ते दर म्हयन्याक एक एक करून तुमचे मुखार दवरपाचो आमचो हावेस आसा. ते खातीर अभ्यासपूर्ण अशी शीर्शकथा, जमल्यार ते समस्येचेर उपायूय तुमचे कडल्यान अपेक्षीत आसात. आमकां आदर्श गोंय घडोवपाचें आसा. गोंयच्या मुक्तीचो भांगरा उत्सव न्हय तर भांगराचें गोंय निर्माण करपाचें आसा. त्याच वावराक आमी लागल्यात. तुमचें सहकार्य जाय. हातांत हात घालुया. सळसळट्या रक्ताक साद घालुया. नक्कीच ताका प्रतिसाद मेळटलो हातूंत दुबाव ना!

प्रतिबिम्ब



बाकीबाबांल्या घराची व्यथा



बाकीबाब बोरकारालें घर फोंडें-मडगांव हायवेचे कुशीक आसा. त्या घराक 'शान्ती निकेतन' हें नांव दिलां. बाकीबाबांचो रविन्द्रनाथांचेर आनीक तांच्या साहित्याचेर विशेश मोग आसलो. ते जाणविकायेन जायत घडये रविन्द्रनाथांलें शान्तीनिकेतनाचें नांव दितल्यांनी ह्या घराक दिलां. तशें हें घर नांवा पुरतें शान्तीनिकेतन. खरेल्या शान्तीनिकेतनान जो उत्पादक आनी सकारात्मक वावर चल्ला तसलो हांगा निखालस ना. मुखावेल्यान घर सदांच बंद. जाल्यार फाटली वट ह्या घराच्या वांटेकारांनी म्हळ्यार बाकीबाबांल्या घराब्यांतल्या लोकांनी कोणाक तरी भाड्याक दिल्या. तो थंय शेव-चिवडो जावं तसल्याच कसल्या तरी मिठायेचें उत्पादन करता.

बाकीबाबांले जयंती जावं पुण्यतिथयेक हालीं लोकांक ह्या घराची याद जाता. तेंवय कोणेतरी जापसालदारकेन भुजार घेवन त्यो मनोवंक आयले जाल्यार! दोन दिसांचे हे सुवाळे. तेवय फुडाराक बंद जावं येतात. हें घर बाकीबाबांलें चिरंतन स्मारक जावंक जाय. साहित्य-कलेक ओपिल्ले मनीस हांगासर ताणी यो-वच करपाक जाय. हांगा येवन ताणी बाकीबाबांल्या साहित्याचेर अभ्यास केलो जावं तसल्यो कार्यावळी केल्यो जाल्यार ह्या स्मारका भितर जिवसाण उरतली. ना तर एकाद्या बिल्डराच्या चपक्यांत हें घर सापडूं येता. हायवेचेर आशिल्ल्यान लाखांनी दुडवांच्या हांयसाक. जे कोण ते घराब्यांतले लोक मालकी गाजयतात ते भुलूं येतात. एक फावट भोंवतणचे सुवाते सयत घर विकचेलीं उलोवणी सुरू जालीं जाल्यार मात तांका कोणाच्यान आडावंक जावचें ना. बोरयेच्यां एका संवसारीक पावंड्यार पाविल्ल्या मनशालें हें घर. अश्या पावंड्याचे जे थोडेभोव मनीस गोंयान दिले तातूंत बाकीबाबांली सुवात उंचेली आसा. ते सोंपून गेल्यार ओंदू सुमार दोन दसकां सरतात. पूण तांची व्हडविकाय दिसां आनी वर्सां कणकणी वाडत आसा. आनीकय ती वाडत वतली. ती कोणाच्यान आडावंक जावची ना. अश्या मनशाल्या राबित्याचें घर जर आतांच यत्न केले जाल्यार सांबाळूं येता. सरकार दरबारीं वचून तें सांबाळचेली तजवीज जावंक जाय. ना तर आमीच आमकां अदीक मोटवे करतले. आमच्याच साहित्यकारांचें व्हडपण आमकां वळखूं येना. हो दाग पुराय साहित्य विश्व आमकां लायतलें. बाकीबाब व्हड जायत रावतले. तेच गतीन आमी मोटवे जायत वतले.

ह्या घराचे माळयेचेर बसून ताणी साहित्य बरयलें. कितल्यो काव्य, साहित्य मैफीली जाल्यो ताचो हिशेब ना. केदे-केदे तांकीचे, विचारवंत-व्हड मनशांलीं पावलां ह्या घराक लागल्यांत. त्या सगळ्या गजालींची हें घर एक मोनी गवाय. त्या भायर एका सुटके झुजाऱ्याचे कर्तृत्वी जिणेच्या इतिहासाचीय हें घर गवाय! कवी कुसूमाग्रजानी लंडना लागसार आशिल्ल्ये शेक्सपियराल्या घराची गजाल एका लेखांत सांगल्या. त्या घराक चारशीं वर्सां जावन गेलीं. पूण आयजय तें शेक्सपियराल्या तेंपार आशिल्लें तशें आसा. त्या पासत थंयच्या सरकारान यत्न केल्यात. त्या घराची खंय आतां मेरेन पन्नास खेपो डागडूजी जाल्या. त्या तेंपार वापरताले तस्सो चुनो-लाकूड वापरून तें सांबाळलां. त्या फाटल्यान वावर करतल्यांची शेक्सपियरा संबंदान उंचेली भावना आसाच. सांगाता एक व्हडलें दायज फुडारा पासत सांबाळटा होवय विचार आसा. कुसूमाग्रज म्हणटात, 'आपूण जेन्ना त्या घराच्या दारांत पावलों तेन्ना दिसलें की शेक्सपियर आतां भायर येतलो. आनी मराठींतलो एक साहित्यीक आपल्या दारा आयला ताका तितलेच अदबीन भितर घेवन वतलो.' सांबाळटल्यानी फक्त घरच सांबाळूंक ना. तर सांगाता घराचें घरपणय तिगोवन दवरलां. शेक्सपियरालें घर आयज इंग्लीश भाशेचो मानबिंदू जालां. जी भास अरूव्या संवसारांत फांकल्या ते भाशेची बुन्याद जंय घाली त्या घराचो व्हालोर केदो आसतलो? शेकड्यांनी लोक तें घर पळोवपाक आयज तेच ओडीन थंय येतात. तशेच तांकीच्या एका व्हड कविचें हें बोरयेचें घर! तागेली भास इल्लेश्या वाठारापुरती आनी फावो तितली उदरगतीक पावूंक नासली म्हूण कितें जालें. इंग्लीश भास म्हूण शेक्सपियराल्या तेंपार केदी आसली? तांगेल्या साहित्याचे घट बुन्यादीचेर तशेंच हेर बरप्यांचे बांदावळीचेर ती आयचे व्हडविकेक पावल्या मू? तशीं सपनां समेस्त कोंकणी उलयणाऱ्यांनी मतींत बाळगून बाकीबाबांल्या साहित्याकडे पळयल्यार तो गुन्यांव जातलो? भाशेक व्हड-गिरेस्त करपाचीं सपनां जर आयज बाळगिलीं जाल्यारच आनीक एका शेंकड्या उपरांत तरी ती खरेपणी येवपाची आस्त आसा.

बाकीबाबाल्या घरा भोंवतणच्या लोकांक ती नदर आसचेलो आग्रो ना. जंय बाकीबाबांलें व्हडपण तांका खबर ना थंय त्या घराचें कित्याक आसतलें? पूण त्या घराभोंवतणचो गोंय हो वाठार. त्या वाठारांतल्या लोकांक तरी आसूंक जाय. ह्या घराची बरी जतनाय घेतली जाल्यार भोंवतणच्या वाठाराचीय उदरगत जावं येता. ते प्रेरणेन थंय आनीक एक बाकीबाबय आमकां मेळूं येता!

जर ह्या घराक उलोवंक, भावना उक्तावंक कळिल्लें जाल्यार! आपल्या मतींतल्यो यादी तें सांगतलें आसलें. आजजी काणयो सांगता तशें सांगून सोपच्यो ना इतल्यो काणयो. कवनाच्या रुपान जर आपलें सांगणें सांगपाक लायिल्लें जाल्यार! तें घडये हे भशेन सांगपाचें -

चिरे मातयेचें घर हांव
वर्सां संकिनी आसा उबें
पाळ्यानी चोखचें म्होव तशें
आयकलां म्होवें कवीत बाकीबाबांचें
चिऱ्यान चिरो कुडिचो म्हजे
कविल्या जिविताची गवाय
गर्जतालें हांगा क्रांती संगीत
घोगेताली गोंयची सासाय।।
उतरांचीं वोवळां गुंथून
वळेसर जगाक दिले जाणें
म्हाकविलें जिवीत हांगा
पळयलां दोळे भरून हांवें।।
पांयजणां वाजलीं वडाकडें
त्या एका गडद तिनसना
सोबीत धून आयजय ती
आयकूं येता म्हज्या कानां।।
पांय लागले पुण्यात्म्यांचे
आंगयले कितले फुलां झेले
घर भरून मनशांनी उरचें
सूख तें पर्थुन जिणे येवचें ।।
मोडके देवळा वरवीं आतां
पेटना पण्टी-दिवो हांगा
कवितांच्यो वाती पेटोवन
उजवाड दिया तांचो म्हाका ।।
'दिव्यत्वाची जेथें प्रचिती
तेथे कर माझे जुळती'
रचणारो गेलो दिगंतरा
दवरून दिव्यत्व म्हज्या आंगा।।

– महेश पारकार
खडपा बांद, फोंडें-गोंय

एप्रिल २०१० च्या बिम्ब अंकांत ह्याच प्रतिबिम्ब सरांत 'अभिक्षक एम्. डी. तेंडुलकारांचें भाग्य' ह्या माथाळ्या खाल आयिल्लें विनायक प्रभू, खडपाबांद, फोंडें - गोंय. हांचें पत्र छापून आयलां. आमच्या नेमा प्रमाणे विनायक प्रभू हांका आमी अंक धाडून दिल्लो तो ही व्यक्ती उपलब्ध ना म्हणून परत आयला. ह्याच पत्र लेखकाचें आनीक एक पत्र आमकां आयलां.हो पत्र बरोवपी टोपण नांवान बरयता अमो दुबाव आयिल्ल्यान तांचें पत्र आमी ह्या अंकांत उजवाडाक हाडूंक ना. आमकां वाचकांचीं मतां जाय. पूण टोपण नांवान न्हय. बरोवप्यांनीआपलो फोन दिवंचो जाका लागून बिम्ब मासिकाची उंचाय वाडूं येता : संपादक



बिल्डर्स-राजकारण्यांच्या खेळांत सांतीनेझ खाडीचो बळी - डॉ. नंदकुमार कामत

पणजेचो ६० टक्के वाठार दर्यांतल्यान वयर सरलेलो. पुराय ताळगांव वाठार -४ ते ६ मीटर्स उंच आसा. जंय पणजेचें सचिवालय आशिल्लें तो वाठार दर्याचे पातळेसावन फकत ९ मीटर्स वयर आसा. माती घालून पुर्तुगेजांनी १८६० ते १९३० मजगती पणजेचो मांडवी कुशीचो वाठार - 'कांपो द मानुएल' बी तयार केल्लो. तो दर्याचे पातळेपरस फकत ४ ते ६ मीटर्स उंच आसा. मिरामार ते करंझाळे वाठाराक तुफानाची आनी बुडटेची भिरांत आसा.

आयज जंय तिसवाडेचो जुंवो आसा थंय ५० लाख वर्सांपयलीं उंच, पाशाणी दोंगोर आशिल्ले. वत, पावस, वाऱ्या, वादळाक, सैमिक प्रक्रियेक लागून हे दोंगोर झरत गेले आनी तातुंतल्यान आयज दिसतात ते सडे तयार जाले. अर्दचंद्राकृती दोंगुरली आशिल्ल्या तिसवाडेक एके वाटेन मांडवी, दुसरे वटेन झुवारी तेंकून व्हांवताली. स हजार वर्सां पयलीं दर्याची पातळी देंवली. रेंवट वाटार तयार जाले. रेंवेच्यो दोंगुरल्यो तयार जाल्यो. खाडयो तयार जाल्यो. पोंयी तयार जाल्यो. दर्याचें उदक स-सात हजार वर्सांपयलीं भाटी-तळावली मोवळें मेरेन पावतालें. मांडवी न्हंयचें उदक दुर्गावाडी-ताळगांव, रणवाडी-मुरडा, कुजराच्या दोंगरांक तेकतालें. आयज पणजे महानगरपालिका ८३२ हेक्टर्स जमनीर उबी आसा. पणजेचो उंचेलो भाग म्हळ्यार सरसकट लोक जाका 'आल्तिन' म्हणटात तो. कोर्तीतलो रस्तो बांदच्या पयलीं तो एकूच दोंगर आशिल्लो. मागीर ताचे दोन कुडके जाले. इमॅक्युलेट सायबिणीची इगर्ज आसा ती कन्सेप्शन दोंगुरली आनीक व्हीआयपी रावतात ती तांबडी माती-ताळगांवमेरेन पाविल्ली 'गिमारीस' दोंगुरली. ह्या पुराय दोंगुरल्यांवेलें पावसाचें उदक तीन वाटांनी मांडवीक मेळटा - मळा, भाटलें, फोंताईन्यशांतलें उदक औरेमच्या खाडयेंतल्यान व्हावन पाट्यार - पणजे मांडवीक मेळटा. पावसाच्या उदकाची दुसरी वाट आसा - पुर्तुगेज काळांतलीं रस्त्या पोंदचीं गटारां, कान आनी खळयो. कन्सेप्शन इगर्ज ते सरस्वती मंदिर-जुंता हावस मेरेनचें उदक थेट मांडवींत वता. तिसरी वाट आसा सांतीनेझच्या खाडयेची. सुमार १० चौखण किलोमीटर्स वाठारांतलें उदक ही खाडी - काम्रभाट-टोंक ते पणजे मार्केट-डॉन बॉस्कोमेरेनच्या वाठारातलें उदक मांडवीत सोडटा.

पणजेचो ६० टक्के वाठार दर्यांतल्यान वयर सरलेलो. पुराय ताळगांव वाठार -४ ते ६ मीटर्स उंच आसा. जंय पणजेचें सचिवालय आशिल्लें तो वाठार

दर्याचे पातळेसावन फकत ९ मीटर्स वयर आसा. माती घालून पुर्तुगेजांनी १८६० ते १९३० मजगती पणजेचो मांडवी कुशीचो वाठार – 'कांपो द मानुएल' बी तयार केल्लो. तो दर्याचे पातळेपरस फकत ४ ते ६ मीटर्स उंच आसा. मिरामार ते करंझाळे वाठाराक तुफानाची आनी बुडटेची भिरांत आसा.

भारताच्या अस्तंत देगेवयल्या तीन शारांक बुडटी येवपाची आकांताची भिरांत आसा. महानगर मुंबय, पणजी आनिक कोची.

बिल्डर्स आनी राजकारणी हांचे आर्थिक-राजकीय हितसंबंध एक जाल्ल्यान शाराच्या पुर्वेतिहासाची पर्वा ना, पर्यावरणीय बदलांचो विचार ना, भविश्याकडेन कुड्डी नदर आनी आयज खावंक मेळटा तितलें ओडून अजीर्ण जायतसर खावप अशा आपसुवार्थी प्रवृत्तीक लागून-पणजे शाराच्या भविश्याबद्दल एक भिरांकूळ प्रस्नचिन्ह उबें रावलां.

सांतीनेझची खाडी रडून सांगत आसा, म्हजेंय आयकात. खूब जाले म्हजेर बलात्कार, अत्याचार. हांव हांगा धा हजार वर्सांसावन आसां. पणजे शार हालींचें. १८४३ सालांतलें. पयली हांगा कितें आशिल्लें?

सांतीनेझच्या खाडीची काणी तिच्याच तोंडातल्यान कित्याक आयकुवची न्हय?

नागहळळी-मळ्यार खूब नाग आशिल्ल्या गांवांत आयच्या नागाळी – ताळगांव वाठारांत लाखांनी वर्सांपयलीं म्हजो जल्म जालो. एके झरीच्या रुपांत. नागाळेची ही झर आयज तुमकां एक कुंड म्हणून बांदिल्ली पळोवंक मेळटली नागाळेच्या सातेरी देवळाचे कुशीक. रस्त्याक लागून. हे झरीचें उदक थंड, शीतळ आनी गोड. म्हणून इल्ली-इल्ली थंय वस्ती वाडली. तीन हजार वर्सांपयलीं म्हज्या उदकार लोक शेतां रोवपाक लागले. म्हजें उदक व्हावतालें. आपली वाट सोदतालें. म्हजो जालो नागाळेचो

म्हज्याविशीं कोण कितें म्हणटा?

– सांतीनेझची खाडी ही औरेमच्या खाडीभशेनूच. तिचो जुंता हावसाकडल्यान व्हांवपी आनीक एक फांटो आशिल्लो तो पुरोवन काडिल्ल्यान पावसाच्या उदकाची वाट बंद जाल्या आनी ताका लागून १८ जून मार्ग दर वर्सा भरतेच्या वेळार बुडटा. हाचेवेल्यानूय कोणूच कांयच शिकूंक ना.

सिंयोर पर्सिवल नोरोंज्य.

फोंताईन्यस

नामनेचे नागरी इतिहासकार, पणजे शाराचे ज्येश्ठ नागरीक आनीक अभ्यासक

'सांतीनेजची खाडी आसा तशी करपाव तातुंतलो गाळ उसपुचो आनी भरती-सुकतेचें चक्र पर्थून जाग्यार घालचें. हे खाडयेक नालो म्हण चुकीचें. तें गटार न्हय. हे खाडयेचें काँक्रीटीकरण जावंक जायना. खाडयेचीं दोनूय तोंडां मेकळीं करपाव जाय. सगळे 'सेटबॅक' जाग्यार घालपाक जाय.

– दो. आंतोनियू मास्कारेन्यश

दोनापावलच्या एनआयओचे फाकिवंत शास्त्रज्ञ

व्हाळ. नागाळेची सुपुल्ली न्हंय. शेतांतल्यान व्हावन मार्टीन्स मरडाकडसून आडवी-तिडवी वचत काम्राभाटांत म्हाका मांडवीचो स्पर्श जालो. हांगासून म्हजें उदक खारें जाता. काम्राभाटासावन कांपालमेरेनच्या म्हज्या मार्गाक लोक सांतीनेजची खाडी म्हणटाले. हें नांवूय १६व्या शेकड्यांत तारवटी लोकांखातीर सांतीनेझ हांगा जी इगर्ज बांदली ताका लागून मेळ्ळें. काम्रा भाट मेरेन म्हज्या उदकाचेर शेतां पिकतालीं. कांपालमेरेन म्हज्या उदकांत नुस्तें गरयताले. जाळ उडोवन कुल्ल्यो धरताले. हारीनी शिनाण्यो पडटाल्यो.

काम्राभाटसावन - कांपालमेरेन म्हजे दोनूय बांद माती-चिखलाचेच आशिल्ले. दोशीवाटेन कांदळां. १९६५ उपरांत मात म्हजेर अत्याचार सुरू जाले. टोंकार सिवेज ट्रीटमेंट प्लाँट आयलो आनिक म्हजो प्रवाह अशीर केलो. ताडमाड पुरयलो. भाटल्यां सरकारी इमारती बांदपाक जमनी पुरयल्यो. फायर ब्रिगेड इमारत बांदपाक म्हजो प्रवाह अशीर केलो. मागीर फायर-ब्रिगेड सावन मिलिटरी हॉस्पीटलामेरेन म्हजे बांद शिमिटान बांदून काडले. दयानंद बांदोडकर मार्ग सांतीनेज रस्त्याक जोडपाक होम-सायन्स कॉलेजीकडेन साकव बांदलो. ताणें म्हजें उदक आडयलें. १९८० उपरांत म्हजी सामकीच दुर्दशा जाली. कळमेवन टोंकाचो सिवेज ट्रीटमेंट प्लांट बंद पडलो की दिसा कणकणी ७० लाख लीटर उदक म्हज्या प्रवाहांत सोडूंक लागले. इनडोर स्टेडियमाकडचो म्हजो फांटो शिमिटान बांदिल्लो. तातूंत पायप लायन घालून घाण उदक दर्यांत सोडूंक लागले. भरती-सुकतेचें म्हजें चक्रूच आडखळ्ळें. सांतीनेज मेळत तश्यो म्हज्या काठार लोकानी खोपट्यो बांदल्यो. थंयच ताणी संडास केले. १९९० उपरांत काम्राभाट ते कांपालमेरेन म्हजें जालें एक म्युनिसिपल गटार. आता म्हजी रयाच गेल्ली. म्हज्या उदकांत आतां जेली-फिश पावलें. नुस्तें मेलें. शेळो वाडलो. सगळे तरेचो कोयर उडोवपाक म्हजो प्रवाह लोकांक आयतो मेळो. १९९९ सालांत बालोद्यानाकडच्या म्हज्या तोंडाकच शिंपणावळ खात्यान गुड्डो मारलो. आतां भरतेचें उदक खेळपाक आडखळ जाली. फकत पावसांतच म्हाका मात्सो जीव येवप. हांवें भरून व्हांवप. पणजेक सुकी

दवरपाक कश्टवप. पूण कोणेच म्हजेकडे लक्ष दिवंक ना. कांय लोक मागीर उच्च न्यायालयांत दाद मागपाक गेले. मागीर नगरपालिकेन मनीस आनी माक्नां लावन शेकड्यांनी ट्रक चिकोल उसपिलो आनी थंयच म्हज्याच काठार उडयलो. लोकांनी म्हजी उदक फुगपाची सुवात खाली. घरां, गॅरेजी, इमारती, हॉस्पिटलां, शोरूम, दुकानां, हॉटेलां म्हाका येवन सामकी दसलीं. म्हजी हक्काची पारंपारीक सेटबॅक आशिल्ली जमीन खातात हाचेकडे शिंपणावळ खात्यानय लक्ष दिवंक ना. नगरपालिकेनूय कांयच करूंक ना.

आतां 'ते' खंय म्हजो उद्धार करूंक सोदतात. म्हजें रूपांतर कॉंक्रिटच्या कानालांत करून. 'वापकोस' ह्या केंद्र सरकारच्या सल्लागार कंपनीन शिफारस केल्या म्हज्या सर्वंगी कॉंक्रीटीकरणाची. अशें जाल्यार म्हजें अस्तित्व सासणाचें सोपतलें.

जशी निरलाची/वेरेंची न्हंय, रायबंदर -चिमलाची, औरेमची खाडी आसा तशीच हांव-तांचेंच भावंड - सांतीनेझची खाडी : नागाळेचो व्हाळ तो हांवूच. म्हज्या उगमासावन संगमा मेरेन तुमी म्हाका सांबाळपाचें, पुजपाचें.

जर आयजवेर ताळगांवा, पणजे भिरांकूळ बुडटा, हुंवार येवंक ना - जाल्यार तो म्हज्याच अस्तित्वाक लागून. हाचे फुडें कितें जायत सांगू नजो.

नागाळ-ताळगांवा-करंजाळेमेरेन हांव आयजूय ५०० शेतकारांक पोसतां. म्हज्या आदल्या, नितळ उदकांत जी खावड आसताली ती सुकतेबरोबर कांपाल, करंझाळेमेरेन पावताली. थंयच्या खुटावणेक, रापणीक चड नुस्तें मेळटालें आयज मांडवीच्या उदकाक घाण मारता. स्विमिंग पुलांतलें ब्लिचिंग पावडर घाल्लें उदकूय मांडवीत सोडतात.

म्हजो फुडार पणजी-ताळगांवच्या नागरिकांच्या हातांत आसा. म्हजी ताका नमळायेची विनंती. हांव सांगतां तें मात्शें बुध्द शाबूत दवरून आयकून घेयात.

१. हांव ताळगांव पणजेचें गटार न्हय. नालो न्हय. हांव एक सैमिक वेवस्था.

२. नागाळेच्या उगमासावन म्हज्या मांडवीच्या संगमामेरेनची वाटेतली आडखळ, अतिक्रमणां पयस करात.

३. पयली आशिल्ली तितलीच म्हजी रूंदी, खोलाय म्हाका जाय.

४. म्हजे बांद शिमिट-कॉंक्रीटान बांदपाचीं पिशेपणां करूं नाकात.

५. म्हज्या तळार कॉंक्रीट ओतू नाकात.

६. म्हजीं दोनूय तोंडां उक्तीं करात-इनडोर स्टेडीयमाकडचे आनीक बालोद्यानाकडचें.

७. पर्थून म्हाका भरते-सुकतेचो अणभव जाय.

८. पयलींच्या भशेन समुद्री जीव, नुस्तें, कुल्ल्यो, खुबे, शिनाण्यो म्हाका पोसूंक मेळचें.

९. म्हज्या कांठार कांदळां वाडचीं.

१०. सगळ्या तरेचें घाण-उदक म्हज्या प्रवाहांत सोडटल्यांक ख्यास्त करात. कोयर उडयतल्यांक शिटकावणी दियात.

११. मुंबयच्या मिठी न्हंयची केली तशी तुमी म्हजी दुर्दशा केल्या हें विसरूं नाकात आनिक जर मुंबय भशेन पणजेत हुंवार आयलो तर म्हाका दोश दिवंक नाकात.

सांतीनेझ खाडीसंबंदान कोण कित्याक जापसालदार?

१. १९७३ च्या शिंपणावळ कायद्याप्रमाण नागाळेचो व्हाळ आनीक सांतीनेझची खाडी शिंपणावळ खात्याच्या अधिकारांत येता. ह्या खात्याच्या परवानगेशिवाय कोणाकूच खाडयेक हात लावप शक्य ना.

पूण ह्या खात्यान केलां तें सगळें उरफाटें. ताणी बालोद्यानाकडचें तोंड धापलें. थंय शटरां घालीं. फायर ब्रिगेडीकडच्या फाट्यांत रोबल दाळळे. काँक्रीटाच्यो वणटी बांदल्यो. नागाळेचो ३०० मीटर्सचो व्हाळ काँक्रीटान बांदलो. ज्यानी माती घालून खाडी पुरयली तांचेर कसलीच कारवाय करूंक ना.

२. **भलायकी खातें**–गोंय भौशिक भलायकी कायदो, १९८५ प्रमाण सांतीनेझ खाडी घाण जावन लोकांची भलायकी पिड्ड्यार जाता जाल्यार भलायकी खात्याक कारवाय करपाचे पुराय अधिकार आसात. ताणी ते केन्नाच वापरूंक नात. तांच्या कचेरीत गटाराची घाण येवनसुदीक.

३. **भौशिक भलायकी अभियांत्रिकी (पीएचई) विभाग, भौशिक बांदकाम खातें (पीडब्लुडी)**

टोंकावेल्या सिवेज ट्रीटमेंट उदक, घाण, रेबो वर्सान वर्सा सोडून ह्या बेजबाबदार खात्यान सांतीनेजच्या खाडयेची पुराय दुर्दशा केली. २००७ सावन नवी यंत्रणा बसयल्ल्यान हें उदक आतां इनडोर स्टेडीयमकडसून न्हंयत भितर पायपलायन घालून शंबर मिटर्स लांब अंतराचेर मांडवींत सोडटात. पूण यंत्रणां बंद पडल्यार घाणयारें उदक पर्थून सांतीनेझ खाडयेंत सोडपाची मेकळीक खात्याकडेन आसा. हे बाबतींत गोंय राज्य प्रदुशण मंडळ, पणजी महानगरपालिका आनीक भलायकी खातें सुध्दां तांका कांय विचारीना.

४. **पणजी महानगरपालिका** – शिंपणावळ खात्याच्या आदारान हाणी सांतीनेझ खाडी नितळ दवरूं येताली. पूण बिल्डर्स आनीक राजकारण्यांचे हितसंबंध सांबाळपाचे आशिल्ल्यान खाडयेचेर चलिल्ल्या अतिक्रमणांकडे सामकें दर्लक्ष. लोकांनी पुर्तुगेजकाळासावन आशिल्ले 'सेट बॅक' वाठार खाले. तरीय महानगरपालिका कांयच करिना. वयल्यान केन्ना एकदां १७ कोटींचो सांतीनेझ खाडीच्या प्रकल्प मंजूर जाता अशें ह्या पालिकेच्या जाळवणदारांक जालां. सैमीक खाडी हे बेस बरे जाणा जावनूय पालिका 'सांतीनेज नाल' म्हणटा. तांका तें गटार जाल्लें जाय. मागीस सीआरझेड लागचो ना आनीक खाजगी बांदकामा सामकी तेकोवंक मेळटलीं.

५. **गोंय सरकारच्या पर्यावरण खात्याची बेफिकीरी :–** औरेम, चिंबल, नेरूल–वेरें भशेन सांतीनेझ ही खाडी, थंय भरती सुकती येता हें खबर आसूनय किनारी विभाग वेवस्थापन यंत्रणां–सीझेएमए दोळे धापून बसल्या. खाडयेवेले अत्याचार ते साळगांवां बसून मुकाट्यान पळेतात.

६. **जिल्होधिकारी उत्तर गोंय, मामलत्तदार, तिसवाडी – इस्टेट ऑफिसर, महसूल खातें :–** सरकारी/भौशीक जमीन राखप हें दोळ्यांत तेल घालून पळोवपाची जापसालदारकी आशिल्ल्या ह्या खात्यान सांतीनेझ खाडी–नागाळी व्हाळावेलीं अतिक्रमणां मोडून काडूंक नात. ह्याच खात्याकडे आपत्ती (डिझास्टर) वेवस्थापन यंत्रणा आसा. सांतीनेझ ते ताळगांवां हुंवार, बुडटी आयल्या उपरांतूच ते कामाक लागतले. हांच्या पयकी कोणेच सांतीनेझ खाडयेचें सर्वेक्षण करून खबर घेवंक ना.

७. **ताळगांव ग्रामपंचायत :–** वीस–पंचवीस हजार लोक रावपी, कॉंक्रीटचें रान जाल्ल्या ह्या वाठाराक पंचायत वाठार म्हणप म्हळ्यार एक विनोद. 'ग्राम' हे संकल्पनेत बसपाक कठीण अशा ह्या वाठारांतल्या पंचायतीन नागाळेच्या व्हाळाकडे आनीक ताचेर निंबून आशिल्लीं शेतां, शेतकारांकडे पुराय दुर्लक्ष केलां. हो व्हाळ पुरवला. आदर्श कॉलनीलागी ३०० मीटर्स व्हाळाचें काँक्रीटीकरण केलां.

८. **शेती खातें :** नागाळेच्या व्हाळाचेर ताळगांव – करंजाळे – टोकांचे ५०० शेतकार जियेतात. तांचें हीत राखप हें ह्या खात्याचें काम. पूण व्हाळ व्हांवता काय सुकला हाची कांयच वास्तपुस्त शेती खात्यान करूंक ना.

९. **गोंय राज्य प्रदुशण मंडळ :–** नागाळेचो व्हाळ आनी सांतीनेझची खाडी इतलीं वर्सां प्रदुशीत जाल्या. पर्यावरण राखण कायदो १९८६ आनीक उदक प्रदुशण नियंत्रण कायदो, १९७४ सकला अधिकार आसतनाय प्रशासकीय बेफिकीरी, राजकीय चेपणाक लागून हाणी कांयच कारवाय करूंक ना.

१०. **मुखेल नगरनियोजक** – शार आनी गांव नियोजन खातें – ह्या खात्यान १९७४च्या कायद्याप्रमाण पणजेचो टावन प्लॅन आनीक सीडीपी करूंक ना. ताणी मेळत तशे बिल्डर्सांक परवाने दिवन सांतीनेझ खाडयेचे 'सेटबॅक' काबार केल्यात.

११. **उतर गोंय येवजण प्राधिकरण** – (एनजीपीडीए) बिल्डर्स आनीक राजकारण्यांच्या बोल्सांतल्या ह्या प्राधिकरणान सांतीनेझ ते ताळगांव वाठारांतल्या तरेकवार बांधकामांक परवाने दितना नागाळेचो व्हाळ आनिक सांतीनेझ खाडयेचो कांयच विचार करूंक ना. थंय जाल्ल्या अतिक्रमणांनी पावसाच्या उदकाची वाट आडायल्या – तांचेंय सर्वेक्षण करून कारवाय जावंक ना.

१२. **लोकनिर्वाचित सदस्य :–** हांका कोणाकूच पणजे आनी सरभोवतणचे सैमीक वेवस्थेचो, पावसाचें उदक साठोवपी आनी

व्हावोवन व्हरपी यंत्रणेचो अभ्यास ना, पर्वा ना. प्रत्येकाक सौंदर्यीकरण जाय. जशी औरेमची खाडी तशीच सांतीनेझची आशिल्ली आनी आसपाक जाय हाचो विचार ना.

सांतीनेझ खाडींतल्यान व्हांवता वीख–उदक न्हय

२०००–१ वर्सा प्रदुशण नियंत्रण तंत्रगिन्यान पदविका अभ्यासक्रमाचो म्हजो विद्यार्थी विजेंदर कुमार पालाक हांचें सांतीनेझ खाडयेच्या प्रदुशणाचेर संशोधन करुंक सांगलें. तांणें १८ सुवाते वेल्यान उदकाचे नमुने घेतले. तीन फावटीं. पावसा पयलीं, पावस पडतना आनी पावस सोपल्या उपरांत. तेल आनी पेट्रोलीयम ग्रीज खाडयेंत भरसलां. नायट्रेट आनी फॉस्फेटचें प्रमाणय सुमाराभावर वाडलां हें आमकां दिसून आयलें. हांगाचीं सगळीं आस्थापनां, हॉटेलां, स्क्रॅपयार्डी, गॅरेजी, वर्कशॉप्सानी आपलें सगळें घाणयारें उदक सांतीनेझ खाडयेंत सोडून ती विखाळ करून सोडल्या. हे प्रमाण दिसानदीस वाडतूच आसा.

एकें नदरेंत नागाळी – सांतीनेझ खाडी

उगम :– नागाळे-ताळगांव दोंगुरलेंतल्यान ऑक्झीलियम शाळेकडसून एक व्हाळ शेतांतल्यान काम्राभाट-टोक हांगा येवन मेळटा. तो एक कि. मी. लांब. ऑक्झीलीयम व्हाळ-नागाळेचो व्हाळ मेळून सांतीनेझची खाडी तयार जाता.

सांतीनेझ खाडयेचें उदक साठोवपाचें क्षेत्र :– सुमार १० चौखण कि. मी. म्हळ्यार १००० हेक्टर्स

पावसांत ह्या वाठारांत पडपी उदक : ५ ते ८ अब्ज लीटर्स.

दिसाक उदक व्हावपाची तांक : ३० कोटी लिटर्स.

खाडी पुरयल्यार जाय पडटली : दिसाक ४ ते ५ कोटी लिटर्स व्हावन व्हरपी यंत्रणां एक सें. मी.

पावस पडल्यार पणजे महानगरपालिका वाठारात साठपी उदक :– साडेतीन कोटी लिटर्स नागाळी – व्हाळ – सांतीनेझ खाडी कितले

लोकसंख्येक बुडपापासून वाचयता :– उणेच ५० हजार

पणजेक दिसाक लागता :– अडेच कोटी लिटर्स उदक.

पणजेच्या गटाराचें उदक :– दिसपट्ट्या १ कोटी २० लाख लिटर्स

सांतिनेझ खाडयेची रूंदाय :– १२ ते १५ मीटर्स

दर्यापातळेपासून उंचाय :– ६ मीटर्स



(डॉ. नंदकुमार कामत हे नामनेचे नागरी इतिहासकार, पणजे शाराचे ज्येश्ठ नागरीक आनीक अभ्यासक.)

तुवें अशें करंक फावो नासलें...

एका दनपरां जेवणावेळार एके बायल-वांगडी सांगातान गजाली जाल्यो. हांव खंयचो. घरांत कोण कोण आसात. अशे तरेन. म्हजो व्हडलो भाव आनी ताचे कंपनीचें नांव - पत्तो सांगलो तेन्ना ती बायल शिटूक जाली. तेन्नाच्यान तिची म्हजेकडेन उलोवपाची तरा बदल्ली. ती म्हाका वयल्यान सकयल अशे तरेन पळयत उरली जशेपरी हांव एक सवंगूच शें.

''भाई तो तुजेकडेन इतल्या वायट तरेन उलयतालो... कितें तुका वायट दिसूंक ना? तूं इतलें सगळें कशें आयकून घेता? ताची लायकी कितें? ना शिकप सवरप ना कसलें काम करपाची पत, आवयबापायचो उवाळून उडयल्लो वंश.... आनी कितें म्हणपाचें ताका?''

''तूं मानता मरे तो कोणूच न्ही म्हूण?'' भाईच्या ह्या प्रस्नाचेर हांव ओग्गी पडलों.

भाई ताचे गाडयेपोंदा येतां येतां व्हडा कश्टान वाटावल्लो. माफी मागची सोडून भायर येवन इतली बकबक केली ताणें. ताणें भाईच्या पिरायेचोय विचार करूंक ना, नाय अशें चिंतलें की ताका लागून भाईचें कितेंय बरें वायट जाल्लें जाल्यार!

''असलो मनीस जो कित्याकूच लायक ना, जो पयलींच्यानूच बाबडो जावन आसा. आपल्या घरांतल्यांच्या चुकीच्या लाडांनी आनी अती मोगान बिगडला, वायट आनी बुरशा संस्कारांनी वाडला, जाचो फुडार काळखी बांय बगर कांय ना अश्या नशीब फुटक्याचेर हांव कित्याक म्हजो राग आनी म्हजी वालोराची शक्त फुकट घालोवं? आपले बागणुकेनूच ताणें आपल्या चारित्र्याचें दर्शन घडयलां, वचूंनी ताका.''

आपलीं पुस्तकां एकठांय करतां करतां मात्सो रावलो भाई ''चश्मो तुटलो सो दिसता. आतां होय सारको करून घेवंचो पडटलो.''

''जावं! बरें जालें, सवाय भितर सुटलों हांव.'' सोम भाई उलयलो, ''म्हजो पांय बी मोडलेलो जाल्यार तीन सप्तकां तरी हातरूणार पडपाचों. म्हजेर आयिल्लें अपसरण वक्लान आपल्याचेर घेतलें.''

''हांव वचून ताच्या बापायकडेन उलयतां.''

''कांय गरज ना कोणाकडेन कितें उलोवपाची. 'बॉबी' जे तरेन चलता-वागता तीच ताची व्हडली ख्यास्त जावन उरतली ताका. जे मनीस जीवीतांत खूब वेगांत धावूंक पळयतात ते प्रत्येक जाग्यार बेगीनूच पावतात. वयरूय बी.''

कसो विचित्रच जावन आसा 'सोम भाई'. जेन्ना जेन्ना हाका मेळटां, अशें दिसता खंयच्या नव्याच मनशाक मेळटां. विचार करपाची वेगळीय तरा आसूंक शकता हाचो विचार करून हांव काचाबूल जातां.

''आपलो मानसन्मान म्हळ्यार कांय न्ही भाई?''

''आसता, कित्याक ना? पूण विचार कर आपलो मान सन्मान आमी इतलो सवाय कित्याक करपाचो की तो दर एका मनशाच्या पायांतळा मेळत. हांव ताचे गाडयेपोंदा येवपाचों, येवंक तर ना न्ही, जें जावंक ना ताचे उपकार मानून आमी नियतीचें बरें

मागपाचें न्ही?''

''बॉबी'चें रस्तादपण कितें इतलें ताकदवान की आमचो स्वाभिमान ताचेफुडें कचरो जावन वचप. आमचो स्वाभिमान खूब किमती जावन आसा. जो आमी केन्ना केन्ना उजार करीत जाल्यार ताचो वालोर उरता. मातश्या-मातश्या गजालींक लागून आमी स्वाभिमान आड हाडीत रावले जाल्यार आनी जगूंक जाय आमकां? स्वाभिमान आमची ताकद जावंक जाय. न्हय आमची अशक्तताय दाखोवपी नस, जाचेर येतो वयतो कोणूय हात दवरीत.''

अजाब दिसता म्हाका केन्ना केन्ना भाईचें हें वागप, ताचें चारित्र्य पळोवन. 'भाई' बँगलोर रावता. एका व्हड कपनींत वयल्या पावंड्याचेर काम करता. हांव 'एम्. बी. ए.' करतां आनी म्हजी परिक्षा चलता. म्हाका परिक्षेंत हातभार लावपाक तो आयला.

''मनीस दुखी जाता आसत जाल्यार चड पध्दतच जावन आसता.'' भाई म्हाका पळोवन उलयलो. ''जर हांवूच सारको पळोवन चलिल्लों जाल्यार घडये म्हजें वक्ल तुटचें नाशिल्लें. आमीच आमकां सांबाळून दवरचें पडटलें.''

''तुकां बऱ्या मार्कानी 'एम. बी. ए.' पास करची आसा, देशाच्या सगळ्यांत बऱ्या पदार बसपाचें आसा. त्या पदार पावतकच तुका 'बॉबी' सारके मनीस बेकार आनी किडे कशे दिसतले, जांचे बद्दल विचार करप म्हळ्यार वेळ होगडावप शें दिसतलें. म्हणून तूं फकत तुज्या अभ्यासाचेर लक्ष दवर.''

हांवें तशेंच केलें जशें 'भाईन' सांगिल्लें. शांत दवरलें म्हजें मन. म्हजी परिक्षा जाली. 'भाई' परतो बँगलोरा गेलो. घरा उरलीं पापा, आई आनी हांव. पापा चडशे फावट भाईक 'साधूसंत' म्हूण पाचारतालो. केन्ना केन्ना आईकय चाळयतालो. ''जेन्ना हो 'सोमू' जावपाचो आसलो तेन्ना तूं कितें खाताली... कोणाचेर गेला हो पोर?''

''तेंच खातालीं जें तुमकां खावंक घालतां. दाळ, भात आनी चपाती.''

''खबर ना कोणाचेर गेला हो म्हजो 'साधू म्हात्मो' पोर, सोम.''

इतलें उलोवन पापा म्हजेकडेन पळयतालो. जशेपरी ताका म्हजेकडल्यान कितें आशा आसात, कारण भाई लग्न जावपाक तयारच ना. पस्तीस मेरेन पिराय जाली. लग्नाचें नांवूच काडिना.

''ह्या पोरान लग्न केल्लें जाल्यार म्हाकाय दिसपाचें की म्हजी जापसालदारकी पुराय जाली म्हूण. दर खिणाक हाच्या 'जेवणा-खावपा'ची काळजी जावन उरता. कोणूय आयिल्ली जर हाका सांबाळपी जाल्यार दिसपाचें आतां कांय भंय ना म्हूण.''

''भंय कसलो गो बाये, म्हाका खबर आसा की तूं आपलो वचपाची वाट तयार करपाक सोदता. पूण एक विसरूं नाका, आमी दोगूय आजून तुजेच जापसालदारके सकयल आसात. विजयाच्या भुरग्यांची काळजी आसा काय ना तुकां.... आनी जाणटेपणार म्हाका कोण सांबाळटलो. आनी वचपाची इतली घाय कित्याक लागल्या तुकां. जेन्ना पळयत तेन्ना हातरूण बीन बांदून वचपाच्यो गजाली करता.''

आई आनी पापाचें उलोवप म्हज्या कानार पडलें, आयजकाल पापा ह्या गजालींचेर रोकडोच रागार जातालो की आई दर खिणाक मरणाची गजाल कित्याक करता.

''हांव टी. वी. चें केबल कनेक्शन काडून उडयतां.'' पापान सांगलें. ''सकाळसावन सांज मेरेन खंयच्या तरी 'बाबा'चीं प्रवचनां आयकत बसता.'' आनी दिसाळें पयस मारून पापा भायर येवन बसलो... तिडकीन आपलेभितरूच कितें उलयतालो आनी उलयतां उलयतां म्हजेयकडेन पळयतालो.

''कित्याक अशें करूंक जाय? कितें हांवें येवजिलें म्हणून हांव मरतलीं. संवसार कितें म्हज्या येवजण्यांचेर चलता? तुमी ह्या गजालींचेर इतलें तिडकतात कित्याक?''

घडये आईय पापा सांगाताक भायर आयिल्ली. ल्हानपणासावन पळयतां, पापा आईचे बाबतींत खूब काळजींत आसता. आई खीणभर नदरेआड जाली जाल्यार पापा इतलो भियेता की जशें कितें तरी घडलांच. हाकाय एक कारण आसा.

आमची आजी जेन्ना भायर पडली तेन्ना पापा खूब ल्हान आसलो. आजी घरांतल्यान भायर गेली आनी एके घडणुकेन तिचें मरण आयलें. पापाचे ते पिरायेर ताच्या मनाचेर आपले आवयच्या मरणाचो कितें प्रभाव पडला जातलो तें हांव समजूंक शकतां. आजये विणे खबर ना पापा कसो वयर सरलो. घडये आपल्या लग्ना उपरांतूच तो मात्सो मनशांत आयलो म्हणूनच ताच्या मनांत आई ताचो 'वीक पॉयन्ट' जावन उरल्या, जाका कोणें दूख दिवंक फावना म्हूण.

''हांवें सांगलें न्हय तुकां तूं म्हज्या फुड्यांत फालतू बड बड करी नाका म्हूण.''

''म्हजी बडबड फालतू न्हय. तुमी तुमचें मन घट कित्याक करिनात? म्हजी पिराय आतां 'पंचावन' वर्सां, आनी तुमचीं 'साठ'. एका मनशाची सरकारी सरासरी पिराय इतलीच न्ही. आमकां आतां हळुहळू घर-संवसारांतलें आपलें मन पयस व्हरपाक नाका? व्हडलो पूत बरो जोडटा... आमचेर अवलंबून तर ना. 'विजय'बी 'एम. बी. ए.' जातकूत आपले आपूण जोडूंक लागतलो. आमचो खर्च पेन्शनीचेर बेस बरो चलता. आमचें घर आसा न्ही आमचेकडेन. आतां कितें पलतडीं वचपाचो वेळ येवंक ना?''

पापा मान सकयल घालून आयकतालो.

''म्हाका खबर आसा आतां आमकां पलतडीं वचपाचें आसा. पूण म्हाका म्हजी पर्वा ना. म्हाका तुजी काळजी. तुका कितेंय जालें जाल्यार म्हजें कशें जातलें.''

''म्हणूनच तर सांगतालीं कीं 'सोम'चें लग्न जाल्लें जाल्यार 'सूनबाय' तुमकां सगळ्यांक सांबाळटली आसली. कसलो भंय आमपाचो न्ही.''

गजाल भोवोन भोवोन थंयच

आयिल्ली. हासूंक लागिल्ली आई. वातावरण मात्शें बदल्लें. पापा मात्सो अनमनल्याभशेन जालो. मागीर धीर करून उलयलो, ''कळ्ळें म्हाका, 'सोमू' कोणाचेर गेला तो. आपले आवयचेरूच गेला तो.''

''इतलीं वर्सां वांगडा सारून तुमकां आयज कळ्ळें कीं हांव कशी आसा म्हूण?''

''नोकरेच्या बोवाळान तुज्यांतलो हो गूण तर म्हाका दिसलोच ना. आतां 'रिटायर' जालां, चड वेळ तुजेवांगडा सारतां.''

''खरें उलयलो पापा. भाई व्हडलो. आईचे सगळे गूण ताकाच मेळ्ळे शे दिसता. जें कितें थोडे उरल्यात तातूंत पापाचे गूण भेसळून म्हाका मेळ्ळे. हांव इतलो शांत आनी उदार ना जितलो भाई वा आई आसा. मात्सो आनीक व्हड जातकच घडये हांव तसोच जायन.

भाई म्हजेपरस धा वर्सांनी व्हड. आमच्या दोगांय मदीं धा वर्सांचें अंतर कित्याक आसा? म्हूण हांव आईक सदांच विचारतां.

कमीत कमी भाई म्हजो भाव तरी दिसपाचो. तो तर सदांच ताचो चलो आशिल्ल्या भशेन म्हजेकडेन उलयता.''

''हो नियतीचो दोश पुता, हातूंत आमचो कसलो दोश! जें आमकां मेळ्ळें तो आमचो वाटो, जेन्ना मेळचें आसलें तेन्ना मेळ्ळें.''

जायते फावट आई समजायताली, 'कर्म' कर, इमानदारीन आपली जापसालदारकी पार पाडप आपलें कर्तव्य. त्या उपरांत आमकां केन्ना कितें मेळटलें ताचेर आमचो शेक चलना. धर्तरीचें आमचें नातें केन्ना तुटूंक फावना. रूख कितलोय उंच वाढूं, मळबा मेरेन ताच्यो फांदयो वचूं पूण तो तेन्ना मेरेनूच खुशाल आसतलो जो मेरेन ताच्या मुळांकडेन ताचें नातें आसतलें. हीं मुळां म्हटल्यार आमचे संस्कार, आमची आपलेकडेन आसलेली जापसालदारकी.

वेळ येतकच म्हजीय पोस्टींग



बँगलोर जाली. आतां दोगूय भाव एकाच शारांत पावले आनी आई-पापा दिल्लींतूच रावलीं. भाई आनी हांव वांगडाच रावताले. म्हाका लागून भाईन एक रांदपी दवरलो आनी दोगूय वेळार खावपा-जेवपाक लागले. खूब नियाळ करून हांव भाईचें वागप पळयतालों, कितलो शांत भाई. जसो ताका केन्ना रागूच येना.

''भाई तुका केन्ना राग येना?''

एक दीस म्हज्या ह्या प्रस्नाक ताणें जाप दिली.

''येता, येयना कित्याक, पूण हांव सामकार आसप्याक माफ करतां. माफी करप म्हळ्यार व्हडांतलें व्हड दान जावन आसा. अशा दानान आपलें मन शांत जाता. आनी एक शांत मनीस आपले भोंवतणी आशिल्ल्या दर एका मनशाचेर प्रभाव घालता. म्हज्या सकयल हजारांनी लोक काम करतात. हांवूच शांत उरलों ना जाल्यार त्या सगळ्यांक शांतीचें दान कशें दिवंक पावतलों, मात्सो विचार कर.''

एका दनपरां जेवणावेळार एके बायल-वांगडी सांगातान गजाली जाल्यो. हांव खंयचो. घरांत कोण कोण आसात. अशे तरेन. म्हजो व्हडलो भाव आनी ताचे कंपनीचें नांव - पत्तो सांगलो तेन्ना ती बायल शिटूक जाली. तेन्नाच्यान तिची म्हजेकडेन उलोवपाची तरा बदल्ली. ती म्हाका वयल्यान सकयल अशे तरेन पळयत उरली जशेपरी हांव एक सवंगूच शें.

''नांव कितें तुजें?''

''आं, विजय सहगल, तूं वळखता भाईक?''

''हय, जायते फावट तांचे कंपनी कडेनूच आमचो वेव्हार चलता. सोम सहगल बरो मनीस.'' म्हजी इश्टागत ते बायलेकडेन वाडत गेली. जायते फावट ती म्हजेकडेन आपल्या घरच्यो खबरी करताली. आपल्या घोवा संबंदी, आपल्या भुरग्यां संबंदी. केन्ना तरी आफयताली. म्हज्या खावपा-जेवपाचेरूय नदर दवरताली. एक दीस नाश्ता करतां-करतां ते बायलेची गजाल हांवें भाईकडेनूय केली.

''नांव कितें तिचें.''

तिचें नांव आयकून भाई शिटूक जालो. भाईच्या हातांतलो घास सकयल पडलो. नियाळ करून म्हजें मुखामळ पळोवंक लागलो.

''कितें जालें भाई? तुजें नांव आयकून तीय बी अशीच शिटूक जाल्ली?''

''तशें जाल्यार तिका खबर आसा तर तूं म्हजो धाकटो भाव म्हूण... खबर आसा तिका म्हजी?''

''हय, खबर आसा. तुजी खूब तोखणाय करता. सांगता तुजे कंपनीवांगडा तिचेच कंपनीचो वेव्हार चलतालो. म्हजी खूब काळजी घेता.''

''अशी, कशे तरेन तुजी काळजी घेता?''

''म्हळ्यार'' हांव अजाप जालों. भाईचो बदलिल्लो भाव पयलेच फावट पळयतालों हांव.

''तुजे खातीर जेवण करून हाडटा, काय जेवणाचो घास तुज्या तोंडांत घालता? पयलेच फावट घरा कडल्यान पयस आयला तेन्ना कोणाकडेन इश्टागत करचे पयलीं हजार फावटीं विचार कर. तुजी इश्टागत आनी तुज्यो भावना चड मोलादीक जावन आसात जाचो वापर तुका खूब विचार करून करूंक जाय. दर एक मनीस इश्टागतीक लायक आसना. हात सगळ्यांवांगडा मेळोवन चलचें कारण आमी समाजांत रावतात, पूण मन फकत कांय जाणांकडेन जोडचें, फकत तांचेकडेन जो तुजे लायकीचो आसत. तूं शाणो आसा, आशा धरतां की म्हाका कितें सांगपाचें आसा तें तुकां समजलां म्हूण.''

''कितें ती बायल इश्टागत करपाचे लायकिची न्हय?''

''ना, तूं तिकाच विचार, ती म्हाका केन्नाच्यान आनी कशी वळखता. इमानदार जाल्यार सगळें खरें उलयतली. ना सांगल्यार समज ती आयजूय कोणाच्या इश्टागतीक लायक ना म्हूण.''

भाई म्हजो खांदो थापटून चलूंक लागलो, आनी फाटीं सोडून गेलो दुबावाचो धुंवर, जातुंत हांव घुस्मटूंक लागलों. एके नदरेन खरेंच उलयतालो भाई. म्हजे भितरूच इतलो इंटरेस्ट घेवपाची कसली गरज तिका.

दनपरां जेवणा वेळार ती सदांभशेनूच हासत खेळत म्हाका मेळ्ळी, व्हडा मोगान, आपलेपणान.

''तूं भाईक पयले फावट फकत कंपनीच्या कामाखातीर मेळ्टालो?''

हांसप नाच्च जाल्लें तिचें.

''ना, आमी इश्ट केन्नाच नाशिल्लीं, फकत कंपनीच्या कामा निमतान मेळप जातालें, कित्याक? तूं हें सगळें कित्याक विचारता?''

''ना तूं म्हजे भितर इतलो इंटरेस्ट कित्याक घेता आनी भाईचें नांव आयकनाफुडें तुजो म्हज्यांतलो इंटरेस्ट वाडलो. म्हणून म्हाका दिसलें कीं भाईची आनी तुजी घट इश्टागत बीन आसा काय म्हूण! भाईकडेन वेळूच आसना. ना जाल्यार ताकाच विचारपाचों.''

''तुजे भाभीक घेवन केन्नाय यो न्हय आमगेर. खूब बरें दिसतलें म्हाका. तुजी भाभी कशी आसा? कितें तीय काम करता?''

हांव शिटूक जालों. भाईकडेन चड वळख ना म्हणटा आनी ताच्या बायले संबंदी विचारता. कितें हिका खबर ना की भाईन आजून लग्न करूंक ना म्हूण.

''भाभी खूब बरी आसा. म्हजे आवय भशेन. खूब मोग करता म्हजो.''

''खूब सुंदर आसा? तुजो भाव तर खूब सुंदर आसा.'' ती हांसपाक लागली.

''तुमगेर येवपाक लागून हांव भाभीकडेन उलयतां. तूं तुजो पत्तो दी.''

तिणें आपलें कार्ड म्हाका दिलें. रातीकडेन तेंच कार्ड हांवें भाईकडेन दिलें. सगळें जें कितें हांवें तिचेकडेन फट उलयल्लें तें सगळें सांगलें.

''खंय आसा तुजी भाभी जाका घेवन तूं तिच्या घरा वतलो?''

भाभीच्या नांवान पयले फावट हांवें भाईच्या मुखामळार हांवें ती पिडा पळयली जी हाचे पयलीं केन्नाच पळोवंक ना.

''ती तुजेभितर इतलो इंटरेस्ट कित्याक घेता भाई? तिणें सांगूंक ना, तूंच सांग?''

''तर चल फाल्यां हांवूच येतां तुजे वांगडा. सगळें कितें तिज्याच तोंडांतल्यान आयक. सगळें कळटलें.''

दुसऱ्या दिसा आमी दोगूय त्या पत्याचेर पावलें. भाईक सामकार पळोवन तिचें धवें पडिल्लें मुखामळ सांगून गेलें की खूब कितें लिपिल्लें आसा सरून गेल्ल्या भुतकाळांत.

''कशें आसा शोभा? गिरीश कसो आसा? भुरगीं कशीं आसात?'' पयले फावट तिचें नांव कळ्ळें. ऑफीसांत सगळीं श्रीमती गोयल म्हूण पाचारतालीं. ती ट्रेंत उदक घेवन आयली. भाईन पिवपाक नाका म्हणलें.

''कितें तुजेर इतलो विस्वास दवरचो की तुज्या हातचें उदक पीव शकन? आतां कितें म्हज्या भावाचेरूय नदर दवरून आनीक कितें शाबीत करपाक सोदता? म्हजें रगत आसा तें. जर हांवें कोणाचें वायट करूंक ना जाल्यार म्हजेंय कांय वायट जावचें ना. हांव फकत हेंच विचारूंक आयलां की हे फावट म्हज्या भावाक बंदखणींत घालून कोणाची मदद करपाची आसा?''

श्रीमती गोयल ओग्गी आसली आनी हांव सून्न जाल्लों. कितें भाई केन्ना बंदखणीतूय गेल्लो? आमकां कशें कळटलें की हांगा बँगलोरांत भाई बाबतींत इतलें सगळें घडलां म्हूण.

''बायलूय बी बलात्कार करूंक शकता.'' भाई तिडकून उलयलो. ''हें म्हाका तेन्ना कळळें ना जेन्ना तुवें जमाव एकठांय करून सगळ्यां हुजीर हें सांगलें की हांवें तुजेर रेप करपाचो यत्न केलो म्हूण, तोय बी ऑफीसांतल्या कॅबिनांत. आमचेभितर बरी इश्टागत आसली, म्हाका कितें करपाचेंच आशिल्लें जाल्यार कितें जाग्याचो उणाव आसलो म्हजेकडेन? दर सांजवेळार आमी एकठांय आसतालीं. रेप करपाक म्हाका ऑफीसांतलें कॅबीनूच जाय आसलें? तुवें गिरीशाच्या प्रमोशनाक लागून म्हाका सगळ्यांच्या नदरेंतल्यान देंवोवपाक पळयलो... उगतेंपणी सांगिल्लें जाल्यार हांवूच पयस जावपाचों. इतलें व्हड कारस्थान रचपाची कितें गरज आसली? आतां हाचे कडल्यान कितें सोदता, सांग म्हाका. हाका एकलो अनाथ समजू नाका.''

''म्हाका कोणाकडल्यान कांयच नाका. फकत भोगसणें जाय. तुजे वांगडा हांवें

जें कितें केलें ताचें फळ म्हाका मेळ्ळें. आतां गिरीश म्हजे वांगडा रावना. म्हज्या पुताकूय आपलेवांगडा घेवन गेलो... सोम जेन्नाच्यान हांवें तुकां बदनाम करपाचो यत्न केलो तेन्नाच्यान एक खिणूय म्हाका सुशेग ना. तूं बरो मनीस, अख्खी कंपनी तुकां वाटावपाक फुडें सरली. तुजें कांयच वायट जालें ना... हांवूच खंयचेकडली उरली ना.''

''म्हजें कांयच वायट जावंक ना?'' मात्शें सांग म्हाका. म्हज्या कामा आड कोण आयलो ना. पूण आयज खंयचेय बायल मनशेचेर विश्वास दवरपाची म्हजी हिम्मत जायना. म्हजे आवय उपरांत तूं पयली बायल आसली जिका हांवें आपली मानलेली आनी तिणेंय आपलें असलें रूप दाखयलें की हांव सामको शेणलों आनी आतां म्हज्या भावाक आपल्या जाळ्यांत फांसायता...''

''अशें म्हणू नाका सोम. विजय म्हज्या भावा समान. म्हज्या घरा आफोवन हांव तुजे बायलेकडेन आनी विजयाकडेन आपल्या करण्यांचें भोगसणें मागपाचें. म्हजो जीव घुस्मट्टा सोम. तूं म्हाका भोगशी. हांव सुशेगाद जियेवंक चित्तां.''

''सुशेग तर आपल्या कर्मानी मेळटा. हांवें तर त्याच दिसा तुजी आनी गिरीशाची कंपनी सोडिल्ली. तुमकां ख्यास्तच दिवपाची आशिल्ली जाल्यार तुमचेर बदनामीची केस करून वर्सान वर्सां कोर्टांत फावटी मारूंक लावपाचों. पूण तातूंत कितें जावपाचें? इश्टागतीवेलो म्हजो विश्वास परतो येवचो नासलो. आयजूय हांव कोणाचेर विस्वास दवरूंक शकना. तुजे ख्यास्तीचेर म्हज्यान कितें सांगूंक जाता? हां फकत इतलेंच सांगूंक शकतां कीं तुकां सहन करपाची ताकद मेळूं.''

अजाप जाल्लों हांव. भाईचें एकलेपण म्हाका आयज समजतालें. श्रीमती गोयल हुमसून हुमसून रडटाली.

''एक फावट म्हण सोम, म्हाका भोगशिलें म्हूण.''

''तुकां तर हांवें तेन्नाच भोगशिल्लें, जेन्ना गिरीश आनी तुजे म्हाका चुरचुरे दिशिल्ले आनी आयजूय तुजे हे परिस्थितीची म्हाका काकूट येता. चल, विजय.''

श्रीमती गोयल रडत उरली आनी आमी दोगूय भाव गाडयेन परते आयले. हांव काळजींत आसलों की भाईकूय खूब वेळ लागलो सावरपाक. घडये भाई मोग करतालो शोभाचेर आनी शोभा गिरीशाचेर मोग करताली. ताचें प्रमोशन जावंचें म्हूण भाईकडेन मोगाचें नाटक केलें आसतलें, मागीर बदनाम करपाचो यत्न केलो आसतलो. येद्याश्या प्रमोशनाक लागून कसलो अनर्थ केलो शोभान. भाईच्या भावनांचेर असलो आघात फकत प्रमोशनाक लागून. भाईचें प्रमोशन तर आडावलेंच ना. शोभान सदां खातीर भाईक मात एकटो केलो. केन्ना तो दीस येतलो जेन्ना भाई खंयच्या अस्तुरेचेर परतो विस्वास करीत. हें कितें केलें श्रीमती गोयल तुवें म्हज्या भावा वांगडा? तुवें अशें करूंक नाशिल्लें जाल्यार...

ते राती पयले फावट म्हाका अशें दिसलें कीं हांव व्हड आनी भाई म्हजेपरस धा वर्सांनी ल्हान. रडटालो भाई. जेवपाकूय जाय नासलें आमकां.

''तूं पळय भाई, एक मोगाळशी, सुंदरशी बायल जी म्हजी भाभी जातली एक दीस येतलीच.... तूं सांगता न्हय की मोलादीक वस्त खूब सोंसतकूच मेळटा आनी खंयचेय घडणुकेचो एक वेळ आसता. जी तुजी नासली ती तुजी जातली कशी? जी म्हज्या भाईक फावो, नियती तिकाच आमचे होटयेंत घालतली. बऱ्या मनशाक सदांच बरी सांगातीण मेळपाक जाय.

घसघसून व्हांवत्या दोळ्यांनी खूब सो मोग भरून भाईन म्हाका गोपांत घेतलो. कांय वेळ आमी दोगूय भाव एका मेकाच्या गोपांत आसले. मात्सो सावरून भाई उलयलो. ''चड नेटान चलपी लोकांचें अशेंच जाता. जो मनीस दुसऱ्याचे तकलेर पांय दवरून फुडें वचूंक पळयता, नियती ताच्या पांयांसकयली जमीन अशीच ओडून व्हरता. हांव तुकां सांगूंक विसरलों. काल पापाकडेन उलोवप जाल्लें. बॉबीचो खूब व्हड ॲक्सीडंट जालो. ताणें दोन भुरग्यांक चिड्डून मारले. सामको मोडून अस्पत्रेंत पडला आनी आवय बापूय घरांतल्यान पुलीशेंत आनी पुलीशेंतल्यान घरा अश्यो फावटी मारीत आसात. जांचीं भुरगीं मेल्यांत ते शारांतले नामवंत लोक. फाशी परस उणी ख्यास्त ते जावंकूच दिवचे नांत. आतां तूंच सांग नेटान चलपाचो शेवट कितें जालो?''

हांव खऱ्यानीच ओग्गी जालों. भाईन खरेंच सांगिल्लें बॉबी संबंदी. ताचें वागपूच ताची चड व्हडली ख्यास्त जावन आसतली म्हूण. मनीस चडशे फावट आपलो आपूणच आपले दुखाक जापसालदार आसता.

दुसरे दिसा कंपनीच्या कामाक लागून जेन्ना म्हाका श्रीमती गोयलकडेन वचचें पडलें तेन्ना तिचें बाविल्लें मुखामळ आनी सुजिल्ले दोळे पुराय काणी सांगपाक लागले. तिचें हांसप खंय नाच जाल्लें. घडये तिका म्हजो भंय दिसतालो कीं हांव पोरणी ती गजाल सगळ्यांक सांगून उडयन आनी तिका बदनाम करत म्हूण.

पयलेच फावट अशें दिसलें कीं हांवूय भाई भशेन जालों म्हूण. माफ केलें हांवेंय बी श्रीमती गोयलीक. मनांत फकत एकूच प्रस्न उबो रावलो.

तुवें अशें कित्याक केलें श्रीमती गोयल जाका लागून आयज तुकां तुजी नदर सकयल घालची पडली. आमी असलें कर्तबूच कित्याक आदारचें जें केन्ना दुखाचें वादळ जावन आपलो मानसन्मान हुन्मळून उडयत. मनीस जेन्ना खंयचोय अन्याय करता तेन्ना तो कित्याक विसरता की फुडाराक ताका ताचोच हिशोब फारीक करचो पडटलो.

तुवें अशें करूंक नाशिल्लें जाल्यार....!

(सुधा गुप्ता हांचे हिन्दी कथेचो उदय देशप्रभू हाणी केल्लो कोंकणी अणकार)

इंद्रधीणू

– रेखा रामनाथ नायक
मार्रा-पिलेर्न,
बार्देश-गोवा.

गणपती पुळेक गेल्लेकडेन....



नातलांची सुटी आशिल्ल्यान हांव घराच आशिल्लें आनी तातूंत २५डिसेंबराक जेजूच्या जन्माचो दीस म्हूण घरांत सगळ्यांकूच सुटी आशिल्ल्याकारणान बेगीबेगीन कामां करपाची गरज नाशिल्ली. सुशेगाद उठलीं. सगळ्यांनी चा वेवस्थीत घेतली. न्हाणा-धुणांय जालीं. इतल्यान म्हज्या मनांन आयलें, मडगांव वचून आईची खबर घेवची. दोन तीन दीस पयलीं, म्हजो घोवूय आईचे खबरेक वचपाचें उलयतालो. म्हूण आमी दोंगानीय थंय वचपाचें थारायलें. पूण आमच्या रूबीची Final year BDS ची परीक्षा आशिल्ल्या कारणान ताका अभ्यास करपाचो आशिल्लो आनी ताची इश्टीण थोडे दीस ताच्या सांगतान अभ्यास करपाक आमगेरूच रावपाक आयिल्ली. तांका जेवण करून दवरचेंच पडलें.

बेगीबेगीन तांका जेवण तयार करून दवरलें आनी हांव न्हेसलें. म्हजो घोवूय तयार जालो. तितल्यान साडेअकरा जालीं. हांवें म्हजें बॅग गोडयेंत व्हरून दवरलें मात, इतल्यान फोन वाजलो. पळोवंक वचत जाल्यार म्हजे व्हडले धुवेचो फोन. तें म्हणूंक लागलें. 'मां आमकां आज सुटी म्हूण आमी सगलीं गणपतीपुळे वचपाक भायर सरल्यांत. तुमकांय सुटी आसा. तूं आनी पप्पा आमचेबरोबर येयात. रूबीक करूनी अभ्यास.' अशें म्हज्या रीनान सांगतकूच म्हाका कितें करचें तें कळना जालें. म्हणटा म्हणसर जावंय उलोवंक लागलो फोनार 'मां मडगांव वचपाक न्हेसल्यांच मगे, तर तशींच येयात तुमी आमचेबरोबर. पप्पाक सुटी म्हूण पप्पाचोय सांगात मेळटलो आमकां. चड पयस ना तें, सकाळमेरेन पावतलीं परतीं. अर्धवरान गाडी घेवन येतां हांव.'

धुवेचो आनी जावंयाचो आग्रो जातकूच उतर मोडपाक बरें दिसना जालें. एकेवटेन म्हाका आईकडेन वचपाची उमळशीक आशिल्ली आनी दुसरेवटेन अकस्मात ध्यानी मनी नासतना गणपतीपुळेक वचपाची संद आयिल्ली. मनांत आयलें देवाची इत्सा आसूंये आमी थंय दर्शनाक येवची म्हूण! एका दिसाची गजाल आशिल्ली. कितलें पयस आसा तेंय हांव नकळ आशिल्लें. आमकां दिसलें उसरांमेरेन रातचींच आमी परतीं पावतलीं. पूण जांवयान सांगिल्लें दुसऱ्या दिसा सकाळीं परत पावतलीं म्हूण. तेन्ना कशेंय जावं म्हळें गणपतीची इत्सा आसा जाल्यार आमी वचून दर्शन घेवयाच म्हूण आमचीं मनां तयार केलीं आनी थंयच्यान येवन, गणपतीचो प्रसाद घेवनूच, आईचे खबरेक वचचें थारायलें.

धा, पंदरा मिन्टांभितर थोडेच कपडे बॅगेंत भरले आनी दोन उदकाच्यो बाटल्यो तयार दवरल्यो. इतल्यान जांवय गाडी घेवन आयलो दारांत. आनी आमी दोगांय तांचेबरोबर गाडयेंत बसलीं आनी आमचो पिलेर्नच्यान प्रवास सुरू जालो. पयलीं आमी म्हापशां नवतारा हॉटेलांत जेवलीं आनी मागीर बरोबर अडेजांक थंयच्यान फुडल्या मार्गाक लागलीं.

वाटेर नातवाच्यो गजाली आयकत आयकत आमी केन्नाच सावंतवाडी पावलीं. थंय इल्ली चा घेतली आनी परत मार्गाक लागलीं. फुडें कुडाळ, कणकवली अशीं बारीक स्थळां लागलीं. रत्नागिरी पावता म्हणसर काळोख जालो आनी सारकी वाट कळनाशिल्ल्या कारणान विचारीत विचारीत वचचें पडलें. कोण म्हणूंक लागलो १३५ कि.मी. वाट उरल्या. तर कोण म्हणूक लागलो १५० किलोमिटर. वाटेवयल्यो पाटयो वाचीत आमी गेलीं

तरीय आमची वाटच सोपनाशी जाली. निमोणेकडेन इल्लो इल्लो काळोख वाडटा तो पळोवन जांवयाकूय कितें दिसलें कोण जाणा. तोय गाडी चलोवन थकिल्लो. इतलीं पयस येवन तरीय खुबूच कि.मी. वाट उरल्या ती पळोवन, ताका थंयच खंयच्याय हॉटेलांत रातचीं रावून, सकाळीं परतुचीं घरा अशें जालें.

हांवें मनांत म्हळें, देवानूच इतलीं पयस हाडल्यांत जाल्यार तोच कशेयतरेन तड काडून आमकां दर्शन मेळोवन दितलोच. मनांतल्यान एक विश्वास सो दिसतालो. म्हजी धुवूय जांवयाक फुडें वचपाक नेट दिताली आनी तसोच ताणें नेट धरलो आनी आमी फुडें वचत रावलीं. जांवयाच्या फिल्मी गितानीय आमकां खुबूच मजा आयली आनी निमाणेकडेन रातच्या १० वरांचेर आमी एकदांचीं गणपतीपुळे पावलीं. वाटेर मेळिल्ले थंयचे सगळे लोकूय आमकां प्रामाणिक दिसले. ताणी वाटेचें आमकां वेवस्तीत समजूतकायेन मार्गदर्शन केलें. त्याच खातीर आमकां थंय पावसर कसल्योच अडचणी आयल्यो ना.

गाडयेंतल्यान देवल्याबरोबर आमी देवळाकडेन वचूंक वेळ करिनासतना म्हजो घोव आनी जांवय दोगूय आमकां गाडयेंत दवरून रावपाची वेवस्था करूंक गेले. वचत थंय लोकांची गर्दी दिसताली. थोड्या वेळान हे दोगूय हात हालयत आयले. सगळेच रूम भरिल्ले. लोक पयस पयसच्यान आयिल्ले आनी ताणी आपली रावपाची वेवस्था म्हयनोभर पयलींच करून दवरिल्ली. आमी पयलेच खेप आयल्यां म्हूण आमकां अशें कितें जायत म्हूण दिसलें ना.

पळोवया कितें जाता तें अशें म्हणून आमी जेवपाक एका हॉटेलांत गेलीं, जाल्यार थंय जेवण बंद जालें म्हूण कळ्ळें. तशींच दुसरेकडेन गेलीं. तें हॉटेल आशिल्लें सिध्दी. तातूंत शिवराक जेवण आसा म्हूण सांगलें. जिवाक सू जालें जेवण तरी मेळटलें म्हूण. जेवतां जेवतां रावपाची चिंता मनाक खाताली. भायर बरेंच शीं पडिल्लें आनी असल्या शियांत धाकट्या भुरग्याक घेवन खंय रात काडटलीं ही चिंता एकसारकी सतावंक लागली. मनांतल्या मनांत 'गणपती तूं पाव' म्हळें.

सिध्दी हॉटेलाचो मालक गणपत भिकाजी केदार आनी ताचो धाकटो पूत महेश केदार तें हॉटेल चलयतात. ते दोगूय थंय आशिल्ले. तांचेकडेन आमी रूमाची चौकशी केली. पूण तांचे सगळेच रूम भरिल्ले आशिल्ले. आमकां रूम मेळना म्हूण तांकाय खूब वायट दिसलें. ताणी हेवटेन तेवटेन चौकशी केली पूण कांय उपेग जालो ना. महेश केदारान आपल्या रेस्ट हाऊसाचे पडवेंत तजवीज करतां म्हळें पूण थंय बरीच थंडी खातली आशिल्ली आनी आमकां बायलांक दोळोच लागचोनाशिल्लो. तेन्ना आमी गाडयेंत न्हिदपाचें केलें. पूण मारूती गाडयेंत सिटां आडवीं उडोवन चोवगां कशीं न्हिदतलीं आशिल्लीं? तातूंत भुरग्याक साबाळूंक जाय आशिल्लें! एकूच मात बरें जाल्लें. महेश केदारान आपल्या घरचो संडास, बाथरूम आमकां वापरूंक दिल्लो. ताचे भयणीन आमकां तांच्या रेस्टॉरंटांत कदेलां कुशीक काडून बाकांचेर न्हिदपाक जाता जाल्यार पळे म्हळें. पूण थंय तांच्यो ग्रीली उकत्यो आशिल्ल्यान रातभर आमी शींयान कुडकुडटलीं आशिल्लीं. हें सगळें पळोवन आमी देवळाकडेन एक पासय मारली. थंय रावपाची सोय जाता जाल्यार पळेली. पूण थंयूय कांयच जमलेंना. परत महेश केदाराकडेन आयलीं. तो बाबडो आमचेच चिंतेंत आशिल्लो.

निमाणेकडेन महेश केदारानूच आमचो प्रस्न सोडयलो. ताणें चावी हाडली आनी आपली सुमो गाडी उकती केली आनी म्हळें ''तुम्हाला हॉटेलच्या आवारांत खूपच थंडी वाजेल. तेव्हा तुम्ही जमेल तसे आमच्या सुमोत झोपा. काही काळजी करूं नका. संडास, बाथरूम आणि गरम पाण्याची सुद्धा सोय करतों.'' अशें म्हुणून ताणें आमची काळजी मिटयली. म्हजे कमरदुखी खातीर हांव आनी म्हजो घोव सुमोंत न्हिदलीं आनी जांवय आनी धूव भुरग्याक घेवन तांचे मारूती गाडयेंत न्हिदलीं. अशे तरेन आमी रात काडली.

महेश केदारान आमकां बरोच पालव दिलो. वळख ना देख, इतलें आसून ताणें आमकां आपल्या नव्या सुमो गाडयेचो वापर करपाक दिलो. बाकीचीय वेवस्था केली. खरेंच म्हजे दृश्टीन तो म्हाका देव मनीसूच दिसलो. वेळ प्रसंगाक पावपी, लोकांची मदत करपी. प्रामाणीक आनी लक्तुबायेचो मनीस: आयच्या काळार असो बऱ्या मनाचो मनीस म्हाका खंयच मेळूंक नाशिल्लो. हांव ताका आनी ताच्या बापायक कशेंच विसरूंक शकचेंना. देव तांका सदांच बरी भलायकी दिवं म्हूण मागतां हांव.

फांतोडेर पांचाक आमी गणपतीचें दर्शन घेतलें. बरभर थंय शांत बसलीं. तीर्थ प्रसाद घेतलो. भितरल्यान आनी भायल्यान प्रदक्षणां काडली आनी लोकांचे गर्देतल्यांन वाट काडीत आमी गाडयेंत येवन बसलीं. सकाळचो नाश्तो रत्नागिरीक घेतलो आनी दनपरां जेवण वाटेरूच एका बरेशा हॉटेलांत घेतलें आनी साडे तिनाक एकदांचीं परत घरा पावलीं.

ही गणपती पुळेची यात्रा हांव केन्नाच विसरचेंना. कित्याक तर देवाच्या दर्शनाबरोबर एका नवख्या आनी बऱ्या मनशाची गांठ -भेट जाली म्हूण.

जाय जाय-म्हाका नाका-शें

– सुफला रुद्राजी गायतोंडे
मिरामार-पणजे
फोन : ९८२३१११९१७

पूण कोणालेंय लग्न आसूं म्हाका दुखता तें एकच. जेवणा वेळार सगळीं आपूण जावन बशयांनी जेवण घेतात 'बुफे'म्हळ्यारच आपल्या पोटाचे भुकेचो अदमास घेवनच बशेंत जेवण घेवप, पूण आजकाल बुफेक भरमसाठ जिनस दवरतात. थोडे नग दवरले तर खातल्यांच्यो नदरो थोडेशेच नग मरे! म्हूण ते नदरेन पळयतात. पूण म्हाका कळनां, थोड्या नगांनी पोट भरना?

काल आनीक पयर कितेंय म्हळ्यार दोन दिसांक लग्नाचीं म्हाका आमंत्रणां. मेजावेल्यो पत्रिका लेगीत काडून हार्णी वाचूंक ना, तारको, दीस, वेळ तांका खबर ना तें जालें कोणाचें म्हण लेगीत ताणें पळोवंक ना आनीक पत्रिका पळोवनच म्हाका वेळ ना म्हूण सांगून मेकळे ते! तशें म्हळें म्हूण जाता? आमच्या कार्यांक लोक येना आसतनाच आमचीं कार्यां सोबलीं? तें बाये केन्नाच हांकां कळचें ना.

आमच्या भुरगेपणांतलीं लग्नां नाका गे बाये. नात्यांतल्या लग्नाक आठ आठ दीस वचून रावप. आतांचेंच बरें. नात्यांतलीं लेगीत देवकार्याची रात राव नांत. आजकाल गर्दी कोणांकच नाका. हालीं कोणाकच कितें नाका. सगळें वेव्हारीक जगणें जालां. एकेवटेन हें खरेंच बरें! नातर एका लग्नाक बारा विघ्नां. हांव अमक्यागेर लग्नाक गेलें थंय येजमान्नीन जापच सारकी दिली ना. जेवणाक हेंच नाशिल्लें. लग्नाक फक्त कुळारच्यांकच वेंग मारून आसलीं! तर कोण म्हणटात आमकां आपयली आनी नात्यांतल्यांक पळयतालीं. आमकां हटकूंक लेगीत वेळ नासलो. आनीक कितें कितें तिचेर शिताडो घालतात देव जाणा. हें सगळ्यांगेरच. म्हगेर आनीक तुमगेरच न्हय. तशें पळोवंक गेल्यार आपल्या कार्यांक आपूण! सगळीं जाणां एकल्याचेर लक्ष दिवन वासपूस करूंकच शकनात म्हूण तर येजमान्नीची भयण, भावज, नणंद, जाव सगळीं बोवाळटना दिसतात.

आतां लग्नाक सगळें वेगळेंच. सोपें आनीक बरें. मागता तें भायर तयार, जाय तो पयसो. सगळें मनासारकें जाता ताका लागून यजमानीक चड त्रास ना आनी यजमान्याक टेन्सन ना. आतां व्हंकलेच्या आंगार वस्ती जांवयाचो मानपान, घरच्यांची रित रिवाज करपाचो व्हंकले आवय बापायक दुसऱ्यांनी सांगचें पडना. ती अर्थ अपुर्बाय आपशींच जाता.

पूण कोणालेंय लग्न आसूं म्हाका दुखता तें एकच. जेवणा वेळार सगळीं आपूण जावन बशयांनी जेवण घेतात 'बुफे'म्हळ्यारच आपल्या पोटाचे भुकेचो अदमास घेवनच बशेंत जेवण घेवप, पूण आजकाल बुफेक भरमसाठ जिनस दवरतात. थोडे नग दवरले तर खातल्यांच्यो नदरो थोडेशेच नग मरे! म्हूण ते नदरेन पळयतात. पूण म्हाका कळनां, थोड्या नगांनी पोट भरना? लायनीक उबे रावन बशेंत घेतना सगळे जिन्नस घेतलीं तर घेतनाच थोडें थोडें घेवप सदांच बरें. ना तर बशी अर्दी घेवन भरतगीर फुडले नग घेवपय जायना. रूच कळना. हांवें खूबकडेन पळयलां, मागीर आनीक परत लायनींत कोण रावतलो? म्हूण पयलींच भरमसाठ घेवप. खरें सांगू, म्हाका कोण कितलें घेता, कोण कितलें खाता हाची उस्तवारी करपाचीच ना. पूण जें अन्न पयलीं जाय जाय म्हूण मागीर नाका नाका, शें करून भायर सांडटात हाचें वायट दिसता खरेंच दुख जाता.

निमाणें तुमी कांयजाण सांडटात तें अन्न जाका खूब

जीव वळवळटात. तांकां भूक आसून अन्न ना. खऱ्यानीच तांकां अन्न मेळना. जेवणाक कांय जीव पोटाक वसवशिल्लेच आसतात. तांची याद जर आमी जण एकल्यान करत तर दर कार्याक लग्न, साखरपुडे, मदलसीक, वाढदीस ह्या बुफेक हिसपाभायर बशयांनी घेवन सांडपाचो वेळ आमचेर येवचोच ना. त्या भायर आमकां जांकां अन्नाची खरोखर गरज आसा तांची काकूटय आसतली!

तेन्ना प्रत्येक बुफेच्या जेवणाक बशी हातांत घेतना हांव पोटभर खातलें, कितेंच सांडचें ना हें मनांत दवरूनच बशी घेयात. नातर घेतना जाय जाय म्हाका आनी मागीर नाका शें जालें अशें म्हणपाचो वेळ येतलो. पयलीं पानांनी वाडटाली. जेवतल्यांच्या पोटाचो अदमास वाडटल्याक आसनाशिल्लो. तेन्ना पानार खूब सांडप जातालें. आतां तीच चूक स्वतः वाडून बुफे घेतना जावंक जायना. जेवणांक आपयतल्यांनीच पयलीं ह्यो गजाली सांबाळूंक जाय. त्यो म्हळ्यार मेजार जिनस मांडटना सर्तेक वाटो घेवंक जायना. हिसपाभायर हे जिनस मांडले की खावपी पळयतनाच तोखणाय करता खरो पूण कितलो वेळ? हॉलांतल्यान भायर सरलीं की सगळे आपल्या व्यापांत विसरता. कोणाक पडलां कोणाचें चिकन, मटण, तळिल्लें नुस्तें, सुकें. सगळे नॉनवेज घेतना नान, पराठा, सॅलेड सगळें घेतना पुलाव, फ्रायड रायस घेतला आनी इतल्यांत नदर वता शीत हुमणाचेर..... हें सगळें घेवन बशी भरता. शिवराकाचो रोस, नुस्त्याच्या जेवणांत धावंता. मागीर खंय कयटा जेवतल्यांचे जिभेक रूच! इतले जिनस पळोवनच पोट इतलें भरता, कितें पोटांत घालप तेंच कळना आनीक मागीर जाय दिसतालें तें नाका नाका शें जाता. तशीच ती बशी सांडिल्ल्या उशट्यांत वता. गरिबाच्या तोंडांतलें गेंलें. हांव म्हणटां अशें करच्या परस तें अन्न कोणाचेतरी भुकेक दिवंचें. तांचो तरी आत्मो तृप्त करचो. ती उश्ट्याची बशी दवरून तो वा ती उदक पिवपाच्या जाग्यार पावन थंयच्यान पॅप्सी, माझा, पिवपाक वतात म्हणजे तुमकां भूक आसून तुमी बशी सांडली तर? ही एक अन्न वाट लावपाची तरा म्हणपाक हरकत ना. थंडगार पिवन जीव थंड जातगीर हीं मनशां आयस्क्रीम, रसमलाय, गुलाब जामून, फ्रुटसॅलड खाल्याबगर हॉल सोडनात.

हांव नकळो रातचीं घरालागीं दोन तीन चपाती भाजी खावपाची तांची भूक हांगा सांडसर कशी खातात? पोटच्या साकांत कितलेंय घालात. बशेंत सांडनास्तना.

म्हारगाय कितली वाडल्या? अशें अन्न आमी घरालागीं सांडनात. पूण दुसऱ्यांच्या बोल्सांचो चुरको म्हजे तकलेक कित्याक लागतलो? अश्यांतली ही गजाल.

तेन्ना जाय जाय म्हूण नाका शें दिसलें अशें तुमी तरी खंय बुफेच्या जेवणाक वता थंय करनांत.



मूल्य : रु.135 /-
(ट.ख.नि.)

भाषिक संघर्षाचे
समाजशास्त्र

बहुभाषाप्रेमी चिंतक, उत्तम मराठी व कोंकणी लेखक – भारतीय ज्ञानपीठ पुरस्काराने सन्मानित, पद्मभूषण श्री. रवीन्द्र केळेकर यांनी समाजभाषाविज्ञानाच्या आधारे गोव्यात मराठीच्या विरोधात लिहिलेल्या लेखांपैकी काही संपादित आणि भाषांतरित लेख, तसेच हिंदी-हिन्दुस्तानी संघर्ष, देशी भाषा व इंग्रजी संघर्ष यांच्या अंतःप्रवाहाचे विवेचन.

लेखक : पद्मभूषण श्री. रवीन्द्र केळेकर
अनुवाद व संपादन : डॉ. अरुणा दुभाषी

राजहंस

प्रकाशक : राजहंस वितरण
1, मीनाक्षी बिल्डिंग, डॉ व्होल्फांगु द सिल्व्हा मार्ग, पणजी, गोवा - 403 001
फोन : (0832) 2220320 / 2232177 E-mail : rajhaunsvitaran@dataone.in

दुबावाचें भूत

– आशा शानभाग
सादोळशें-काणकोण- गोंय
मो. : ९४०४१४५३३७

श्वेता आनी सीमा दोगीय मैत्रिणी. ताचो एकांगी मोग श्वेताक खबर आशिल्लो. शिकप जातकीर दोगांय विंगड -विंगड पडिल्यान सीमाच्या लग्नाची खबर श्वेताक कळलीना जावंये, शिकतनां खंय सीमा सदांच म्हणी, "आकाश म्हाका सोडून कोणांयकडेन लग्न जाल्यार वेळार हांव बळी वचून आकाश आनी ताची बायल हांचेमदीं उजो पेटोंवपीच"

ते दिसा नभा खूबच खोशी आशिल्लें. कारण पांच वर्सांचो ताचो मोग आयज सत थारतालो. जाका पांच वर्सां निसतो पारखिल्लो तो आकाश ताचो जीवन सांगाती जातालो. तांच्या आयज मेरेनच्या मोगाक आयच्या लग्नान पुर्णताय येताली. नव्या संबदाचें नांव घेवन तीं दोगांय आयज एक जातालीं. मंगलाश्टकांच्या घोशांमदीं तें हळूच आकाशाकडेन नदर वळयतालें. एक चित्तान होमाकडे पळयत आकाशान ताची नदर थंयच झेलली. सदां बिनधास्त वागपी नभा आयज लजेलें. आकाश खरोंच अजापलो. हाका पयलींचे तरेन लजूंक येता तर!

ल्हानपणांसावन वांगडा खेळत-बागडत व्हड जाल्लीं नभा-आकाश हीं सख्खी शेजारी. वाडटां वाडटां येवपी सैमीक समजिकायेनुसार दोगांकय मनांत कितेंतरी वेगळेशें घडटा हें जाणवलें. एकामेकांकडेन उलोवंक लज दिसप पूण दिसपट्टीं एकल्याची नदर दुसऱ्याचेर पडना जाल्यार जीव घुसमटप. ह्या रोगाची लागण दोगांकय एका बरोबरच जाली. उजो दोशीवटेन बरोबरच पेटिल्लो. तातुंतच मॅट्रीकेचो रिजल्ट लागलो. बाजारांत बचपी नभाक टेळपी आकाशान ताका एकसुरें गाठलें. खरशेत ताणें विचारलें. "नभा, तूं खंयचे सायडीक वतलें गो?" लजून तांबडें गुल्ल जाल्ल्या नभाक खबर आशिल्लें पंच्याऐशीं टक्के मार्क मेळयल्लो आकाश सायन्साकूच वतलो. हायर सेकंड क्लासांत पास जाल्ल्या नभान मात आर्टस घेवन स्पेशलायजेशन करून कोंकणीतल्यान डॉक्टरेट मेळोवपाचें थारायिल्लें. नभाच्या तोंडांतल्यान सादें अक्षर फुटना जालें. इतलें तें लजलें. हरशीं अबोल वागपी आकाश त्या वेळार धीर करूनच नभासरीं आयिल्लो. "नभा, हांव तुंजेबगर हाचेफुडें जगपाक शकचो ना. तुका होगडावपाची म्हजी तयारी ना. तूंच म्हजी स्फुर्तदेवता. म्हणून तूं जे सायडीक वतलें थंयच हांवय येतलों."

पंदरा-सोळा वर्सांच्या आकाशान आपलें मन आनी मोगय उक्तायलो. नभाक खोशी जाली आकाशाचीं उतरां आयकून. पूण धक्कोच बसलो की हो भुरगो आपूण चूप रावल्यार स्वताच्या भविश्याची वाट लायतलो. मोगा खातीर स्वताच्या करियराची होळी करपाक तयार जाल्ल्या आकाशाक सांवरप हेंच आपलें मोगी ह्या नात्याचें कर्तव्य हें जाणून नभा सारकें, "आकाश, हांव आर्टसाक वतलें. पूण तूं मात म्हजेखातीर सायन्साक वतलो. म्हजी इत्सा आसा की तुवें व्हडलो दोतोर जावंचो. तुजो मोग स्वीकारतनां हांव एकच प्रस्न तुका करतां. तूं म्हजी इत्सा पुराय करतलो काय नां?"

"....."

आकाश कांयच उलयना हें पळोवन नभान ताका परतो

समजायलें, ''आमी कॉलेजींत वांगडा शिकूं वा ना शिकूं पूण हांव तुका आयुश्यभर सांगात दितलें. सदांच तुजे वांगडा रावतलें. हें म्हजें तुका मोगाचें वचन'' बाबड्या आकाशान पयलेच फावट ताचो हात धरलो. तेन्ना आंगार आयिल्ली शिरशिरी शेजराक बशिल्ल्या आकाशाचीय नदर ताच्या हातावयल्या फुलिल्ल्या कांट्याचेर पडली. तो नभाच्या कानालागीं फुतफुतलो. ''कितें जालें गो? भियेलें?''ताच्या ह्या प्रस्नाची जाप नभाच्या तांबड्यागुल्ल जांबासारख्या पोल्यांनी दिली.

लग्नाउप्रांत काया-वाचा-मनान एक जाल्लीं आकाश-नभा केरळांतल्या बॅक वॉटरांतल्या हावसबोटीचेर सुखाच्या ल्हारांचेर धोलतालीं, हायसांची जोडी कशीं फिरतालीं. दुसरे वटेन आकाशाली मामेभयण सीमा मात रागार-फुगार जावन पेटिल्लें, सामकें क्रोधागारांत गेल्लें. रामायणांतले कैकयीवरी जाल्लें. सीमा आकाशाचेर एकांगी मोग करतालें. नकळत्या वयांत आकाशाच्या मुंजीवेळार मामान सीमा बायल करूया म्हणून, रागान काशीक गेल्ल्या मुंज्याक आफोवन हाडिल्ली गजाल ताच्या मनार ठाशिल्ली. तेंच नातें मनांत रूजोवन सीमा भितल्ले भितर, मनां कणकणी आकाशाचेर मोग करतालें. आयज आपल्या जाग्यार नभा आकाशाचे वेंगेंत आसा आनी आकाश आपलो जायनासतना ताचो जालो हें सत्य सहन जायना जावन सीमा सुडान पेटिल्लें.

आकाश आनी नभाचें लग्न म्हळ्यार आपणांचेर जाल्लो अन्याय आनी ताका कारण फकत नभा हें सीमान सामकें मनार कोरून दवरिल्लें. कितेंय करून नभाक ना करपाक जाय अशें तें चिंततालें. सुडाचे भावनेन पेटिल्ले सीमाचे तकलेंत नाना विचार येताले आनी वताले. जिवें मारप शक्य ना हें उमजतकीर सीमान वेगळीच येवजण रचली. आनी तें वयलेवरी थंडावलें कशें जालें तरी मनांतली दु:स्वासाची कीट ताणें पेटयत दवरली.

पंदरा दिसांचो हनीमून टूर आटपून आकाश नभा घरा आयलीं. दोशीवटेनचीं पांच आपोणीं बरेतरेन जालीं. सगल्यांकडेन सीमा खूबच फुडें-फुडें करतालें. नभाकडेन तर ताणें बेस बरें जुळोवन घेतलें. आकाश तर ताचेकडेन पयलीचे भाशेन एकदम फ्री वागतालो. हळुहळू नव्याची नवलाय सोंपत आयली. हनीमून, पांच आपोवणी, सोयऱ्यांकडचीं जेवणां जालीं. आतां सगल्यांचें रूटीन लायफ सुरू जालें. नभा आपले कॉलेजींत शिकोवपाक वचूंक लागलें. तर आकाशान आपल्या क्लिनीकांत पांय दवरलो. कामाच्या रगाड्यांत दोगांय घुस्पलीं तरी शेनवारा सांज ते आयतराची सांज मेरेन विक-एंड गांवाभायर घालोवपाक ताणी सुरवात केली. केन्नाकेन्नां तांचेवांगडा अक्षय, आकाशाचो धाकटो भाव येतालो. केन्नांय सीमा येतालें. खूब फावट अक्षय आनी सीमा दोगांय येतालीं. आतां सगळ्यांच्या मनांत येवपाक लागलें की अक्षय आनी सीमा हांचेमदीं वेगळेंच गुर्टरगुं चल्लां. हय- ना करतां-करतां दोगांयनींय आपल्या मदलें गुपीत उक्तायलें. पयल्या लग्नकार्या उप्रांत स म्हयन्यांभितर दुसरी सून घरांत आयली. सगल्यो अर्थ अपुरबायो वेवस्तीत जाल्यो. हीं दोगांय हनीमुनाक नॉर्थाक म्हळ्यार सिमल्याक गेलीं. तांचें सगळें बुकींग आनी रिझर्वेशन आकाश-नभातर्फे तांका गिफ्ट. सीमा खोशेन हांसलें. ताचे येवजणेंतलो पयलो पावंडो तें चडिल्लें. देखून ताच्या मतानुसार तें पयले फेरयेंत जिकिल्ल्यांतच जमा जाल्लें.

अक्षय एका मल्टीनॅशनल कंपनींत बऱ्या पोस्टार काम करतालो. आकाशाचें क्लिनीक घरापासून लागसारच आशिल्लें. नभाचें घरा पावप मात ताच्या पिरियडांचेर आदारून आसतालें. तिगांचेंय अशें त्रांगडें आशिल्ल्यान दनपरां जेवपाची वेळ थीर नासताली. नभान घरांत सांगून दवरलें की आपल्याखातीर तुमी रावपाक नाका. सगल्यांनी आपूण दोन मेरेन पावना जाल्यार जेवन घेवचें. अक्षय तर आयतार सोडल्यार केन्नाच दनपरां जेवणाक हाजीर नासतालोच. जाणट्या मांय-मांवाक बेगीनसूर वाडून सीमा नभाची वाट पळेतालें आनी दोना उपरांत तें आपलो एकेवटेन देर आनी पयलींचो आतेभाव आकाशावांगडा जेवनय घेतालें.

दीस वताले. म्हयने सोंपताले. अचकीत नभाक दोगां मदीं तिसऱ्याची चांट आयकुपाक आयली. सगळें घर उमेदीन भरलें. अक्षयाच्या जन्माउप्रांत घर भुरग्यांच्या किलांट्यांनी गडगडटलें हें सपन पळोवन नभाची मांय सामकी नेणटी जाली. आकाशान तर नभाक खंय दवरूं आनी खंय नाका जालें. गायनेकान नभाक कांयच बंधनां घालींनांत. फकत एकट्यान स्कुटर चलोवपाक ना केलें. आकाशान आपल्या क्लिनीकाची वेळ ॲडजस्ट करून ताका हाड-व्हर करपाक सुरवात केली. आकाशाचे जावपी हाल पळोवन ताची प्रोफेसर मैत्रिण कल्पनान ताका आपली गाडी शॅर करपाची ऑफर दिली आनी म्हळें, ''नभा, चल पेत्रोलाचो खर्च अर्दो अर्दो'' नभाच्या मानी सभावाक कल्पना दिल्ली सलामीच ती. नभाचे पिरीयेड बेगीन सोपले तरी कल्पनाच्या गाडयेखातीर ताका वाट पळेयत लायब्ररींत बसचें पडटालें. हांगा घरा मात सीमा देवाकडेन मागिल्लें दान बरोबर पडटा म्हणून खूश जातालें. आतां सदांच नभा जेवपाक कळावान येतालें म्हणून सीमा आनी आकाश वांगडाच जेवतालीं. सीमाची बडबड इल्ली खूबच जाताली. जेवतना लेगीत तें हातांत उंडी घेवनच हात हालयत बडबडटालें.

एक दीस दनपरां अडेजांक नभा घरा पावलें. जडशीळ जाल्ल्या नभाचेर जेवणाच्या मेजार बसून बडबडपी सीमाचें लक्ष गेलें नां. आनी दंग जावन आयकुपी आकाशाचेंय लक्ष गेलें ना. खरें पळेल्यार सीमान नभाक येतनां पळयिल्लें. पूण ताणें जुस्त वेळ सादून आकाशाचेर नॅपकीन शेंवटून मारलो. परतो तोच काडून आकाशान ताचेर मारलो. तो नॅपकीन उदकाच्या पेल्याक आपटून उदक सीमाच्या गावनार पडलो. उदक ताच्या पोल्यार, गळ्यार, हातार पडलें. आकाश बेगबेगीन उटलो आनी 'सॉरी' म्हणून ताणें सीमाचो हात पुसपाक सुरवात केली. नभा भितर येवपाक ताची नदर ह्या ट्रेलराचेर पडली.

फाटमोरो आकाश सीमा म्हऱ्यांत कितेंतरी करता. रागान तांबडेंगूंज जाल्लें नभा आपल्या रूमांत गेलें आनी आपल्या आल्मारिंतले चार -दोन कपडे बँगांत उडोवन भायर सरपाची तयारी करपाक लागलें.

हेवटेन आकाशाक बाबड्याक खबर लेगीत ना की नभा घरा पावलां, इतलेंच न्हय तर घर सोडून वचपाची तयारीय करता. तो बाबडो पावणे तीन जालीं म्हणून हुस्को काडत बसला. मोबायल ट्राय केल्यार स्वीच्ड ऑफ येता. इतल्यान बेडरूमाचें दार उक्तें करून नभा खांद्याक बॅग लावन भायर आयलें. ''अरे नभा हांव तुजो हुस्को करतां. आनी तूं घरांत येवन बॅग घेवन वता तरी खंय? केन्ना आयलें तूं? ''तुमचो येदोळ धागडधिंगो चलिल्लो तेन्नाच चुकीन हांव भितर सरलें. तुज्या ह्या रंगेलपणाचो म्हज्या पोटच्या भुरग्याचेर परिणाम जावंक नाका म्हणून हांवच हें घर सोडून कुळारा वतां.''आकाशाच्या अजापीत संयमी प्रस्नाचेर नभाचो हो बॉम्बगुळोच पडलो. आकाशाक आपलो रंगेलपणा खंयचो तेंच कळनाशिल्लें. आकाशाचे म्हणणें, ताचें आडावप न्हयकारून नभा भायर सरलें. सीमाचें दुसरें पावलय येशस्वी थरलें.

रागासरशीं कितेंय घडूं येता हें उमगून आकाशान आपले मांयक फोन करून नभा चाळवून येता हें सांगलें. नभाचें कुळार म्हळ्यार खंय तर आकाशाच्या घरापासून चार-पांच घरां पयस इतलेंच. आकाशाची मांय सामकी भांगर मनीस. तिणें नभाक घरांत घेतलें. फोर्सान चार उंडयो खावपाक लायल्यो आनी एकूय प्रस्न करिनासतना ताका मात्शें आड पडपाक लायलें. आड पडलें तरी नभाच्या दोळ्याक दोळो लागलोना. संशयाच्या भुतान ताच्या मनाचेर नशा चडयिल्ली. आपल्या गुरवारपणांत आकाश जो आपणाचेर पिशांसारको मोग करतालो तो सीमाक इतलो लागीं पावलो हो विचारूच नभाक शॉकिंगसो जाल्लो. सगळे दादले समाच. आपल्या बायलाक गुरूवारपणांत अडकायलें की हांगा थंय शेण खावपाक मेकळे. नभाचें एक मन ताका किडायतालें.



तेच वेळार दुसरें मन, ल्हानपणांसावन ताचेर मोग करपी आकाशाचे गुणच गूण गायतालें. नभा सत् आनी फट हांच्या झोंपाळ्यार धोलतनांच न्हिदून पडलें. ताची जाग घेवन आईन बेगोबेग आकाशाक फोन केलो. ''आकाश, हांव आई रे. नभा हांगा पावलां. तूं कांयच हुस्को करी नाका. कितेंयतरी वाट काडुया'' आनी तिणें फुसलावन आपूण सगळें जाग्यार उडयतां अशें सांगून ताका नभाकडेन आयज तरी फोनार कॉन्टेक्ट न करपाची विनवणी केली. कारण तिचे अणभवान धवे जाल्ले केंस सांगताले की धुवेचो संवसार न मोडटां सारको मार्गाक लावंक जाय.

चार-साडेचारांक नभा आनी ताची आई चा पियेलीं. मागीर धुवेक वेंगांत घेवन आईन हळूच थापटिल्ले भाशेन केलें. ते मायेचे ऊबेन नभाचो आडायिल्लो बांद फुटलो. धडधडीत ताणें आपणें जें पळेलें तें सांगलें. ''आई. म्हाका वायट दिसता. म्हज्या गुरूवारपणाचो गैरफायदो घेवन तीं दोगांय लागीं आयल्यांत गे'' नभाचे आईचो ताच्या उतरांचेर विस्वासच बसलो ना. कारण ती आकाशाक बेस -बरी वळखताली. आकाशाचो पिसो मोग इतलो सवाय न्ही हें जाणुनय ती कांयच उलयली ना. ती नभाक थोपटीत रावली. ताचे तकलेंत सद्याक संशयाचें भूत गेलां आनी दोळ्यांरय संशयाचो पड्डो पडला हें उमगून ह्या दुबावाकच ना करपाचो उपाय ती सोदूंक लागली. अचकीत येवजलें तें श्वेता, तिची जावपी सून. फाटीं एक फावट संकल्पा वांगडा आयिल्लें श्वेता आलबम पळेतनां सीमाचो फोटू पळोवन फटकन् उलोवन गेल्लें, ''एकूण आपलें म्हणणें खरें करपाक सीमान अक्षयाक जाळ्यांत ओडलो तर?'' हाचेर नभाचे आईन खूब खुसलायतकीर श्वेतान सगली काणी सांगिल्ली. ती फ्लॅश-बॅक कशी तिचे नदरेसामकारा घुंवली.

श्वेता आनी सीमा दोगीय मैत्रिणी. ताचो एकांगी मोग श्वेताक खबर आशिल्लो. शिकप जातकीर दोगांय विंगड -विंगड पडिल्ल्यान सीमाच्या लग्नाची खबर श्वेताक कळ्ळीना जावंये, शिकतनां खंय सीमा सदांच म्हणी, ''आकाश म्हाका सोडून कोणांयकडेन लग्न जाल्यार वेळार हांव बळी वचून आकाश आनी ताची बायल हांचेमदीं उजो पेटोंवपीच''

नभाचे आईक दुबावाचें भूत ना करपाचो उपाय मेळ्ळो. ''नभा, पुता म्हज्या तुजो भांगरासारको संवसार मोडपाची कोणांक तरी इत्सा जाल्या. तूं आनी आकाश हांचे मदीं दुबावाचें भूत सारून तुमचो बिजोड करपाक कोण तरी पेटला हें हांवें सांगल्यार तुका पटचें

ना. तुज्या दुबावाक पयसावपी तेस्तमुनाक संकल्पावांगडा येवपाक सांगतां. पळय तेन्नाच आकाशाकय हांव आफयतलें. तुजेकडल्यान ताचो आपमान जावंक फावचोना आं.'' गाल फुगोवन नभान आं म्हणलें. तिणें लागलींच फोन करून संकल्पाक सांगलें, ''संकल्प, आयज सांजवेळा श्वेताक घेवन यो-आनी येतनां ताका आवडपी ढोकळो आनी आकाश भावोजीक सोनपापडीय घेवन यो. श्वेताचे मम्मीक हांव फोन करून कळयतां तें लेट पावतलें म्हणून-आनी तूंच ताका सोडटलो म्हणून''

पावणे स वरां जालीं. गाडी थांबली. ओळखीचो हॉर्न आयकून नभा धांवत धांवत दारालागीं आयलें. आपूण रागार आसां हें येवजून तें आपल्या रूमांत वचून बसलें. आकाशा फाटोफाट संकल्प आनी श्वेताय आयलीं. तांच्या च्या नाश्ताची तयारी करून आईन नभाक उलो मारलो. ''नभा, भायर यो'' जडशीळ नभाक आदार दिवंक आकाश बेगीबेगीन ताच्या म्हऱ्यांत आयलो. जिबेच्या पोंतार आयिल्लो थोमणो आईक दिल्ल्या वचनाक लागून ताणें गिळ्ळो आनी तें पयस सोफार बसलें. श्वेता आनी संकल्प नभाचे हे तिरसट वागणुकेन गडबडलीं. ''आई नभाचें जालां तरी कितें?'' संकल्पाच्या ह्या प्रस्नाक जाप दिवपाची सोडून आईन डायरेक्ट श्वेताक फर्मायलें.''श्वेता, ते दिसा तुवें म्हाका सीमाविशीं जें कितें सांगिल्लें तें हांचेमुखार परतें सांग.'' श्वेता अनमनलें. पूण आईन नभा आनी आकाशामदलें वादळ सांगतकीर ताणें सीमाच्या कर्तूबाचो पाडोच वाचलो. ''आई, इतले बेगीन तें आकाश आनी ताची बायल हांका फोडपाक शकलें हें खरें तर अजापच'' अशें सांगून श्वेतान काणी सोंपयली.

नभाक सत कळून आयलें. तरी फुडें सरलें ना ''नभा, तुवें आकाशा सारकिल्या हिऱ्याचेर आरोप करून, ताचो दुबाव घेवन ताचेर अन्याय केला. ताका सॉरी म्हण'' ''आई, हांव आनी नभा वेगळीं न्हय, नभाची चूक ती म्हजीच चूक मानून हांवच तुमची सगल्यांची चूक मागतां. खरें सांगतां सीमाच्या मनांतल्या ह्या घडणुकांची म्हाका कांयच कल्पनांच नाशिल्ली. हांव केन्नांच ताचे कडेन ते नदरेन पळयच नाशिल्लों. भुरगेपणांसांवनचें भावा भयणीचें नातें मानून हांव फ्री वागतालों. हाचो ताणें गैरफायदो घेवन आमच्या संवसारांत वीख कालोवपाचो यत्न केलो. आई, तुवें समजीकायेन आनी सादुरसाणेन वागिल्ल्यान आमी सालबार. आतां खंयच्याय तरी एका जोडप्यान घराभायर पडपाचें. एक तर आमी ना जाल्यार ताणी.'' घडाघडा उलोवपी आकाशाकडेन पळयतगीर नभाक ताचें व्हडपण समजलें. खांवत वचून तें आकाशाचे वेंगेत रिगलें.''खरेंच सामकी पिशी गो बायल म्हजी!'' म्हणून ताका पोशेवपी आकाश आईचे नकली खोकलेन जाग्यार आयलो.

''कोणूच घरांतल्यान भायर सरचो नां. तुमच्या आवय-बापायन कितें गुन्यांव केला म्हणून तांचे राम-लक्ष्मण तुमी तांचेपसून पयसावतले? नाजाल्यार तांचो कांयच गुन्यांव नासतनांच तांचेय तुमी वाटे करून एक-एक वांटून घेवन म्हातारपणांत तांचेमदीं विजोड घालतले? सगलीं एकठांय घरांतच रावतलीं. ह्या दुबावाच्या भुताक ना करपाची येवजण म्हजेकडेन तयार आसा.'' आईच्या ह्या बॉम्ब वर्षावा मुखार कोणेंच जाप काडली नां. तिणें नभाक घरा फोन करपाक सांगलें..

हेवटेन फोनाची रींग वाजतकीर सीमानच फोन घेतलो. ''हॅलो सीमा. हांव नभा. प्लीज आई -बाबाक मात्शें सांग आं हांव आनी आकाश आईगेरच जेवन येतात म्हणून'' सहजपणान कांय दडपण, दुश्टपणा न दाखयतां केल्ल्या ह्या भासाभाशेन सीमाक आपलें कर्म फसलें हें जाणवलें. जेवतकीर फळांचीं कापां करतां करतां आईन आपली येवजन मांडली. ''आकाश, आनीक एक दोन म्हयन्यांनी भाऊबीज येतली. तुमी दोगूय भावच. केन्नांच तुमकां कोणेंच भाऊबीज करूंना. पूण अंदू तुका आनी अक्षयाकय भयण मेळ्ळ्या. आकाश तुवें सीमाक भाऊबिजेची ओवाळणी दिवप आनी नभा तुवें अक्षयाक ओवाळून ताचेकडच्यान गिफ्ट फारावप.''

''आई म्हजे हक्कार गदा हाडटा गे तूं? हांव सख्खो भाव आसून ताणें अक्षयाक कित्याक ओवाळप?'' अशा लटक्या प्रश्नांच्यो फेरी आनी हांसत खेळत जावपी जापो आयकून आपल्या दोळ्यांतल्यान व्हांवपी दुकां न पुसतां व्हावोवपाक दिताली ती अणभवाची खाण जाल्ली नभाची आईच. तिचे अणभवी नदरेन आनी काळजान आयज धुवेचो संवसारगाडो समा रस्त्यार हाडिल्लो, धूव आनी जांवयामदल्या दुबावाच्या भुताक मोगाच्या बंदनांत बांदून.

बिम्ब मासिकाक शुभेच्छा :

माणिक बार ॲन्ड रेस्टोरन्ट

कदंब बस स्टॅण्डा सामकार
दिवचल - गोंय

प्रोप्रा. - प्रकाश नायक

उत्कृष्ट शाकाहारी, मांसाहारी, गोमंतकीय जेवण

– ब्रॅण्डा मिनेझीस
मस्टर्ड सीड,
कुस्मण, केपें-गोंय.
फोन : २६६२४९१

फुलामेन..

'बाय तेणे दोन आंबेच वोयल्याय. तेच्च्यान मुगे नोशीब वोरच्च्या जावचेना. ते दोन आंबे तेका धाडोसपोण्ण दितो जाल्या दिंवदी. हांव ते मुको नासलोले मूण सोमजोतोलें. तेका बोरी बोलायकी जांव दी. आनी फुडाराक देवान तेका बोरी बुद्द दिल्या पुरो.'

''फुलामेन येंवक ना गो आयज?'' बाजारांतल्या एका कोनश्याक बशिल्ल्या मारीक हांवें विचारलें.

''ना बाय. आयज सात दीस जाले. तें बाजरा आयलें ना. तेका 'आर्र' जाल्या आनी ओस्पीतालां आहां तें.'' मारी दुखी आवाजान उद्गारलें.

म्हज्या काळजांत कच्च जालें. ''कितें? कितें सांगता गो तूं?'आर्र'? आनी फुलामेनाक?'' हांवें अजापून परत प्रस्न केलो.

''ओय गो बाये. देवागे गूट देव जाणा. केदोन, कोणा कित जातो ते तेका बाबड्या खोबर. ते दिसा सोकाणी तेच्यान उट्टूंकू नोज जालें. तेगे घोरांत कोणू ना. तेगे घोव इगोर्जेको, पादीगरा रांदूं आसोता. एक पूत आहा. पूण तोकलेन फ्राक. बोरोना. मोन्या बाशेन ओग बोरो बोयमूनू रावता. तेगे सासपाय जितें मोडें अेशें हांतूरणा लागलो आहा. तें बाजरा येत तेदोना, तेंका जेवोण तोयार दोवोन, देग कुलूप लायन येता.''

हें फुलामेन, बाजारांत फळां विकूंक बसतालें. हांसत्या मुखामळाचें. गिरायका कडेन मोवाळ उलोवपी. कशें म्हणून हांव नकळो, पूण एका आठव्याच तरेच्या नात्यान आमी एकठांय आयिल्लीं. ऑफिसांतल्यान सांजचें घरा वतना, आत्रे-पयऱ्यान ताचे कडसून केळीं, चिकू आनी दुसरे तरेचीं फळां विकतीं घेता आसतना ताचे कडेन मनमेकळेपणान दोन गजाली करून, घरची वाट धरतालें. हांव चड दीस ताका दिसलें ना जाल्यार तें म्हाका हुस्केतालें, आनी त्या जाग्यार तें म्हाका दिसलें ना जाल्यार हांव वयर सकयल जातालें. फाटल्या सुमानभर हांव सुटयेर आशिल्ल्यान ताचे गैरहजेरीत म्हाका सुलूस लागूंक ना. मारी कडल्यान केळीं विकतीं घेवन, फुलामेनाविशीं हुस्केत हांव घरा परतलें. हांव घरा पावलें तरी ताचीच याद मनांत. आपली परिस्थिती ताणें केन्नाच म्हाका सांगली ना. ताच्या मुखामळावयल्या हांशापोंदा, इतले कश्ट-कांटे लिपिल्ले म्हाका कशे दिसलेना? इतलो भार माथ्यार आसूनय, कशें तांडलें ताणें आपलें अदृश्टी जिणें व्हडें? म्हाकाच विचार हांवें केलो. ते रातीक हांव सदांचे बशेन सुस्त न्हिदलें ना. सकाळीं उठलें तरी सडसडीत काम करूंक म्हज्यान जालेंना. परत परत फुलामेन दोळ्यांमुखार येतालें. हांव इतलें काचाबूल जावंक तें कोण म्हजें?

कसलें तें नातें? परत म्हज्या मनांत प्रस्न. 'आंगा-पांगान घटमूट आशिल्ले अस्तुरेक कित्याक हांतरूणार उडयली देवा?' हांवें देवाचेर शीण काडलो.

आतां कसो आपल्या पुता आनी मावाचो सांबाळ तें करतलें? हेंच मनांत घोळयत हांव म्हजें घरातलें काम आटोपून घेतलें आनी तयार जावन ऑफीसची वाट धरली. फुलामेनाचे खबरेक सांजे वचपाचो बेत ठरोवन हांवें म्हजें ऑफीसातलें काम सुरू केलें. वेळ कसो गेलो, कळ्ळेंच ना. सांजेचीं साडेपांच जालीं. हांवें बेगीन बेगीन बिटकी कवळ्ळी आनी बॅग खांद्याक लावन सडसडीत पावंडे देंवलें. लागींच आशिल्ल्या गाड्यार बिस्कीटाचो पुडो घेतलो आनी हॉस्पिटलांत गेलें.

बायलांच्या वार्डात हांव भितर सरलें. म्हजी नदर फुलामेनाक सोदताली. सगल्यो खाटी नियाळल्यो. पूण म्हाका एकूय खाटीर फुलामेन दिसलें ना. परत एक फावट म्हाका कांपरो सुटलो. कितें जालें काय देवा? वॉर्डांतल्यो हेर बायलो म्हाका पळयताल्यो. एकटेन म्हाका विचारलें, 'कोणाक सोदता?' फुलामेनाची हांवे वासपूस करतांच, तिणें जाप दिली, 'दोन दीस जाले, ताका एक माद्र येवन घेवन गेल्या. खंय आनी कित्याक तें मात आमकां खबर ना.'

हांवें सुटकेचो सुस्कार सोडलो, 'देवा तुकां आरगां कांयच वायट जावंक नां. माद्रीन ताका व्हेलां म्हणटकीर बऱ्याकूच आसतलें.' हुस्क्या मेकळें जायत, ताका बेगीनूच बरें करूंक देवाक प्रार्थीत हांव हॉस्पीटलांतल्यान भायर सरलें. बसींत बसतनाच एक विसरूंक शकलेंना तसलो खीण म्हज्या मना पड्डचार झळकलो...

मायाचो म्हयनो. आंब्यांचो काळ. त्या वर्सा बरी पीक जावंक नाशिल्ल्यान आंब्यांची दर मळबाक तेंकिल्ली. हांव आंबे घेवंक फुलामेना मुखार उबें आशिल्लें. म्हजे मुखार एक जाण्टोसो झेतान न्हेशिल्लो दादलो, आपलें बॅग उगडून आंबो घेतालो. फुलामेनान मेजून आंबे घातले.

'आनीक दोन उडय गो' ताणें धेंगशेत म्हळें. 'ना भाटकारा. एक पासून मायज घालच्या जायना. तुका हायें शेंबोर रूपयांक, सो सांगलेले, पूण आठ दिल्याय.' फुलामेनान नमळायेन सांगलें.

'चल उडय आनीक दोन आनी धा कर ते. आंब्यांक कितें भांगर लागलां? शंबराक धा तरी आंबे येनात? उडय दोन' बॅग उगडें दवरूनच तो आनीक दोन आंब्यांखातीर ताचेकडेन वाणपण करतालो.

'भाटकारा, आमकां पोण्णाय, शंबऱ्याक धा. चार पोयशे हेजेर मेटाय तेचेर आमगे दिसपोटो चोलोता. पोयशे दी बाबा.' आंबे घालीनासतना फुलामेनान पयशांक हात मुखार केलो. म्हज्या दोळ्यां हुजीर त्या दादल्यान ताचेर शंबराची नोट शेवटिली आनी ताच्या पांटल्यांतले दोन आंबे काडून आपल्या बॅगांत घालून ताका पळयनासतना चलूंक लागलो.

'भाटकारा आनी वीस रूपया तोरी दी. वोतान तापून, तानेन आनी भुकेन वोळवोळून केले कोश्टा फोळ तूं खायनाका.' फुलामेनाची विनवणी ताच्या भेऱ्या कानार फडली.

हांव ताका पळयतूच उरलें. भानार येताच, तिडक म्हज्या मस्तकाक मारली. तेन्ना मेरेन तो थंयचो नाच्च जालो. 'कितें भाटकारा, भाटकारा म्हुणटाय? धावूंक जायना आसलें ताच्या फाटल्यान? काडून घेंवचें न्हय आसले ते दोन आंबे, ताच्या बॅगांतले? असल्या कर्मकट्ट्यांचो इतलो अधिकार तुमचेर?' हांव रागान थरथरतालें.

फुलामेन शांत आसलें, 'बाय तेणे दोन आंबेच वोयल्याय. तेच्च्यान मुगे नोशीब वोरच्या जावचेना. ते दोन आंबे तेका धादोसपोण्ण दितो जाल्या दिंवदी. हांव ते मुको नासलोले मूण सोमजोतोलें. तेका बोरी बोलायकी जांव दी. आनी फुडाराक देवान तेका बोरी बुद दिल्या पुरो.'

शिकप नाशिल्ल्या, पूण महान विचारान भरिल्ल्या ते सादे अस्तुरेन म्हज्या रागाचेर, म्हज्या ल्हान विचारांचेर आपल्या जाणवायेच्या उतरांचो शिंतोड मारलो. ती अस्तुरी... हींच चिंतना म्हज्या मनांत घोळयत घोळयत हांवें घराचो हुंबरो हुपलो. मारीय ते सुवातेर आतां बसना जालें. दीस धांवले आनी म्हयने सरत गेले. हांव म्हज्या दिसपट्ट्या राटावळींनी घुस्पलें आनी सवका सवका फुलामेनाचेर आनी मारीचेर विसर पडत गेलो. हांव आतां फळां आनी भाजी दुसऱ्या कडेन विकत घेवंक लागलें.

एक दिसां सदांचे बशेन, ऑफीसांतल्यान घरा वतना, फुलामेन बसतालें त्या जाग्यार हांव पावलें.

'बाय...ओ बोय.... बाय...' म्हज्या कानार वळखिचो सो उलो सादलो.

हांव थांबलें. वळून पळयल्यार, शेटीच्या दुकानाच्या पावंड्या सकयल, एक बारीकशी बायल लकत लकत उबी रावली. वांकडें जाल्लें तोंड, लांबतलो दावो हात. खिणांक म्हाका तिची वळख पटूंक ना. वांकडे जाल्ल्या तिच्या तोंडार हांसो खेळ्ळो मात....

''फुलामेन!''

हय. हांव ताका वळखलें. फुलामेनाचो हांसो! तो खंयचेय पिडेच्यान पुसूंक जालो ना. हांव धांवत ताचेकडेन पावलें. ताणें आपल्या उजव्या हातान म्हका वेंग मारली. दोगांयच्याय दोळ्यांतल्यान दुकां व्हावलीं. तें म्हाका घट्ट धरून रावलें. सवकास ताका हांवें ताच्या स्टुलार बसयत ताचेर प्रश्नाचो पावस रकयलो. 'फुलामेन'तूं कशें आसा? सांग, कितें जाल्लें तुका? घरांत कशें चलता आतां?'

ते पिडेक लागून तें खूब अशक्त जाल्लें. तें गळगळिल्लें. लांब-रूंद पाटी कशी आशिल्ली बायल सुकून बडी जाल्ली. ताच्यान सारकें उलोवंक जायना आसलें. तरूय थांबत थांबत ताणें उलोवंक सुरू केलें.

'आर्र जाल्ल्या पिडेवंतांक एका कोंवेंतातल्यो माद्री ओस्पीताल चोलोयताय. वोखदां आनी मालीस कोन्न हे पिडेंतुली बोरीं कोत्ताय. हांव ओस्पीताला पोडटोरी, आमगे पाद इगरान मुजेर दोयाळ कोन्नी केली बाये. तेगे उपकार हांव केन्ना इसरोचना. एके सिस्टरी आपोयन म्हाका थूंय वोयलें. इंजेसांवा,

बोखंदा आनी मालीस कोन्न आयज म्हाका बोरें कोन्न पोत्तून मुगें पांयाक चोलोंक घोडसाण दिली...' खर्शेत तें थांबलें.

'तुजो पुत आनी मांव? तुवें केन्नाच म्हाका तांचेबद्दल सांगूंक ना. कित्याक?' हांवें शीण काडलो. 'बाय, सोगलीं घोरांतू दुख उलोवन दाखोंवच्या बोरें दिसलें ना. हांव घारा ना म्हूण पादिगारान मुगे पुता, तेसो भुरग्यां दोवोत्ताय त्या घोरांत दोवरलो आनी पायक वोन्न जाण्ट्यां दोवोत्ताय त्या घोरां दोवोल्लो. पूण आट्ट दीस तो थींगा उरलो. देवान तेजो उगडास केलो बाये. आनी तेका आनी आमकांय सुटका दिली.' फुलामेनाक रडूंक आयलें.

'फुलामेन, तूं आजूनय बरें जावंक ना. हें पाटें घेवन, कशें येता तूं बाजारांत?' हांवें ताका मदींच आडावन विचारलें.

'बाय, देव सोगली वाट कोत्ता. पादरगारान आपल्या गे पोन्ने स्कूटर मुगे घोवा दिल्या. सोकाणी तो म्हाका हिंगा हाण्ण सांडा आनी सांजेचो व्होरों येता. मुगे पुताकूय आमी आता घोरा हाडला. तो थींग रावन मातशे बोरो जाला. म्हुज्यान आतां घोरांतू काम कोरूं जाता. घोव आनी पूत हात बोट घाताय आनी कामां आदार दिताय. बाये, देवान मुगे इबाडलो बोलायकी पोत्तून दिल्या. हांतूरणार पोडोन दोवोल्ले ना. हांव बोसून रावल्यार देवा ओकमान जातोलो. मुगे आतां सोड तूं कशें आहां? आनी तुका कोणें सांगिल्ली मुगे घोरची खोबोर?' फुलामेनान म्हाका प्रश्न केलो.

'त्या मारीन. ताणेंच म्हाका सांगलें तूं हॉस्पीटलांत आसा म्हणून. आनी हांव तुका पळोवंक गेल्लें हॉस्पीटलांत. थंय म्हाका तुका सिस्टर येवन घेवन गेली म्हूण कळ्ळें. दुसरे दिसा तुजी खबर मारीक सांगूंक म्हूण हांव थंय थांबल्यार, तें थंय नासलें. आयज मेरेन तें म्हाका दिसलेंच ना. तें बरें ना काय कितें? काय खंय पयस बा गेलां? हांवें हुस्को उक्तायलों.'

फुलामेनान आपलें तोंड पालवान धापलें आनी रुडकेवक लागलें. 'ओय बाये, तें पोयस गेलां. बोरें पोयस... थींग सोन तें आता केन्नाच येवपा नां...'

'कितें सांगता तूं फुलामेन? कितें जालें ताका? कशें घडलें तें?' हांवें थरथरत विचारलें. म्हाका धक्कोच बशिल्लो.

'न्हिदेंतू मेलें तें बाय.... तेगे पिराय सामकी ल्हान. तीन ल्हान ल्हान भुरगीं आहांय बाय तेगेलीं. आयज आवोय ना जायन ओनाथ जाल्यांय. जिवीत हें ओशें बाये. देवान, मेजून, मापून आमकां दीस आनी घोडयो दिल्याय. तितलीं आमकां मेटोली... एक मायज वो कोमी मेळचेना. हांव ते पिडेंतू वाटोवलें. पूण मारी?' फुलामेन परतून रडूंक लागलें. परत म्हजें काळीज पिंजलें. मारीची मुर्ती तीन धाकटुल्या पोरां सांगाता म्हज्या दोळ्यांमुखार उबी जाली. हांवें फुलामेनाकडल्यान बिकू घेतले. पर्स उगडून, ताच्या हातांत शंबर रुपयांची नोट घातली. आनी बॅग घेवन कांयच फुडें उलयनासतना, बस-स्टॉपची वाट धरली.

'बाय उल्लो पोयशे व्होर. बाय पोयशे घे,.' हांव परतूंक ना. म्हज्या दोळ्यांतल्यान व्हांवतलीं दुका फुलामेनाक दाखोवंक ना!

एकलें - एकसुरें

– राधिका गुरुराज कामत सातोस्कार
साखळी गोंय
फोन : ९८२३६७४५२०



सदचेवरी नीतू दर्यावेळेर पासयेक वचपाक भायर सरलें. ताणें घराचें दार बंद करून कुलूप लायलें. सपणां देंवन रस्त्यार वतना ताची नदर दारार बशिल्ल्या सुण्याचेर पडली. तो ताका पळोवन शेपडी हालयतालो. नीतून ताका हांसून म्हळें, ''शाण्या, हांव वचून येता आं, ते म्हणसर मात्शी नदर दवर आं!'' नीतूलें तें आतां सदचेंच जाल्लें. घरांत एकलें एकसुरें वाज येता म्हण तें सांजेचें सदांच दर्यावेळेर पासयेक वतालें. आपल्या मनशांचो वा लोकांचो न्हय पूण कांय वेळ ताका सैमाचो तरी सहवास मेळटालो. आशी-कुशीक कोण शेजारी-पाजारी नाशिल्ल्यान घरांतल्यान भायर सरतना तें सदांच दारार बसून आशिल्ल्या सुण्याक नदर दवरूंक सांगतालें.

घराकडल्यान दर्यावेळेवयली वाट चलत वता आसतना नीतू आंगार मारपी वाऱ्याकडेन उलयतालें, झाडावयल्या सवण्यांचीं गीतां आयकतालें, हांसतालें आनी अशें करतां करतां वाट कशी सोंपली आनी दर्यावेळेर केन्ना पावलें हें सुध्दां ताका कळनाशिल्लें. दर्यावेळेर एकलें एकसुरेंच एक झाड आशिल्लें, बाकीच्या झाडांपासून पयस कशें! नीतू सदांच त्या एकल्या एकसुऱ्या झाडापोंदा वचून बसतालें. त्याच वेळार थंय सदांच गांवठी सुण्याचे दोन पेटे खेळपाक येताले. नीतू सदांच त्या पेट्यांचो खेळ पळयतालें. एकलो पेटो हळूच दुसऱ्या पेट्याचेर उडी घेतालो आनी ताका चाबडायल्ले भशेन करतालो. दुसरो पेटो मागीर ताका धरपाक उबो रावतालो तेन्ना पयलो पेटो झाडाफाटल्यान येवन लिपतालो आनी दुसरो ताका सोदीत रावतालो. दुसरो पेटो जेन्ना पयल्या पेट्याक हेवटेन-तेवटेन सोदतालो तेन्ना नीतू ताच्या तोंडावयले भाव नियाळटालें. तो तेन्ना चिंतेस्त आनी दुखेस्त दिसतालो. पूण जेन्ना दुसरो पेटो ताका मेळटालो तेन्ना तो ताका वेंगेंत घेवन खोशी जावन चाट्टालो. त्या पेट्यांचो एकामेकांवेलो मोग पळोवन नीतूकय खोशी जाताली. त्या पेट्यांचो खेळ पळयत, वाऱ्यावांगडा उलयत झाडाच्या सहवासांत नीतू दीस बुडसर आपलो वेळ दर्यावेळेर पासार करतालें. दर्यावेळेर खूब लोक येतालो पूण त्या एकल्या एकसुऱ्या झाडाकडेन, नीतूकडेन आनी त्या दोन पेट्यांकडेन कोणाचेंच लक्ष वचनाशिल्लें. दीस बुडनाफुडें जशी-जशी दर्यावेळेवयली गर्दी कमी जाताली तशे नीतूचे पांय आपोआपच घराकडेन वचूंक लागताले.

सदचेवरी नीतू आजय दर्यावेळेर वचपाक भायर सरलें. वाऱ्यावांगडा उलयत, सवण्यांचीं गीतां आयकत केन्ना दर्यावेळेर पावलें ताका कळ्ळेंच ना. आपलें सदच्या झाडापोंदा वचून तें बसलें. त्या पेट्यांची वाट पळयत. पूण आज तो पेटो एकटोच आयलो दुसरो पेटो-ताचो जोडिदार आज नासलो. त्या पेट्यान हेवटेन-तेवटेन दुसऱ्या पेट्याक सोदिल्लेवरी केलें आनी आबूज जाल्लेवरी सगळ्यांक पळयत रावलो. दुसऱ्या पेट्याक सोदपाचे सगळे यत्न निर्फळ थरल्या उपरांत दर्यावाटेन तोंड करून तो ओग्गी बसलो. ताच्या तोंडावयले भाव नीतून नियाळले. दुखेस्त, चिंतेस्त आनी एकसुरेपणाचो भाव. ताचो इश्ट आज ताचेवांगडा नाशिल्ल्यान ताका एकलेंपण खातालें हें नीतूक ताच्या तोंडावयल्यान कळ्ळें आनी ताची ही अवस्था पळोवन नीतूच्या मनांत विचारांनी गर्दी केली. खंय गेलो काय ताचो सांगाती? दोगूय एकामेकांबगर रावंक शकनाशिल्ले. असो हाका एकटो उडोवन तो पेटो गेलो तरी खंय काय? एकसुरेपणांत कितले त्रास जातात हाची जाणविकाय नीतूक आशिल्ली आनी ताकालागूनच ताका त्या पेट्याचे चुरचुरे दिसताले. तो पेटो एकटक दर्याच्या ल्हारांकडेन नदर लावन बशिल्लो. नीतूय सुरवातीक एकलें पडिल्लें तेन्ना एकसुरपणाचे भावनेन अशेंच त्या पेट्यावरी दर्याच्या ल्हारांकडेन नदर लावन बशिल्लें. नीतूक आपलीच एकसुरेपणाची संवय जाल्ली. ताणें सैमाकडेन आमिजाद केल्ली, हें एकसुरें झाड आनी वारो ताचो इश्ट जाल्लो. नीतूक त्या पेट्याभितर आपली झलक दिसली. तें ताका एकटक पळयत रावलें. हळुहळू दीस बुडलो, गर्दी कमी जाली आनी नीतूय वचपाक उठलें. पूण तो पेटो थंयच बशिल्लो. 'हांवय सुरवातीक अशेंच बसून रावतालें पूण हळुहळू म्हाका संवय जाली, हांवेंय ह्या एकसुरेपणाकडेनच आमीजाद केली. तुकाय संवय जातली आं!' नीतून त्या पेट्याक पोशेत म्हणलें. पूण त्या पेट्याचें लक्ष हाललें ना. नीतूचे पांय घरची वाट चलपाक लागले.

पूण आज ताचे पांय चलपाक जड जाताले. त्या पेट्याविशींच मनांत विचार येताले. खंय गेलो काय तो? ह्या पेट्याक असो एकलो सोडून? आज खूब दिसांनी परत एकदां नीतूक एकसुरेपण सतावपाक लागलें. एकूच विचार परत-परत ताच्या मनांत येवपाक लागलो. 'खरेंच एकसुरेपणान आयुश्य जगप खूबच कठीण आसता...'

अश्रेकणी

- कुमूद भिकू नायक
खोर्ली,
तिसवाडी - गोंय

बरें जांव त्या सरकाराचें

सरकाराचें बरें जांव! सरकाराचें बरें जांव! अशें म्हणत शेजारी बाईबाय रत्नागेर आयली. रत्ना दाराचेरूच उबें आशिल्लें.

''कितें गे बाईबाय आयज सरकाराचें बरें मागता शी...? हरशीं तूं सदांच सरकाराचें पाड पडूं म्हणटा न्हय गे!''

''म्हणटां गो, पूण बरी गजाल आसत जाल्यार तांचें बरें मागपाक कितें जालां?''

''सांग मगे सरकारान बरी गजाल कसली केल्या ती?''

''आगो सरकारान खंय आतां स्कुलांनी धावी मेरेन शिकपी भुरग्यांक मदल्या वेळाचें खाण दिवपाक सुरवात केल्या.''

''तशें जाल्यार एकदम बरें जालें. हांव ह्या नितेशा तोंडांतल्यान सुटलें गो बाये, सकाळचें उठल्या बरोबर एक टेन्शन, टिफिन कसलें करूं काय म्हण चिंतचें पडटा. दिल्या उपरांत हें नाका आनी तें नाका. जांव सायबा सगळ्या भुरग्यांबरोबर हाणीं कितें खाल्ल्यार पुरो.''

''कसलें खाण दितात खंय गे बाईबाय?''

''पाव-भाजी, पुलाव, शिरो असलें खाण दितात खंय! इतलेंच न्हय तें खाण पयलीं त्या स्कुलाचो टिचर टेस्ट करता आनी मागीरूच सगळ्या भुरग्यांक दितात.''

''तशें जाल्यार ही सामकी बरी गजाल. जांव सायबा आमचें टेन्शन गेलें तें! बरें आसा. भुरगीं तरी त्या निमतान खातलीं. पूण दितात तें खाण बरें आसल्यार पुरो सायबा. ना जाल्यार एक-दोन वर्सां दिवन बंद करचें पडना जाल्यार पुरो.''

''हय गो बाये हें मात तुजें खरें.''

''आगो सरकारान तश्यो जाय त्यो नव्यो नव्यो येवजण्यो चालू केल्यात. स्कुलांनी भुरग्यांक हाड-व्हर करपाक बशीय दिल्यात.

''कितें, स्कुलांनी बशी दिल्यात? हें मात म्हाका खबर नाशिल्लें.''

''तुज्या भुरग्यांक स्कूल लागींच न्हय गो. मात्शीं चलून गेल्यार स्कुलांत पावतात, म्हणटकच तुका बशीचो त्रास बी म्हणटात तें कशेंच कळचें ना.''

''आगे बाईबाय अशें कित्याक म्हणटा तूं? बशी खातीर कसो त्रास जाता तें कळपाक कितें स्कुलानूच वचपाक जाय. काय पयसुल्लींच आसपाक जाय?''

''तेखातीर न्हय गो, कांय गांव भितर-भितर आसात, त्या गांवच्या भुरग्यांचे स्कुलांत वचपाक कसले हाल जातात न्हय?''

''पयलीं म्हळ्यार तांकां टायमार बशी नांत. तातूंत भुरग्यांक हाफ तिकेट; म्हणटकच कंडक्टर सामके फडफडावन त्या भुरग्यांक घेतात, चड उलोवपाचें आसा? सोडून वचत म्हूण भंय. दिसता की हें सगळें बसवाल्यांचेंच राज्य कशें! वरांचीं वरां त्या बॅगाचें वजें फाटीर घेवन तीं भुरगीं उबीं आसतात. काकूट दिसता त्या भुरग्यांची. ह्या बशीच्या ड्रायव्हरांचें मात एक बरें, लोकांक घेतना खंयूय उबे राव ते बशी थारायतात आनी पॅसेंजर घेतात, पूण देवयतना मात तांकां बसस्टॉप लागता. स्कुलाचीं भुरगीं तांकां उबी राविल्लीं दिसनांत. अशा वेळार सरकारान स्कुलाक बशी दिवन भुरग्यांचेर आनी आवय-बापायचेर उपकारूच केल्यात. आतां भुरगीं स्कुलांतूच न्हय तर घराय बी टायमार पावतलीं हातूंत दुबाव ना. बशी टायमार नाशिल्ल्यान भुरगीं चारांक-पांचांक सुध्दां घरा पावतालीं. वतांतल्यान तापून आयिल्ल्यान तांकां जेवणूय चलनाशिल्लें. अभ्यास करपाक वेळ पावनाशिल्लो. भुरगीं शाळेंत वचून घरा पाव मेरेन आवय-बापायक हुस्को आसतालो. आतां तेंवूय टॅन्शन गेलें म्हटल्यार जाता.''

''हय. बरें जावं त्या सरकाराचें.''

''जाणा मगे बाईबाय, दुयेंताखातीरूय सरकारान नव्यो येवजण्यो चालीक लायल्यात. सगळ्यांत बरी येवजण म्हणल्यार दुयेंताखातीर १०८ गाडी दिवन सगळ्या जनतेचेर उपकार केल्यात. भुरगीं-बाळां बरीं नासूं वा जाण्टीं मनशां बरीं नासूं. १०८ गाडी म्हणल्यार दुयेंतीखातीर एक दैवत.''

''कालचीच गजाल, आमचें नेहा सायकलीवेल्यान पडलें. तकली फातराक आपटली. कितलें रगत गेलें म्हूण सांगूं, कितलो वेळ मेरेन ताची शुध्दच गेल्ली. सांगपाचें म्हणल्यार आमच्या घरांत दोन गाडयो आसात. पूण ताचो कितें उपेग? तेदेवेळार घरांत कोणूच नाशिल्लो. वाटेन वतल्यानी १०८ गाडयेक फोन केलो. पांच मिण्टांत गाडी पावली. ताचे पयलीं हांवें म्हज्या घरकाराक फोन केल्लो पूण तांकां येवपाक अर्दवर लागलें.''

''अर्दवर लागलें जाल्यार तो चड पयस गेल्लो आसतलो गो!''

''ना गो, चड पयस वचूंक नाशिल्लो. रस्त्यार ब्लॉक जावन उरिल्लो खंय!''

''जायत घडये, सरकारान एक मात बरें केलां, १०८ गाडयेक सायरन दिवन; कितलीय गर्दी आसूं. १०८ गाडयेचो सायरन आयकतकच लोक तांकां बेगीबेगीन वाट दितात. ताका लागून गाडी बेगीन पावता. ती गाडी म्हूण म्हजी चली वाटावली. अशे कितलेशेच प्रसंग आसतले. खेड्या-पाड्यांनी रावतात त्या लोकांक तर हो एक आदारूच कसो. स्वताकडेन गाडी ना म्हूण दुखी जावपाची गरज ना. गाडयेची खरी गरज म्हळ्यार दुयेंत मनशाचे गरजेक पावपाची, ही गरज जर सरकारान पुरी केल्ली आसत जाल्यार सरकारान जण एकल्याक ही गाडी दिल्या म्हणल्यार अतिताय जावची ना. हांव तर त्या सरकाराचे उपकारूच मानतां. खऱ्यानीच, बरें जांव त्या सरकाराचें!

बांदोडेचो बांद

– अमोघ प्र. बुडकुले
महालक्ष्मी बांदोडें,
फोंडे-गोंय.

महालक्ष्मीच्यान रामनाथीं वतलो जाल्यार रस्तो आसा खरो पूण लाँग कट. शॉर्ट कट म्हणल्यार दोन शेतां मदल्यान वाट काडीत दुसऱ्या पोताक हात तेकयल्लो बांद. बांद म्हणल्यार बेश्टोच बांद न्हय तर मदीं वाट आनी दोनूय वटांनी माडांनी गच्च भरिल्लो बांद. दोनूय वटांनी पाचवीचार वाऱ्यार धोलपी शेतां, तांका पळयत उबे रावून आपलेच तंदरेन धोलपी माड आनी धोलत्या माडाक सायकल तेंकोवन माडार चडून सूर काडपी आमचो पाय (रेंदेर). तर असो हो सोबीत सुंदर बांद जो दोन वाड्यांकूच न्हय तर म्हाकाय सैमाकडेन जोडपी आमचो बांदोडेचो बांद.

पाचवी ते धावी मेरेनची शाळा रामनाथीं आशिल्ल्यान ह्याच बांदावयल्यान शाळेंत वचचें पडटालें. बांदार वतलो जाल्यार पयलीं लागतालो तो व्हाळ.ताचेर फकत दोन लायटीचे खांबे घालून तयार केल्लो पूल हुपप म्हणल्यार पांचवेक आसतना जिवार येतालें.

मुखार येतालो तो बांद. तांबडीच माती, पाचवीचार शेतां, माड आनी दोंगरा फाटल्यांतल्यान हळू तकली वयर काडीत भांगराळीं किर्णां फांकवपी तो सूर्य. मळबांतल्यान चार-पांच उडून वचपी धवींफुल्ल बकीं.

माडाचेर पाय आनी रस्त्यावयल्यान वचपी पदेर. बांदाक आनीकूय सोबा हाडपी इतलेंच न्हय तर बांदा मदल्यान वाट काडून आवाज करीत दोनूय शेतांक मेळोवपी उदकाचो झोत. त्या उदकाच्या झोतांतल्यान किणी किणी करीत वचपी गोरवां. आनी मदींच सगळ्यांक हालोवपी थंड वाऱ्याची झुळूक. हें पळोवन अशें दिसतालें की आसूं आज शाळेक वचपाचें. हांगाच बसचें आनी सैम नियाळत रावचें.

पूण शाळेकय वचप गरजेचें. बांदार चलतना माडावयल्यान तोंडार, तकलेर, हातार उदकाचे थेंब पडले कांय दिसतालें सैम एके तरेन आमचें स्वागतूच करता काय कितें! फुडें वतना मदीं मदीं दोन माडा मदीं केल्ले कोळयाचें जाळें आनी ताचेर लकलकपी बारीक दवाचे थेंब. अशें दिसतालें की सैमान आपले भाशेन तयार केल्ले दागिनेच. हें पळयत हांव शाळेंत वतालों. शाळेंत पावून लेगीत बांदाचेंच चित्र म्हज्या दोळ्यार उरतालें. पूण उमेद आसताली कित्याक तर जर घरा वतना हें चित्र परत पळोवपाक मेळटलें.

दनपारच्या कडार शाळा सुट्टकीच इश्टां वांगडा येतालों, पूण बांदार पावतगीर हांव तांका फुडें वचूंक सांगतालों आनी हांव थंयच बसतालों. दनपारच्या कडार माडाचे सावळेंत आनी वाऱ्याच्या सांगातान बसपाक मजाच येताली. माडाच्यो सावळ्यो पळोवन अशें दिसतालें की थोडे माड बांदाचेर आड पडल्या आनी थोडे शेतांत लोळटात काय? पायची (रेंदेराची) दुसरी पावट आसताली. बांदार एकटोच हांव, थंड वातावरण. कसलोच बोवाळ ना, कसलोच आवाज ना. फक्त वारो आनी माडाचो सळसळ. अशें दिसतालें की वारो आनी झाडां-माड कितें तरी उलयतात. सकाळच्या वेळापरस दनपारचें चित्र खूबच वेगळें आसतालें. माथ्यार सूर्य तापतालो तर गोरवां रेब्यांत लोळटालीं पूण शेतां आनी माड मात धोलत आसताले. व्हाळार कोणूय गरयतालो तर कोणतरी माडा मदीं जेवन पासयो मारतालो.

हें सगळें पळयतना वेळाचें भानूच उर नाशिल्लें. हाताक घड्याळूय नासताली, फक्त इतलेंच खबर आसतालें की शाळा एकाक सुटल्या. घराकडेन आज्जेक हुस्को! हांव खंय पावलों काय? तिणें कोणाकूय म्हाका पळोवपाक धाडप आनी ताणें म्हाका आपोवन हाडप. जायते फावटीं आजी लेगीत बांदावयल्यान म्हाका घेवन आयल्या. अशें सदांच घड नाशिल्लें. पूण बऱ्याच फावटी घडटालें.

पांचवी ते धावी मेरेन अशेंच चालू आशिल्लें. तुमकां दिसतलें हांव फट मारतां म्हणून पूण हीं फट न्हय. म्हाका खबर ना त्या बांदार पावतगीर म्हाका कितें जातालें तें! तो मनभुलोवणो सैम म्हाका आपल्याची सोबीतकाय दाखयतालो जावंये!

असो आमचो हो बांद जंय हांवें स वर्सां यो वच केलें, जाणें म्हाका सैमाची सोबीतकाय दाखयली तो अकस्मात आतां पयस जाला. इकरावी-बारावी हांवें मडगांव केली आनी ताच्या उपरांत आतां पणजे कॉलेज करतां. तसो बांदार गेलां पूण पयलीं सारको वेळ मेळना. तो बांद म्हाका अजूनय याद येता. पयलीं शाळेंत चलत वतालों. आतां बशीन वतां. आतां बांदा जाग्यार पणजेचो पाटो जाला जो गाडयांनी आनी लायटीच्या खांब्यांनी भरिल्लो आसता.

– परेश नरेंद्र कामत
६/६, पराग कॉ-ऑप. सोसायटी,
फेझ - २,
शांतीनगर - फोड, ४०३ ४०१
मो. : ९४२२६४०२१०

घाल वेंग उज्याक

काळोख
भरिल्लो आसता जिणेंत
गच्च, भरगच्च
वयरसावन सकयल मेरेन

कितलो
उसपितलो?

उसपून उसपून
काळोख
सोंपना उसपून

इल्ली इल्ली
सोंपता जीण
झरत
मरत

– उजो जाय जिणेंत
घाल वेंग उज्याक
आनी
जिये उज्याचें जिवीत...

कांय ओळी

कांय ओळी मारल्यो ——
कांय वयर
कांय सकयल
सकयल्या ओळींचें जालें उदक
वयल्या ओळींचेर बसलें मळब

आतां
सकयल-वयर अशें कांय ना
उदकांत बुडप
आनी
उदक जावप
मळबांत विरगळप
आनी
मळब जावप

घेता झोपय
मळब आनी उदका मदीं
जिणेचो अवकाश
थोडो भास
थोडो आभास

कांय ओळी मारल्यो ——
कांय वयर
कांय सकयल
कांय ओळी मारल्योच ना
वयरय ना
सकयलूय ना !

कांय होडयो उदकांत

कांय
होडयो उदकांत
काळ्यो किट्ट

कांय
घोडयो जमनीर
धव्यो फुल्ल

होडयेंत बसलां तूं आनी हांव
आनी आमी पळेतात
घोडयांक

आनी
घोडयो पळेतात घोड्यांक
आनी
घोडे येतात हुबयत धुल्ल
चडटात घोडयांचेर

होडयोय हालतात
हालता तूं आनी हालता हांव
आनी हालता उदक कायचे काय!

आवाजाचो कोरनो

हांव हांगां मोन्यांनी बसत
तुंवूंय येवन बसलां म्हज्य
मोन्यांनी

फुकूत कानार पड्टात कां
कावळ्यांचे
घांटीचे
गाडयांचे
मनशांच्या उलोवण्याचे चि
आवाजाचो कोरनो
वाजत आसा कानांत
आनी उलोवण्याक ना कस

हांव उलोवन उलोवन थकल
देखून मोन्यांनी बसलां
आतां तुंवूय उलोवं नाका क
फकत
बस म्हज्या म्हज्यांत मोन्यांनी
उलय, दोळ्यांतल्या दोळ्यांनी

तूं जंय उबें

तूं जंय उबें आसा
थंय हांवूय उबो आस
तुका वेंगून
आनी तूं वेंगून आसा
झाडाक
जें तुज्या वेंगेंत येना
आनी
झाडाच्या वेंगेंत येना
शेंवणी
जांच्या मळब वेंगेंत ये

कवयित्री अंजली आमोणकार हांगेल्यो कविता

- एस्. डी. तेंडुलकार

गद्य हें अणभव व्यक्त करपाचें भाशीक माध्यम. तर त्या अणभवाच्यो अनेक भाशीक शक्यता व्यक्त करपाचें माध्यम म्हळ्यार कविता.

कवी कविता केन्ना बरयता? जेन्ना ताच्या मनांत अणभवाच्यो अनेक भाशीक शक्यता जागता तेन्नाच!

हे फांटभुंयेर 'बिम्ब-काव्योत्सवां'त एप्रिल २०१०च्या अंकांत आयिल्ल्यो कवयित्री अंजली आमोणकार हांच्यो पांच कविता आमी पळोवया.

- पूण ते आदीं कवितेंतल्या अणभवाच्यो भाशीक शक्यता म्हळ्यार कितें हाची थोडी चर्चा करुया. शास्त्रीय व्याख्ये-बिख्येचे भानगडींत न पडटा हांव हांगा त्या संदर्भांत एक दृष्टांतकथा सांगूंक सोदतां. तीच ती पोरणी काणी. एक हत्ती आनी सात कुड्ड्यांची. ते काणयेंत हत्ती केन्नाच पळोवंक नाशिल्ल्या कुड्ड्यांक स्पर्शांतल्यान हत्ती वेगवेगळो जाणवता. कोणाक तो वन्टीसारको, कोणाक तो खांब्यासारको, कोणाक तो सुपासारको, कोणाक तो राजवा सारको. म्हळ्यार संपूर्ण हत्तीचें वर्णन कोणूच सारको करूंक शकना. पूण त्या सातूय कुड्ड्यांच्यो त्यो सातूय प्रतिक्रिया एक करीत जाल्यार मात 'हत्ती'च्या अस्तित्वाकडे आमी मात्शे लागी पावतात. कविता बरयताना कवीची अवस्था त्या कुड्ड्यांसारकीच आसता. म्हणुनूच कवी कविता बरयताना त्या सातूय पध्दतीच्या शक्यतांचो एकदमूच म्हळ्यार टोटॅलीटीन विचार करता. परत त्या साताफुडें आशिल्ल्यो अनेक शक्यता लेगीत तो गृहीत धरता आनी ते दिकेन पावलां मारता. कारण तशें करीत जाल्यारूच तो कवितेंत अणभवाचो हत्ती आकाराक हाडूंक शकता. निदान त्या हत्तीच्या अस्तित्वाच्या लागीं पावूंक शकता. सुटो-सुटो विचार करीत जाल्यार कवीची अवस्था त्या कुड्ड्यांसारकीच उरतली.

कवी कविता बरयताना हे सगले विचार करूंक शकता? तर ताका उत्तर 'ना' हेंच आसतलें. पूण कवीचे तकलेंत, मनांत हे विचार आसल्यारूच तो जेन्युईन कविता बरोवंक शकतलो हें सेर्त!

ते नदरेन कवयित्री अंजली आमोणकार हांच्यो ह्यो कविता वाचून रसिक म्हणून आमकां कितें मेळटा तें पळोवया.

'आवय', 'स्वर्गसूख' आनी 'अजाप' ह्या तांच्या तीन कवितांत 'कथात्म' बिजां आसात. आतां कथात्म कविताय आसूं येता. पूण ह्यो तिनूय कविता वाचल्या उपरांत तातुंतली कथाच तितली जाणवता. कविता खंयच जाणवना.

'आवय' हे कवितेंत आपल्या चल्याक बडोवन परत रातची मायेन ताचेर चादर घालपी आवय आसा. असली आवय हिंदी फिल्मांत तर सर्रास दिसता. तो एक फॉम्युर्लाच जावन पडला. पूण एखाद्याच फिल्मांत तो कलात्मकरीत्या हायलायट केल्लो आसता. देखीक, महेश मांजरेकाराच्या 'सिटी ऑफ गोल्ड' (मराठींत - 'लालबाग परळ') ह्या उत्कृश्ट हिंदी फिल्मांत असलोच शॉट पळोवंक मेळटा. पूण तो शॉट मांजरेकारान अशे पध्दतीन घेतला की दोळ्यांतल्यान घस्स करून उदक देवूंक जाय. कारण त्या प्रसंगात अभिनयाची, कॅमेऱ्याची, कथेची अशी जबरदस्त वीण तयार केल्या की पळयताना तो शॉट मानवी भावनेकूच हात घालता. ही ताकद, ह्या प्रकारचें भाशीक कॉम्बिनेशन कवयित्री आमोणकाराच्या 'आवय' हे कवितेंत दिसना. कारण एक म्हळ्यार तांची भाशीक रचनाच सामकी ढिसाळ आसा. मिळमिळीत आसा. म्हंटगूच तातुंतल्यात आनींक नव्यो भाशीक शक्यता निर्माण जावपाचो प्रश्नूच उरना.

तीच गजाल 'स्वर्गसूख' हे कवितेची. कवितेचो मूड, अणभव पळोवनूच कवितेंत उतरांची निवड, बांदावळ करची पडटा. पूण 'सर्गसूख' हे कवितेंत 'हेड ऑफ द फॅमिली'चो अर्थ सांगताना 'स्वर्गसूख' हें तातूंत आयल्लें उतर सामकें 'अनफीट' दिसता.

तिच्या विशाल रिणांत जगत
स्वर्गसूख मेळयता

ह्यो तांतल्यो वळी त्याखातीरूच एकदम बनावट भासतात. कवितेंतल्या प्रत्येक उतरांक एक 'वजन' आसता हाची जाणविकाय कवयित्रीक व्हडलिशी आसा अशें दिसना.

'अजाप' हे कवितेंत जाण्टेपणातलो नॉस्टालजिया आसा. पूण तातूंत कसलीच उत्कटता वा फिशालकाय ना. मुळांत भाशेंतूच लय ना, जोम ना.

कथात्म कविता बरयतलो जाल्यार कवीक भाशीक शक्यतेची मोटी जाण

आसची पडटा. भाशा कशी आटोवपाची हें खबर आसचें पडटा. गुरूनाथ धुरी सारक्या बेवारशी मरून गेल्ल्या मराठी कवीन कांय सशक्त कथात्म कविता बरयल्यात. ताची हांगा याद जाता. ते नदरेन 'ग्लोरिया', 'समुद्रकविता', 'लालकोवळा काळोख' सारके तांचे 'काव्य झेले' कवयित्री आमोणकारान मात्शे चाळपाक हरकत ना.

'मागणी' हे कवितेंत वेदनेचीं वेगवेगळीं तासां मांडपाचो कवयित्रीन यत्न केला. पूण ताकाय काव्यात्मक आकार आयला अशें दिसना. उलट खंच्योतरी उखलाप्यो गजाली आमी वाचतात असो फिल येता. देखीक,

वेदनेक जाय आसता, पुराय शरणागती
हतबल मुजरो, लाचार साष्टांग नमस्कार
पाड घातिल्ल्या संवसाराचो
मागीर ती अदृश्य जाता
बुडून घेतिल्ल्या दानाचेर, धादोशी जावन ढेकर दीत

हातूंत कवयित्रीन आपली कल्पनाशक्त थोडीभोव वापरल्या पूण ती पुराय वापरूंक ना. उध्वस्ततेचो असलो अणभव दिलीप पुरुषोत्तम चित्रेन मेजक्याच उतरानी कितले ताकदीन सांगला तो पळयात : आठवली अवदसा काय तिचे लावण्य अमानुष्य'.

'यथार्थताय' ही कविताय अशीच. कवितेपरस गद्याक अदीक लागीची. जीण आनी कला ह्यो एकाच नाण्याच्यो दोन बाजू. त्याखातीर केन्ना-केन्ना मनीस कलेंतल्या पात्रांकडे आपसूक समरस जाता. तेंच कित्याक कलेंतलीं पात्रां लेगीत केन्ना-केन्ना भर जिणेंत जितीं जावन उठ्ठात (देखीक, महेश एलकुंचवार हांच्या 'आत्मकथा' ह्या नाटकांतलीं लायब्ररींतल्या पुस्तकांतल्यान भायर सरपी कांय पात्रां.) म्हळ्यार हो सगलो अणभवूच कॉम्प्लेक्स आसता, गुंतागुंतीचो आसता. कला आनी जीण हांच्या मदलो धागो गुंतपाचो यत्न कवयित्री 'यथार्थताद' हे कवितेंत करता. पूण मुळांतूच ताणी मांडिल्ल्या अणभवांत कसलीच कॉम्प्लेक्सिटी नाशिल्ल्यान ही कविताय सपक थरता. त्याखातीरूच -

इत्सा आसूं अगर नासूं
मागीर आमी आमकाच पळयतात
खोल-खोल बुडटाना

- ह्या ताच्या कवितेच्या निमण्या वळींक आशयाचें कसलेंच पाठबळ मेळना. कवितेक जें 'अनेकार्थतेचें परिमाण जाये तें येयना.

विलियम एम्पसन हांचो 'Ambiguity' चो म्हळ्यार अनेकार्थतेचो सिध्दांत आसा. बऱ्या कवितेंतली भाशा ही अनेक अर्थी आसता अशें मत ताणें त्या सिध्दांतात मांडलां, ते बद्दल कोणाचें दुमत जातलें अशें दिसना. पूण कवितेंत अणभवाच्यो नव-नव्यो भाशीक शक्यता फुलयत दवरीत जाल्यारूच हो अनेकार्थ कवितेंत येतलो अशें म्हाका दिसता. मागीर हत्तीचें रुपांतर गणपतींतय जावं येता.

कवयित्री अंजली आमोणकारान ह्यो सगल्यो गजाली समजून घेवपाची गरज आसा. तेन्नाच ती खाशेली जेन्युईन कविता बरोवंक पावतली.

आनीक कसलेच कॉमेंट्स न करता हांव ह्या लेखाचो शेवट बाब अरूण साखरदांडे हांचे एके सादेशे, ल्हानशे कवितेन करूंक सोदतां. कवितेचें नांव आसा : 'पारवो'

तुजे साडयेवेलो
एक रंगीत पाखो
म्हज्या बुशकोटार येवन बसला
तेन्ना सावन दर एकलो विचारता
खंयचो रे हो पाखो?

अपुरबायेन
एक दीस लेगीत
तो बुशकोट घालपाची माणसुकी ना

HLN PRINT & PACKAGING

Speciality Print Packaging for Farma Induatry

DIVISION
OF
H. L. NATHURMAL

MINING - PHARMA -TRADING - FINANCE

301 - 305 RIZVI CHAMBERS,
THIRD FLOOR
CAITANO ALBUQUERQUE ROAD,
PANAJI - GOA.
PH. : 2423218-19

– विन्सी क्वाद्रूस
'स्नोज कृपा', आर्लेम राय,
सालसेत-गोंय
मो. 9822587498

रस्तो

शाळा सुरू जावन अवगेच पंदरा दीस जाल्ले. भुरगीं खुशाल मनान शाळेंत वतालीं. जून म्हयनो सोपपाकडेन पाविल्लो तरी पावसाक अजून नेट येवंक नाशिल्लो. मदीं मदीं वावझडी येवन वताल्यो. वत मोव जाल्लें. हाचे वयल्यान जाणवतालें पावस खंयच्याय खिणाक आपलें रूप घेवंक शकता म्हण. देखून हांवें आदींच मानांय लावन उदक दुरगांत भितर येना जावंक जमीन सारकी करून घेतिल्ली.

सकाळीं च्या पिवन हांव वारांड्यांत आयलों. अकस्मात पावसान काळोख केलो. आता एक बरीच धडक येतली हाची खात्री जाली. मोटरां वचून वचून घाल्ली माती कडेक सरिल्ली आनी ते वटेन उदक दुरगांत भितर सरत म्हण हांवें फावडो घेतलो आनी जमीन सारकी करपाक लागलों. तितल्यांत १०८ गाडी 'कूंय-कूंय' करीत म्हज्या फुडल्यान पासार जाली. 'कोणाक कितें जालें काय?' मनांतलो प्रस्न मनांतच आसतना एक उजो पालोवपाची गाडी गेली 'जेरूल आकांताचो अपघात जाला आसतलो.' म्हणत हांवें परतून फावड्याक हात घालो.

''आरे, मात्सो चल थंय देंवतेर. तीग जण शाळेच्या भुरग्यांक एक टॅम्पोन धपको दिला आनी देवूच जाणां तीं साल्वार जातलीं जाल्यार...'' शेजारच्या रुझारीचीं उतरां आयकून मनाक कच्च जालें. ''तातूंत आमच्या मानुयलाचें चेडूं आसा. हांव तांच्या घराकडेन रेकाद दिवंक वतां.'' म्हजी प्रतिक्रिया पळयनासतना तो मुखार गेलो. बेगीन बेगीन भितर आयलों आनी आंगार कपडे चडोवन म्हजी स्कूटर घेवन हांव घटनास्थळार गेलों.

पळयल्यार खऱ्यानीच एक भिरांकूळ अपघात जाल्लो. एका नेटान देंवतेवयल्यान वचपी टॅम्पोन तीग जण भुरग्यांक उडयल्लीं आनी उपरांत दुसऱ्या ट्रकाक धपको दिल्लो. रस्तो दोनय वटानी बंद जावन गाडयांची लायन लागिल्ली. उजो पालोवपी दळाचे मनीस रस्तो निवळ करपाच्या वावरांत आसले जाल्यार स्थानीक लोकांच्या आदारान त्या तिगांय भुरग्यांक १०८ गाडयेंत घाल्लीं आनी तिणें थंयच वॉल्त मारून ती हॉस्पिसियो हॉस्पीटलांत वचपाक गेली. हांव त्या भुरग्यांक पळोवंक शकलों ना. थंयच उबो आशिल्लो मिंगेल दिश्टी पडलो. ताचेकडेन अपघात कसो जालो ते विशीं चवकशी केली.

''भुरगीं शाळेक वतालीं. घडये पावसान केल्ल्या काळखाक लागून तीं धांवतालीं. अकस्मात ह्या टॅम्पोन तांका धपको दिलो. देवूच जाणां ताचें कितें जातलें तें.'' मिंगेलान थोडे भितर म्हायती दिली.

''चल या मरे तांका हॉस्पीटलांत पळोवन येवंया.'' हांवें आग्रो करतांच तो म्हजे स्कुटरीर बसलो आनी आमी हॉस्पीटलांत वचपाक गेले.

''ह्याच खातीर हांव सदांच बोवाळ मारतालों ह्या रस्त्याचेर आमी कितें तरी करूंक जाय म्हण.'' वतां वतां हांवेंच उलोवपाक सुरवात केली. ''आमी रस्तो रूंद करूंक सरकाराकडेन मागणी केल्ली खरी पूण हे धरतेचेर न्हय. हो रस्तो अशीर आसतना कितले अपघात जाताले. कितले जण मेले लेगीत. हे वटेन दोन-तीन किलोमीटर रस्तो हुपून शाळेक वतात. आमच्या काळार लेगीत आमकां भियेवन भियेवन शाळेक वचचें पडटालें. म्हूण रस्तो रूंद करपाची मागणी मुखार आयिल्ली. आतां कितें काय म्हळ्यार एकदम 'फोर लेन' (चार पदरी) रस्तो जालो. एदो व्हडलो रस्तो केलो तें बरें आसा, चलून वचूंक वाट तरी दवरल्या? शाळेचीं भुरगीं खंयच्यान वतलीं? रस्त्यानच चलून वचचें पडलें ना ताणी? हांगाचो लोक दिसवड्याच्या कामाक वचपी, शेतांत वचपी, खंयच्यान चलून वतलो तो? कितले भुरगे आनी जाणटे अजूनय ह्या वाठारांत सायकल घेवन भोंवतात, ते खंयच्यान सायकली चलयतले? आयताराचो कितलो लोक चलून मिसाक वता, ह्या लोकांचो ताणीं विचार तरी केला?

आतां उटंगाराचो पावस पडटलो, त्या उदकाक तरी वाट दवरल्या? एद्यो अशो खळयो मारल्यात आनी उदक सगळें रस्त्या वयल्यान वता, तेन्ना लोकांन त्या उदकांतल्यान वचपाचें? आमच्या शांत सभावाचो हो सरकार फायदो काडटा. सगळ्यांक त्रास करून सोडल्यात. हे मुखार आमकां चडूच अपघात पळोवंचे पडटले अशें दिसता.'' हांवें तिडक उक्तायली.

''तुमीच न्हय रे ते जे राजकारणांत बदल जाय म्हणटाले ते? त्या बदला भितर होय बदल सोंसून घेयात. खरें म्हणल्यार रस्तो रूंद करूंक धा वर्सां आदीं सरकारान जमीन संपादन केल्ली. लोकांक जावपी त्रास पळोवन ताचेर बरोसो तोडगो काडपाखातीर हो रस्तो करपाचें फाटीं दवरिल्लें. आमच्या नव्या आमदारान ही संदी घेतली आनी बंद दवरिल्ली फायल उक्ती केली. तांका खबर आसा दारा फाटल्यान कितलो म्हेळ घर करून आसा तो. आजचो काळूच बदल्ला. कोणाचें कोणाक पडून गेल्लें ना. जण एकलो आपलेंच चिंता. आमी पळयत रावपाचें.'' मिंगेलान म्हाका चाळोवपाचो यत्न केलो.

''पळयत रावले म्हण प्रस्न सुट्टले? आमी हाचेर आवाज काडचोच पडटलो.''

''आवाज कसलो? कोण असो अपघाताक सांपडटा तेन्नाच आवाज जाता तो. उपरांत सगळे शांत आनी थंड. जण एकलो आपले वाटेन.''

''तशें आमी जावंक दिवंक फावना. हो आमचो गांवगिरो वाठार. आदीं कितलो शांत आसलो. फाटल्या तीन-चार वर्सां थावन सगळोच बोवाळटो गांव जाला. कोणाचीं घरां जाल्यार कोणाचीं दुरगां मोडलीं. रस्त्याचें काम सोंपन सोंपना. रस्त्याचें काम जायनासतना डिवायडर घाले. कितले अपघात? रस्त्याचें मुळावें काम सोपचें आदींच रिपेअर (repair) काम करपाक टेंडर. रिपेअर अर्दकुटें आसतनाच हॉटमीक्स घालपाचो टेंडर. कितलो बोवाळ आमी सोंसलो? वचत थंय कमिशन आनी भ्रश्टाचार. चोरूंक उटल्यात मरे हे सगळे? मुद्दाम एका खासगी कॉन्ट्रॅक्टराक विचारलें ''परवडटा रे हो रस्तो करपाक इतलें कमिशन दिवन? कोण म्हणटा १० टक्के कोण म्हणटा १५ टक्के.'' तो हांसलो आनी ओगीच गेलो.

व्हडलीं व्हडलीं मोटरां, ट्रक वतात हे वटेन. रातची न्हीद पडना. मात्सो वेळ फोनाचेर सुशेगाद उलोवंक मेळना. एक एक फावट घरांतल्या घरांत कितें उलयतात तें आयकूंक येना. इतलो भितर सरला हो रस्तो आमच्या घरांनी. पर्यावरणाची वाट लावन उडयल्या. झाडांची नाशाडी केल्या. देखून फाटल्या आब्रीलांत सोसूंक जायना इतली गर्मी वाडिल्ली. कांय वर्सां फाटीं आमी मॅगा प्रकल्पांक लागून गोंय कॉंक्रीटाचें गोंय जावपाक लागलां म्हण बोवाळ मारताले, आतां तें व्हडल्या व्हडल्या रस्त्यांचें गोंय जावपाक लागलां. कोणाखातीर हे सगळे रस्ते? फक्त पर्यटन आनी धंदेकारांखातीर? आमचें आसा तें होगडावन भायल्यांक वापरूंक करतात हे रस्ते? पयर एक दीस दाबाळ गेल्लों. थंय वचपाचो रस्तो सामको इबाडला. तो रस्तो करात मरे सारको. थंय कोणाक रस ना. कित्याक तो ल्हान रस्तो, ल्हान कमिशन. भायले लोक हांगा येवन मिरयतात. ते गाडयो घेवन येतना जिवाचेर कसली भिरांत येता जाणा? त्यो व्हडल्यो बशी आनीक....''

''तूं सांगता तें सगळे खरें, पूण आतां कितें करूंक जाता आमच्यान. रस्तो जालो न्ही?''

''आतां हांगा आमच्यान कांयच करूंक जायना पूण आनीकय जायते रस्ते जावपाचे वाटेर आसात. हाचे परसूय व्हडल्या रस्त्यांची आखणी चालू आसा. बिगर गोंयकारांक यो-वच करपाखातीर जावपी रस्त्यांक विरोध जावंकच जाय. ना जाल्यार लोकांचो सारको विचार करून रस्त्यांची आखणी जावंक जाय. चल आमी हॉस्पीटलाकडेन पावले. पूण हो विशय सोपोवचो न्हय. उपरांत ताचेर परतून चर्चा करूंया आनी मुखार येवपी संकश्टाक तोंड दिवंक हेरांक आदार करूंक जाता जाल्यार पळोवंया!''

हॉस्पीटलाकडेन आमचे आदींच बरीच गर्दी आसली. सगळे त्याच भुरग्यांचे खबरेक आयिल्ले.

''साल्वार कर रे देवा ह्या भुरग्यांक.'' हांवें मनांतल्या मनांत प्रार्थना केली आनी बऱ्या समाचाराची वाट पळयत रावलों. तांकां चिकित्सेखातीर व्हेल्ले.

When in Mumbai

॥ हायवे गोमंतक ॥
कोंकण्याची खानावळ

महिला गृहउद्योग ४४२४ गांधी नगर
मराठा स्टोअर्सच्या मागे
पश्चिम महामार्गा समोर, वांद्रे (पूर्व) मुंबई ४०० ०५१
दूरध्वनी : २६४०९६९२ / २६४५३१२०

Authentic Goan Food at it's Best

Prop : R. P. Potnis
(गुरुवारी बंद)

ज्ञानपीठकार रवीन्द्र केळेकार हांच्या 'तॉलस्तॉय' आनी दिलीप बोरकार हांच्या 'श्रेयार्थी' ह्या पुस्तकांचें विमोचन करतना मुखेलमंत्री दिगंबर कामत. वांगडा रवीन्द्र केळेकार, किरण बुडकुले, माधव कामत, पुंडलीक नायक, दिलीप बोरकार आनी मुकेश थळी.

डॉ. अर्चना गांवकार हांच्या ११० वखदी वनस्पती ह्या पुस्तकाचें प्रकाशन करतना पुंडलीक नायक, डॉ. कस्तुरी देसाय, संदेश प्रभुदेसाय, डॉ. अनुरा बाळे आनी हनुमंत चोपडेकार.

बिम्ब बाल मेळाव्याक हाजीर आशिल्ले मानेस्त सुफला गायतोंडे, डॉ. रविंद्र नाडकर्णी, अवधूत काकोडकार, भानुदास देसाय, दिलीप बोरकार, अमृत नायक, संजय देसाय, विनोद नायक

सांवड्ड्यां जालो बाल आनंद मेळावो

'बिम्ब' म्हयन्याळें - पणजी आनी नॅशनल युथ प्रॉजॅक्ट कुडचडें हांच्या जोडपावलान घडोवन हाडिल्लो एका दिसाचो बाल आनंद मेळावो ११ एप्रिल २०१० ह्या दिसा श्री सिध्दारूडस्वामी मठ वाठारांत मिराबाग सांवड्डें हांगा व्हडा उमेदीन जालो.

अवर लेडी ऑफ द पुअर हायस्कूल - तिळामळ, सरकारी हायस्कूल - शेल्डें, न्यू एज्युकेशनल इन्स्टिट्युट-कुडचडें, शारदा हायस्कूल कुडचडें तशेंच हेर मुळाव्या शाळांतल्या सुमार १०० भुरग्यांनी तशें तांच्या सांगाताक तिशेक पालकांनीं मेळाव्यांत वाटो घेतलो.

भलायकी खात्याचे अधिकारी आनी नामनेचे दोतोर रविंद्र नाडकर्णी ह्या वेळार मुखेल सोयरे म्हूण हाजीर आशिल्ले. तशेंच न्यू एज्युकेशनाचे वेवस्थापक अवधूत काकोडकारान कार्यावळीची यजमानकी चलयली. कुडचडें पुलीस स्टेशनाचे मुखेली भानुदास देसाय खास सोयरे म्हूण हाजीर आसले. 'बिम्ब' म्हयन्याळ्याचे संपादक दिलीप बोरकार, भुरग्यांच्या विभागाची मुखेली सुफला रूद्राजी गायतोंडे, नॅशनल युथ प्रॉजेक्टाचे अध्यक्ष अमृत नायक, भांडारी संजय देसाय, सचीव विनोद नायक आनी हेर मानेस्त माचयेर हाजीर आसले.

दिसभराचे कार्यावळींत राजेंद्रकुमार राणे, संदीप गांवकार हांणी भुरग्यांक साबार पदां शिकयलीं. नारायण चितारी आनी पंकज नायक हांणी साबार तरेचीं चित्रां आनी तांकां रंग कसो मारप हाचेर मार्गदर्शन केलें. एकनाथ नायकान गणिताचें सत्र घेतलें. तातूंत कोणाचो जल्मदीस, कोणाक कितल्यो भाव भयणी, खंयच्या दिसा-खंयच्या वर्सा कितली तारीख अशीं मनरिजवणेचीं



गणितां भुरग्यांक खुबूच मानवली. मदीं मयुरेश नायकान हांसयाळीं ही कार्यावळ सादर केली. दिलीप बोरकारानूय भुरग्यांक काणयो सांगून तशेंच बरोवप कित्याक गरजेचें हाचेर नकसूद उतरांनी मार्गदर्शन करून भुरग्यांची उमेद वाडयली.

साईश नायक (बांसरी), सलोनी सावंत देसाय (बडबडगितां), रूची राणे (प्रार्थना गीत), तेजस रिवणकार (आपउलोवप) हांणी मनरिजवणेची कार्यावळ सादर केली.

पारंपारीक दिवली पेटोवन मेळाव्याची सुरवात जाली. हालींच अपघातांत मरण आयिल्ले तळमळीचे समाज वावुरपी आनी नॅशनल युथ प्रॉजेक्टाचे वांगडी सतीश रिवणकाराक हे कार्यावळींत आर्गां ओंपलीं.



अमृत नायकान सगळ्यांक येवकार दिलो. दिलीप नायकान मानेस्तांची वळख करून दिली. पुराय कार्यावळीचें सुत्रसंचालन एन सुहासान केलें. सचीव विनोद नायकान उपकार मानले.

हो मेळावो येसस्वी करपा खातीर अनिता नायक, श्रीमती रिवणकार, सत्येन देसाय, संजय सावंत देसाय, रामदास नायक, प्रतिक नाडकर्णी, सावन साठे आनी मठाच्या वावुरप्यांनी कश्ट घेतले.



Our Foundation for your Business

- Shops
- Commercial Premises
- Offices
- 2 Bedroom spacious Apartments
- Entire basement for Parking

RAJDEEP GALLERIA

PONDA, GOA.

CONTACT

RAJ GROUP

Raj Housing Development Pvt. Ltd.

S1- Pai house, above The Goa Urban Co.op. Bank,
Sadar, Ponda, Goa - 403 401. Ph: 0832- 2312072 / 2314647
website: www.rajhousinggoa.com email: info@rajhousinggoa.com

पारखी

पयर एका पारख्यान
वाटेर म्हाका आडायलो
सोडिना फाटीक लागलो,
तुजें भविश्य सांगतां -
फलजोतिश, लग्नकुंडली
मोगा भानगड, राशी भविश्य
राजयोग, धनधान्य संतती योग
घर-दार, बंगलो-गाडी-घोडो
त्या त्या प्रमाण दक्षणा
पांच रुपया ते हजार
ताचेर फकत एक एक शून्य वाडोवपाचें
अमके अमके राशीक शनी आसा
तुजे राशीक आसा साडेसाती
साडेसात वर्सां तो पिडटा
नाका पुरो करता
येवजिल्लें काम जायना
जुळिल्ल्यो सोयरिगती मोडटा
बशिल्लेकडेन बगलाटां येतात
चोरयेचे आळ येता
नोकरी वता धंदो बुडटा
वेसनानी लोळटा
दुयेंत पडटा, केन्ना केन्ना खंवसता
ते खातीर उपाय - दान धर्म
देव कार्यां, गंगेंत वचून पाप धुंवप
तसो शनी वायट करिना
वतां वतां बरेंच करता
आयिल्ल्या अरिश्टाक कशें धांवडायता
ताची परिक्षा घेता
साडेसाती कश्ट करून जगपाक शिकयता
हांव तिर्थयात्रेक वतलों
तुजे वतीन हांव
साडेसातीचेर उदक सोडटां
तूं फकत दक्षणा दी
बरें आसा, हांवें सांगलें
म्हजो साडेसाती गेलो
म्हज्या रुपान तुका लागलो
तुवें पारखिल्लें म्हजें भविश्य
कश्ट करी नासतना
हांवें फुकट आयकलें

- अशोक भोंसले
भाटलें, पणजे- गोंय
फोन : ९४२२४४४२११

मळब

मळब तुजेखातीर
एक झाड
चंद्रीम नखेत्रां झडोवपी
म्हज्या आंगार लिकलिकावपी

मळब म्हजे खातीर
एक कविता
मळबांत लिपिल्ली
मळबाच्याच अंतरंगाची

- हर्षा शेटये
कृष्णप्रेम, अंबाजी
फातोड्डे-गोंय-४०३६०२
फोन - ९८५०५३०१५२

शेतकामती

सासणाच्या शेतकामत्या सोंपय तुजें काम
पेंगटा वयल्या वाल्यान पूस तुजो घाम

व्हाळ सुकल्यात तळीं रखरखतात
गरमी वाडल्या पावसाची चिंता सतयता

मळब जालें काळें गोरवां आयलीं आल्तडीं
कश्टाचो घाम रे तुज्या वयचो ना पयले तडी

बसल्या जेवंक वडा तळा तुजी रे घरकान्न
उदकान भागता तान तुजी नाका रे सोरो पान

शेतकाराचो पूत तूं जियेता सैमा आशिर्वादान
नाका तुका मेजां कदेलां काम भागता हातरान

तुजे वांगडी राज्य करतात रशिया आनी चायना
तांबड्या बावट्याविणे जिणें सफळ जायना

- व्यंकटेश शिरोडकार
काणका, बार्देश - गोंय

तो

कितलें बरें आसता
जेन्ना तो फकत
इश्ट आसता

ताका मेळोवपाची धडपड नासता
कारण तो,
सदांच
तुमचोच आसता

- अन्वेषा सिंगबाळ
फोंडें - गोंय
फोन : ९४२२४४४२११

बायल मनीस

इश्टिणी, म्हजे मैत्रिणी
तूं जांव हांव
आमी एकाच कुळांतलीं
एकेच माळेचीं मणी
एकाच फास्केंतलीं आमी
कारण आमच्या गळ्यांतल्यो सरपोळ्यो
कांय दिसपी, कांय दिसनाशिल्ल्यो
कांय भांगराच्यो, कांय लोखणाच्यो
पूण सरपोळ्योच त्यो
एके तरेचें बंधनच न्हय!
तोंडानी मात मारप आमी
स्वतंत्रतायेच्यो फोकी!
सगळ्यांल्या आंगावेले वळ
दिसतलेच अशें ना
तरी जणएकलेक
जांच आनी कांच
आसताच न्ही?
जितेपणी दिसपट्टे
मरणाचे सुवाळे भोगपी
आमी बायलो
काळजांतले घाय
भळभळायत रगत
व्हांवोवपी आनी
आंगावेले घावे
तशेच लिपोवन
तोंडार हांशें फुलोवन
वावुरपी आमी सगळीं
खरेंतर निजाचो कलाकारच!
त्या हांश्याफाटलें दुखव
भोगतात तूं आनी हांवय
ताचें मर्म सोदची गरज मात
कोणाकच्च ना
आनी वेळ तर कोणाकडेन
नाच्च ना
कारण राज्य राणयेचें
नातें सांगलें तरी
गुलामाक येदें व्हडपण
कोण दीत?
हां, आतां स्त्री-स्वातंत्र्याचें
गुणगाण करपी
आमच्या मदलीं कांय जाण
आसतलींय स्वतंत्र!
घरच्यांचो तेंको आसत तांकां
वा तांचें घरच्यांकडलें
नातेंय सोंपिल्लें आसत
ह्या समाजाच्या घराब्यांत
तिगून रावन
स्वातंत्रतायेन आपली
अस्मिताय जपप
कोणाक शक्य जालां?
पयलीं जांव आतां
आमी अशींच उरपाचीं
गुलामीचे अदृश्य ठशे
कपलार कोंरांतून!
आमची खरी जात मात एकच
बायलमनशेची !
म्हणून म्हणटां
कितली फुडें, कितली फाटीं
आमची अस्तुरी
तें तुजें तूंच थाराय
तरी लेगीत सांगतां
तूं जांव हांव
एका कुळांतलीं
बाये आमी एकाच कुळांतलीं

– जयमाला दणायत
३०, मांगल्य,
अवधूत को. ऑ. सोसायटी,
डोंबीवली (पूर्व) ४२१ २०२

गोजडेंतली न्हीद

आजेल्या गोजडेंतली न्हीद
म्हजी शेणल्या
मध्यान रातीक अनवळखी
स्पर्शाचे शुभत्कार घडये
केन्ना केन्ना घडल्या

आजेल्या गोजडेंतली न्हीद
म्हजी शेणल्या
रखरखत्या वता भशेन
जीण म्हजी चिखलांतल्या
साळकावरी तट्टटून फुल्ल्या

आजेल्या गोजडेंतली न्हीद
म्हजी शेणल्या
कोणे तरी अमृतगंध
शब्दानी अर्तस्करणाची तानभूक
भरतेभारार न्हिवयल्या

आजेल्या गोजडेंतली न्हीद
म्हजी शेणल्या
विचित्र घडिल्ल्या दर
रातीक फातोडेर फकत
कावळ्यानूच जाग हाडल्या

आजेल्या गोजडेंतली न्हीद
म्हजी भावविश्वानी शेणल्या
सांग गे सांग आज्ये
तुजे गोजडेंतली अर्दकुटी
न्हीद म्हजी खंय गे शेणल्या?

– श्रीनिशा ए. नायक
बेतकी-खांडोळा



थेंब दवाचें...

जें सांगपाचें आशिल्लें
तें शकलों ना सांगूंक
वीख हलाहल खर
जालें काळजाचें दूक
गेलीं उडून सपनां
जसो घडलो कापूर
हो पावसाचो सांवार
घेवन आयलो पूर
सपन निळ्या मळबाचें
म्हजे कोठये कुडीक
भरकटिल्लें हें होडें
कशें वतलें तडीक
खिणाखिणांनी वाडटा
काळ्या काळखाची धार
आतां केन्ना उगडटलें
तें उजवाडाचें दार
सगळीं आटलीं दुकां
गीत तशेंच गायलें
थेंब दवाचे साथीक
कळवळून आयले!

– उदय नाईक
नगर्से, काणकोण-गोंय.



एक विशाल रूख

एक विशाल खांदयाचो
कितलींशींच वर्सां मळबाक भिडिल्लो रूख
जेन्ना धर्तरर कोंसळटा
तेन्ना सगळ्यांचेंच आंगपांग गळसणटा

सुकण्या सावदांक खेळपाक मेळटालें
उकत्या मळार
चरवाक गेल्ल्या गोरवांक
रुखा पोंदच्या सावळेंत बसून
विसव घेवंक मेळटालें

वाटसुऱ्या मनशाक रूखा पोंदाक
सावळेंत आड पडूंक मेळटालें
तें खिणांत आयज
नानपयत जालें

हें सैमीक मोड
ताका अनंत वेदनानी
तडफडच्या बदला
कोणच कांयच करूंक शकनांत

– अशोक शीलकार
शीला, सावयवेरे.

बुडटलो सूर्य

दर्यांत तूं बुडटना
तांबडोच जालो
भोंवतणचो वाठार
हारशावरी नितळ उदकांत
तूं अचळय भितर गेलो
हांव
हांव तुका पळेत उरलें
रंगान रंग पिवन घेतलो
आस भागली ना
काळखान म्हाका भानार हाडलें
रागान पावलां आपटीत
घरचे दिकेन चलूंक लागलें
जीण शेणिल्ल्यावरी
उतरां चोरिल्ल्यावरी
कितें कांयच समजना जालें
पावलां घुंवलीं दर्यावाटेन
स्वताक उदकान झोकून दिलें
सोदीक
शेणिल्ल्या सूर्याच्या
परत केन्नाच न येवपाक

– निता य. म्हांबरे
पैरा – गोवा.

जादूगार

गांवांत आयला जादूगार
प्रयोग करता तरेकवार
हातांतलीं इस्पिकां नाच्च करता
पळेल्लें पान काडून दिता
हातांतलो बॉल वयर उडयता
परतून तो हातांत येता
बोल्सांतले पयशे नाच्च करता
मागीर परत दिता
खावंक मागता तें खावंक दिता
तांबडीं फुलां धवीं करता
कुत्रे, मांजर दब्यांत घालता
उक्तें केल्यार नाच जाता
परतून पळेल्यार थंयच आसता
तरातरांचे खेळ करता
करामती करून दाखयता
नजर बंदीचो खेळ करता
पळयतल्यांक अजाप जाता
दोळे धापून गाडी चलयता
मदीं थारून हार घेता
असो हो जादूगार
करून दाखयता चमत्कार

– सदानंद तेंडुलकार

(सदानंद तेंडुलकार महा आमचे मदी नाव पूण नाकी धाडिल्लें सारिच्य आमचे कडेन आसा तें आमी अदी मदीं छापतात.)

नखेत्रां झेलो

चोरांवरी ल्हव ल्हव
देवत्या काळखांत
शिंपडलीं तरी कोणें फुलां
सोबीत पांटल्या मळबांत

काळ्या काळ्या
लांब रूंद साडयेक
भिजयली तरी कोणे चिप्प
चमक्यां चमक्यां भिऱ्यांत

उकत्या उकत्या मळबांत
ओतलो तरी कोणें हो
मोतयां माणकान उप्पाट
भरिल्लो बुडकुलो काळखांत

काळ्या किट्ट आंगणांत
घाले तरी कोणे
सोबीत रांगोळी टिंब टिंब
खंयच्या तरी सणांक

दिपकवत्या नखेत्रांनी
गुंथिल्लो झेलो
दिलो तरी कोणें
रातीक माळूंक केसांत

– संतोषी कोले
मदलें भाट,
शिवोले-बार्देस, गोंय
मो. : ८८०५९३०७०१

भुरगेपण

म्हज्या नातवाच्या दोळ्यांत
म्हाका म्हजें भुरगेपण दिसलें
आनी जाण्टेपण विसरून
तेंच पुराय सपन रंगलें

शाळा अद्‌र्यार सोडून
मदींच इश्टांवांगडा घरा येवप
रस्त्यार क्रिकेट खेळटना
शेजान्नीच्या घराचो हारसो फुटप

पावस पडल्यार
जोराचें निमीत्त करून घरा
सुटयेंत दोंगरार वचून
काजू, काण्णां, चुन्नां, चारां

आवय बापायक फटोवन
रेडियोचेर क्रिकेट आयकप
सगळें सगळें करून
शिकपाचेर चड भर दिवप

– डॉ. भिकाजी घाणेकार
पणजी – गोंय.



सो पू त

सपना आनी श्रुती दोगांय एकाच स्कुलांत शिकतालीं. दोगांय दाट इश्टीणी. सपना समजूतदार आशिल्लें. शिकपाकूय हुशार. श्रुती मात शिकपाक तितकेशें हुशार नाशिल्लें. घरांतलीं फोर्स करतात म्हूण स्कुलांत वतालें. दोगांयचीं घरां लागीं लागींच आशिल्ल्यान एकमेकागेर यो-वच चड जातालें. सपना मात क्लासींत शिकयता तें लक्ष दिवन आयकतालें. जें टिचरांनी सांगलां तें नेमान करतालें. हाचें उरफाटें श्रुती आशिल्लें. ताचें केन्नाच क्लासींत लक्ष आसनासलें. जायते फावट सपनाच ताचो अभ्यास बरोवन दितालें.

एक दीस कितें जालें, सपना सरान दिल्लो होमवर्क बरोवंक विसरलें. क्लासींत वतकच ताका आपणें होमवर्क करूना म्हणपाची याद आयली. कितें करतलें! खरें म्हळ्यार सपनां पयलेच फावट विसरिल्लें. श्रुतीक विचारून कांयच फायदो नाशिल्लो हें ताका खबर आशिल्ली. तरी आसतना सपनान श्रुतीक विचारलें, ''श्रुती तुवें सरान दिल्लो सायन्साचो होमवर्क केला गो?''

''ना गो...''

''कित्याक विचारता तूं?''

''हांवें होमवर्क करूंक ना. आतां सराक कितें सांगूं? काल आयतार आशिल्लो आनी हांव कशें विसरलें तें हांवच नकळों.''

''आगो विसरलें मगो, मागीर तातूंत व्हडलेंशें कितें? सरान होमवर्क कित्याक करूंक ना म्हण विचारलें जाल्यार मार मुगो एक फट. हांव कितलेशेच फावट फट मारतां. तुकां एक फट मारपाक कितें जालां?''

''आवयस, ना गो बाये. मार पडल्यार जाता पूण हांव फट मारचें ना.''

''तशें जाल्यार खा मार.''

इतल्यान सायन्साचो सर आयलो, तांणी सदचेप्रमाण सगळ्यांक विचारलें. काल दिल्लो होमवर्क सगळ्यांनी केला? कोणें करूंक ना तीं उबीं रावात.

ते बरोबर सपना आनी श्रुती दोगांय उबीं रावलीं. ते दिसा सगळ्यांनी होमवर्क केल्लो. सदांच चार-पांच भुरगीं उबीं आसतालीं आयज मात हीं दोगांच उबीं आशिल्लीं. सपना मात केन्नाच उबें रावनाशिल्लें. सदांच तें दिल्लो अभ्यास करतालें. पूण आयज ताका उबें रावचें पडलें म्हूण सामकी लज जाल्ली. सकल मान घालून तें उबें राविल्लें. सराच्या तोंडाक पळोवपाक ताका भंय दिसतालो. श्रुतीक मात मात्तूय लज दिसनाशिल्ली. वेल्यान उबें रावन सगळ्यांक तुकुतुकू करून पळयतालें.

''काल सुटी आशिल्ली तरी आसतना तुमी होमवर्क कित्याक केलो ना?'' सरान दोगांकूय विचारलें.

''सपना कितें गो, तुकांय श्रुतीचें वारें लागलें.'' सरान अशें म्हणटकच सपनान रडत रडत सराक सांगलें, ''सर हांव होमवर्क करपाक विसरलें. स्कुलांत पावतकच म्हाका याद आयली.'' तशें सांगतकूच सरान सपनाच्या हाताचेर दोन पट्ट्यो मारल्यो आनी दुसरे फावट केन्नाच विसरपाक जायना, अशें सांगून ताका बस म्हणलें.

''श्रुती तुजें कितें जालें? होमवर्क कित्याक करूंक ना?'' खरें म्हणल्यार श्रुतीक मार पडटलो म्हूण सपनाच ताका जायते फावट होमवर्क करून दितालें. हें आनी सराक कितें सांगतलें अशें सपनाकूय दिसलें. पूण श्रुतीन सराक कितें सांगचें ''सर म्हजी आवय चड बरी नाशिल्ली. घरांतूय कोणूच नाशिल्लीं, देखून आवयक घेवन

हांव हॉस्पिटलांत गेलें. दिसभर म्हाका हॉस्पिटलांत रावचें पडलें. ताका लागून म्हाका होमवर्क करूंक मेळ्ळो ना.'' अशें सांगतकूच सराकूय ताची काकुळट दिसली. आवय बरी ना म्हूण तुवें तिका डॉक्टराकडेन व्हेली हें तुवें खूब बरें केलें, अशें सरान ताका सांगलें आनी अपुरबायेन ताच्या आवयची खबर घेतली. आवय बरी जातकच हो सगळो होमवर्क कर. अशें सांगून ताका बस म्हणलें.

श्रुतीन फट मारल्या ती आयकून सपनाक मात ताचो खूब राग आयिल्लो. आवय बरी आसतना तिका बरी ना म्हणप!

सर वतकच श्रुतीन म्हणलें, ''जाणा मगो सपना तुवें खरें उलयिल्लें मुगो, आतां कितें जालें मार खाल्लो मगो? हांवें सांगिल्लें तुका कितेंय फट सांग म्हण.''

''आगो हांवें तुकां पयलेंच सांगलां मार पडल्यार जाता, पूण फट उलोवंचें ना. तुजी आवय बरी आसतना तुवें सराक बरी ना कित्याक म्हणलें? सामकें मगो तूं, आवय मगो तुजी ती. आवय म्हजी सदांच म्हणटा, एक फट उलयल्यार ती लिपोवपाक शंबर फटी मारच्यो पडटात. फट केन्नाच पचना. जेन्ना हें सराक कळटलें तेन्ना तुकां सगळ्यांक तोंड दाखोवपाक लज जातली.''

श्रुती मात आपली फट पचता ती पळोवन दिसान दीस अभ्यास करपाचें सोडून फट कितें उलोवंचें तेंच चिंततालें. निमणें धावेक नापास जालें आनी सपना गोंयांत पयलें आयलें. सपनाची सगळीं तोखणाय करतात तें पळोवन श्रुतीक खूब दूख जालें. एक सारकें रडपाक लागलें. स्कुलांतल्यो सगळ्यो टिचरी श्रुतीक समजायताल्यो.

श्रुती रडूं नाका. तुजी आवय बरी नाशिल्ल्यान तुका सारको अभ्यास करपाक मेळूंक ना हें आमकां खबर आसा. सगळ्या टिचरांचीं हीं उतरां आयकून श्रुतीचे आवयक धक्कोच



बसलो. आपूण काऽय बरी धड-धाकट आसां, ह्या श्रुतीक हांवें केन्नाच कसलें काम करपाक दिलें ना आनी श्रुतीक सगळ्यो टिचरी समजतात की म्हाका लागून श्रुती नापास जालां. खरें कितें तें कळपाखातीर श्रुतीची आवय टिचरीक मेळ्ळी. तेन्ना श्रुतीन केल्लीं सगळीं फटींगपणा भायर पडलीं. मागीर ताका खरें कितें तें सांगचेंच पडलें,आनी ताणें तें सांगलेंय बी. हें आयकून सगळ्या टिचरांक श्रुतीचो राग आयलो आनी खूब वायट दिसलें. तेदेवेळार एका सरान श्रुतीचे आवयक सांगलें, ''एक दीस सपनान दिल्लो अभ्यास करूंक ना म्हण हांवें ताका पट्टी मारिल्ली. पूण तेदेवेळार आपूण अभ्यास करपाक विसरलें म्हण सपनान मात म्हाका खरें सांगिल्लें. दुसरे फावट विसरपाक जायना म्हण हांवें ताका मारिल्लें. तेन्नाच्यान मात सपना नेटान अभ्यास करपाक लागलें. तेदेवेळार श्रुतीन आपली आवय बरी ना म्हण फट मारून आपलो मार चुकयिल्लो. पूण आमकां मात श्रुती फट उलयता म्हूण मात्तूय कळूंक ना. तें अशें करून सदांच फट उलयतालें हें आमकां आतां कळ्ळें. तेदेवेळार श्रुती खरें उलयिल्लें आनी मारूय खाल्लेलो जाल्यार आज श्रुतीय पास जातलें आशिल्लें.

श्रुतीक आपली चूक कळ्ळी. आपूण केन्नाच फट उलोवचें ना म्हणपाचो ताणें सगळ्या सरांच्या मुखार सोपूत घेतलो.

– कुमूद भिकू नायक
खांर्ली,
तिसवाडी – गोंय

डी ची करामत

एक आसलो ससुलो गडी
तो टुण् करून मारतालो उडी

पूण केन्ना केन्ना तो आपली धोपरां फोडी
तो एकदीस गेलो सावंतवाडी

थंय भोंवतां भोंवतां ताणें
पळयली तांबड्या रंगाची साडी
आनी ताणें आपल्याक घेतली
लाकडाची गाडी

भूक लागल्या म्हूण तो
सोदूंक गेलो शीतकडी
ती मेळ्ळिना म्हूण ताणें
खाल्ली दुकानांतली भाकरवडी

तीख लागली देखून ताच्यो पडल्यो रडी
घरां पावतासर जीव लांब जाल्ल्यान
ताका आयल्यो वडी

आपल्याक विचारीनासतना गेला वाडी
म्हणून ताचे आवयन मारली
फाटीर चम्म करून बडी

– अथर्व सुदत्त शेणवी मांद्रेकार
घर नं. २, भितल्ली पेठ,
दिवचल – गोंय ४०३ ५०४
फोन : २३६२५६३

बाबुल्याली न्हीद

पप्पा, पप्पा, पप्पा
जाय वेंगेंत मम्मा
मागीलच हांव न्हिदतलों
आयतून तुदीं कातलां
तुदीं कातलां गोल गोल
मम्माक मेल्ला आल्फेद लोज
म्हाता सामती न्हीद येता
उलो मालता 'लिता रोज'
बाबुलो तो शाबुलो
फाल्यां तुतां पीपी हाडतलो
दी म्हाका एकूच पापी
धाडटां तुजे मम्माक बेगी
नाता अपुलबाय कलूंक म्हजी
काल म्हजेल मालिल्ली बदी
इपलय ती दुतता म्हाता
म्हजेकलेन उलोंव नाता
पप्पा पप्पा पप्पा
दाय वेंगात मम्मा
मादीलच हांव न्हिदतलों
आयतून तुजीं कातलां

– रोमा रा. लाड
कारायमड्डी,
सावर्डे – गोंय.

चोरप, एक पातक

एक मामा घराच्या माळ्यार
पिलांक घेवन आंगार
मस्त आळसेता, मामीक तोखेता
धंद्यार वतली केन्ना?
धाकटें विचारता
काळोख जातलो तेन्ना
व्हडलें सांगता
अभ्यास सोपोवन, दिवे पालोवन
भुरगीं न्हिदतात
चोरूंक बेसबरी संद मेळटा
मामीची उडकी रांदचेकुडी दारान
शिटूक मनीमावशी धरता दांतान
मामाची उडी, गुदावांत भातार
थेट व्हळव्हळत्या दिवडाच्या तोंडार
आईबाबा खंय गेलीं पिलां चिंवचिंवतात
चोरूंक ती गेलीं पातकी ठरलीं
चोरप हें एक पातक
उंदरापिलांनो मतींत दवरात

– गंधा घार्से
आगशी – गोंय

चानी

सोबीत चानी रानाची राणी
झाडार ती रावताली
ताळयो ताळयो भोंवताली
आंबे पणस खाताली
मनशां सुलूस लागना फुडें
नदरे आड जाताली
सोबीत चानी रानाची राणी
खिणाक झाडार खिणाक माडार
खिणाक घरार भोंवताली
सोबीत दोळे शिटूक कान
मखमली तिचें आंग
दिसता म्हाका धरन तिका
करूंक तिची अपुरबाय
दिसता म्हाका खेळयन तिका
म्हज्या वांगडा आपा-लिपा
केन्नाय तरी म्हज्या वांगडा
खेळूंक ती येत काय?

- सारिका भेंब्रे
जांबावली-केपे, गोंय

पांजऱ्यांतल्या सवण्याची काणी

"आरे राव रे म्हजेकडेन उलय रे." अशीं उतरां म्हज्या कानार पडलीं. हांवें हेवटेन तेवटेन पळयलें. पळयल्यार कोणूच ना. छे! भास जालो दिसता. "आरे हांवच! हे बंदखणींत आशिल्लें शेवणें तुजेलागीं उलोवंक सोदतां." हांवें फाटल्यान वळून पळयलें जाल्यार खऱ्यानीच पांजऱ्यांतलें सवणें म्हजेलागीं उलयतालें. "हांव हांगा एकटें पडटां. म्हजो जल्म एका आंब्याच्या झाडार जाल्लो...." अशे तरेन तें आपली काणी सांगूंक लागलें.

"चार वर्सां जालीं म्हाका ह्या पांजऱ्यांत घालून दवरल्यार. तुमकां मनशांक कितें दिसता, भांगराच्या पांजऱ्यांत दवरून जाय तें जेवण-खाण दिलें म्हूण सूख मेळटा? जर तुमकां एका म्हालांत बंद दवरून जाय तें खावपाक दिल्यार तुमी सुखी उरतले? ना. मुक्ती मेळपाक जाय अशें दिसता न्हय?

म्हजी हांगा तीच परिस्तिती जाल्या. हांव हांगा फुगार जातां. जीव सामको आकूळ पिकूळ जाता. म्हजें मन भितरल्यान रडटा. मळबांत उंच उडपी सवण्यांक पळोवन म्हजें काळीज घुस्मट्टा. म्हाकाय तांचो सांगात दिवंचो सो दिसता. पूण कशें, तुमी म्हाका हांगा बंद करून दवरलां. म्हजें भुरगेंपण तर तुमी व्हेलेंच. आतां म्हजें जाण्टेपण तरी बरें करून सरपाक दियात. तुमी मनीस ह्या संवसारांत सगळ्यांत स्वार्थी. आपल्या स्वार्था खातीर, आपलें घर सजोवचे खातीर, भुरग्यांक खेळोवपाखातीर तुमी आमकां वापरतात.

इतलीं वर्सां हे बंदखणींत रावन हांवें तुमचें खूब मनोरंजन केलें आनी खूबश्या ल्हान भुरग्यांनी म्हजेंय मनोरंजन केलें. तुमी म्हाका उलोवपाक शिकयलें. म्हाका ताळटा वयलो फोड कसो जपलो. पूण म्हजी ती मळबांतल्यान उडपाची इत्सा मात थंयच जिरली. म्हाका उडपाक जाय. म्हाका हे कैदेंतल्यान मुक्ती जाय.

आयज तुजेकडेन उलयन दिसलें म्हूण उलयतां. ह्या जाण्टेपणांत तर म्हजेर एक उपकार कर. म्हाका सोड, सोड म्हाका. म्हजो जीव घुस्मट्टा.... म्हाका सोड. तुजो फुडार बरो जातलो. तूं शंबर वर्सां जगतलो. पूण उपकार करून म्हाका सोड."

अशें म्हणून तें सवणें म्हज्या मुखार रडूंक लागलें. ताची ती दशा आयकून पळोवन म्हजे दोळे भरून आयले आनी हांवें कांयच विचार करिनासतना पांजऱ्याची खिळी काडली...

ते बरोबर सवणें आपलीं पाखां फडफडायत कुपां म्हऱ्यांत पावलें.

- धनवीरा राऊत देसाय
यत्ता : १०वी
द न्यू ऍज्युकेनल इन्सीट्यूट, सांवडडें

GOA ENERGY DEVELOPMENT AGENCY [GEDA]

GOVERNMENT OF GOA

GEDA

PROTECT ENVIRONMENT - SAVE CONVENTIONAL ENERGY

CLEAN RENEWABLE ENERGY IS LIFE

Conserve Fossil Fuels, reduce Pollution, reduce "Electricity / Cooking Gas" bills

by using



HOUSE HOLD ESSENTIALS

- SOLAR COOKER
- SOLAR WATER HEATER
- SOLAR HOME "LIGHT/FAN"
- SOLAR LANTERN



ENERGY SAVING HOME PRODUCTS

- PRESSURE COOKER
- IMPROVED SMOKELESS CHULHA
- IMPROVED KEROSENE STOVE
- COMPACT FLUORESCENT LAMP (CFL)

RENEWABLE ENERGY BASED COMMUNITY PRODUCTS

- SOLAR STREET LIGHT
- HYBRID(SOLAR + WIND POWER SYSTEMS
- BIOMASS GASIFIER
- SOLAR WATER PUMP
- BIOGAS PLANT
- BATTERY OPERATED VEHICLE

*SUBSIDISED RATES

*LIMITED STOCKS

FIRST COME FIRST SERVED

*(CONDITIONS APPLY)

FOR DETAILS PLEASE CONTACT

1. **Goa Energy Development Agency, Saligao,** Bardez - Goa. Ph.: 2407112, 2407194.
2. **Block Development Office** (BDO) Pernem - Ph.: 2201231, Sattari - 2374250, Cancona - 2643338, Quepem - 2662229, Sanguem - 2604252
3. **Surya Akshay Urja Shop**, S-13, Vaishakh Apts., Behind Rebello Hospital, Madel, Margao. Ph.: 3257071, 9325024370
4. **Sairaj Akshay Urja Shop,** Shop No. 2/218/A(2), Waman Residency, Altinho, Mapusa. Cell : 9822687121, 9923086981

सुश्रूत तुका असो वचपाचो अधिकार नाशिल्लो

सुश्रूत मार्टीन गेलो. सांगनासतना पुटूक करून गेलो. म्हजे हे सांगाती अशे एक एक करून वचूंक लागले जाल्यार गोंयचो फुडार कोणें पळोवपाचो?

पयलीं सिरिल पाशेको गेलो. मागीर ताचे फाटोफाट उमेश म्हांबरो गेलो आनी आता हो सुश्रूत.

मनीस जल्माक आयला तो एक दीस वतलोच हें सत्य. जणएकल्यान वचुंकच जाय. पूण अशें कर्तुत्व गाजोवपाच्या वयार न्हय. अश्या ह्या वयार खूबशे तरनाटे वतात. कोण अपघातांत, कोण वेसनांत बुडून बी. पूण सुश्रूत, उमेश बी तांतले न्हय. आमच्या मुखार एक निश्चित ध्येय आसा. आमी एक आदर्श, खुशालभरीत समाज आंवडेतात. आमकां हें गोंय राज्य एक आदर्श राज्य जाल्लें जाय आशिल्लें. तेच पासत आमी विद्यार्थी चळवळींत पडले. युवक चळवळींत पडले. गोंयच्या हिताखातीर १९७६ उप्रांत ज्यो ज्यो चळवळी आनी आंदोलना जालीं त्या दरेक आंदोलनानी आमी आशिल्लेच. फक्त नावाखातीर आशिल्ले न्हय तर सामके पयले फळयेंत आशिल्ले.

विद्यार्थी चळवळ आमी सुरू केली तेन्ना आमकां खूब जाणानी शाणपणा सांगलीं आमी शिक्षणाची वाट लावन घेतले, आमी आमचो फुडार इबाडटले. पूण आमच्या मदलो एकलोय इबाडलो ना. त्या पंगडांत जे जे कोण आशिल्लें ते सगळे खंय ना खंय समाजांत दिश्टी पडटात. सतीश सोनक, डेजमंड डिकॉस्ता, नंदकुमार कामत, क्लेओफात, आल्मेद, देऊ बाणावलीकार, आयरीश रॉड्रीग्स, मोहनदास लोल्येकार, सुबोध केरकार, माविन गुदिन्हो, समीर बांदोडकार, विष्णू वाघ कितलीं म्हूण नांवां घेवपाचीं? एकल्याचीच वाट लागली ती सुनील शेटयाची. ताका एका राजकारण्यानूच सोऱ्याचो गुलाम केलो म्हणटात. तो एक अपवाद सोडलो जाल्यार आमी सगळेच कर्तृत्वी उपजले. सुश्रूत हो तांतलोच एक.

सुश्रूत म्हाका मेळलो तो विद्यार्थी चळवळींत. उमेश म्हांबऱ्या वांगडा तो आसतालो. ताची आमकां अपुर्बाय वो तोखणाय म्हळ्यार तो क्रिस्तांव आसुनय हिन्दूभशेन उलयतालो. ताचें नांवूय सुश्रूत. ताची भयण मिनाक्षी. तेंय वैजकी म्हाविद्यालयांत शिकतालें.



नाटकांनी काम करतालें. तेंय बी मराठी नाटकांनी, कला अकादमीच्या सर्तीतल्यो भुमिका करतालें. उत्कृश्ट कलाकार म्हूण बक्षिसां घेतालें. सुश्रूत आनी मिनाक्षीचो बापूय आनी आवयूय तशींच. सुश्रूत, मिनाक्षीचे मित्र म्हळ्यार आपलींच भुरगीं कशीं अशेतरेन आमकां त्रातार करपी. हाका लागून खूब घराब्याचे संबंध आयिल्ले ह्या कुटुंबाकडेन. तातूंत हो घराबो सुटके झुजाऱ्यांचो जाल्ल्यान आमी जें कितें करतात ताका पुराय तेंको मेळटालो.

सुश्रूताक हजार नाद. तो कितें करतालो आनी कितें करूंक सोदतालो तेंच कळनाशिल्लें. तो घराकडेन पयलीं रेडिओ सारके करतालो. मागीर कॅमेरे सारके करूंक लागलो. ते उप्रांत घडयाळी उसयतालो. मागीर जेन्ना कंप्युटर आयले तेन्ना कंप्युटर सारके करूंक लागलो.

हें सगळें करतना एक दीस तो दोतोर जालो. होमियोपथीचें शिक्षण घेवन लोकांक बखदां दिवंक लागलो. लोकांची ताच्या दारांत गर्दी पडूंक लागली. ताच्या बखदाचो दुयेंतीक गूण पडूंक लागलो. सुश्रुताक वेळ उणो पडपाक लागलो. तरी लेगीत सुश्रूतान समाजसेवा आनी चळवळी सोडल्योनांत.

विद्यार्थी आंदोलनात पन्नास टक्के बस सवलतीच्या वेळार तो आमचे वांगडा आशिल्लो तो आमी विद्यार्थी चळवळींतल्यान भायर सरमेरेन आमचे बांगडाच रावलो.

आमी मागीर गोवन युथ फ्रंट म्हूण संघटना उबारली. गोंयकार तरनाट्यांक गोंयच्या सगळ्या सरकारी आनी खासगी आस्थापनानी नोकऱ्यांक ९० टक्के आरक्षण आनी नोकरी मेळसर सगळ्यांक बेकारी भत्तो अश्यो दोन मुखेल मागण्यो घेवन आमी सरकाराआड झगडटाले. मागीर कोंकणी राजभास चळवळ, घटक राज्य चळवळ ह्या सगळ्या चळवळीनी सुश्रूत मुखार.

सुश्रूताक बरोवपाचीय आवड आशिल्ली. नाटकांनी कामां करपाचीय आवड आशिल्ली. पयलीं आमी 'आकार थिएटर्स' म्हूण संस्था काडून नाटकां आनी सांस्कृतीक कार्यावळी करूंक लागले. इतले म्हणसर सुश्रूतान नाटकां बरोवंक सुरवात केली. 'जळमट' आनी कसल्या नांवाचीं ताणें नाटकां बरयलीं आनी आपल्या गांवच्या भुरग्यांक घेवन तीं बसोवंक लागलो. कला अकादमीचे सर्तीत वांटो घेवंक लागलो. गांवांनी प्रयोग करूंक लागलो. स्वता नाटकानी गरज पडटा तेन्ना भुमिका करूंक लागलो. पूण ताणें प्राधान्य दिल्लें चळवळीक. खंयीय अन्याय जांव, सुश्रूत लडपाक तयार. सुश्रूत करूया मरे चळवळ? इतलेंच विचारल्यार पुरो, सुश्रूत आयलो सोडून आपले पेशंट, हालीं हालीं ताणें 'विजन इंडिया' म्हूण संगटना तयार केल्ली. गांवागांवांनी वचून तरनाट्यांक जमोवप आनी आदर्श देशाची संकल्पना तांचेमुखार दवरप असो वावर ताणें सुरू केल्लो. सुश्रूतान आपल्या जीवनाचो उद्देश्य गोंय आनी भारत हाचो परजळीत फुडार इतलोच दवरिल्लो.

सुश्रूत सामको उदार. ताका गरीब दुर्बळांचो कळवळो. कोणेंय कितेंय मागलें जाल्यार ताणें केन्नाच ना म्हणप ना. मागीर कोण शिक्षणा खातीर अडचल्लो आसूं, नोकरे खातीर आसूं वो कोणाचें लग्न आसूं. सुश्रूत सगळ्यांक पावतालोच.

आयच्या ह्या काळांत आपूण आनी आपलो घराबो इतल्या पुरतो आपलो घराबो मर्यादीत दवरपी तरनाट्यां मदीं सुश्रूतासारको एक तरनाटो आसप म्हळ्यार फकत अजाप न्हय तर तें गोंयचें भाग्य. पूण सुश्रूताक आपलें म्हत्व कळलेंना. हे सगळे धावपळीत ताणें आपले भलायकेकडेन आडनदर केली. आपली भलायकी सांबाळपाक जाय हाचो विचार केन्नाच केलोना. हाका लागून जालें कितें, तर ऐन उमेदीवेळार सुश्रूत आमकां ना जालो. आमचे चळवळींतलो एक खांबो गेलो. आमकां एकटे उडोवन गेलो. अशें जर बरे बरे सांगाती एकएकलो उठून वचूंक लागले जाल्यार कोणाच्या फाटबळार आमी चळवळींत उडी घेवपाची?

सुश्रूत तुका असो वचपाचो अधिकार नाशिल्लो.

भारतीय भाषांमधील कोषविश्वातील एक अपूर्व निर्मिती

एकखंडी
गडगंज
ग्रंथराज



अस्तित्वाचा लढा देत
श्रीमंत शब्दसामर्थ्यातून
समृध्दीकडे वाटचाल करीत
आपल्या भाषाभगिनीची
उत्तुंग भरारी...

राजहंस
कोंकणी
सचित्र
अश्टांगी
अभ्यासकोश

रचनाकार - दामोदर केशव घाणेकर
तांत्रिक भार - सुरेश जयवंत बोरकर

वैशिष्ट्ये :

- आवश्यक तिथे उच्चार
- उलट अर्थाचे शब्द
- व्याख्या आणि वापर
- पोर्तुगीज आणि इंग्रजी शब्दांची मूळ रूपे
- क्रियापदांचे धातू
- नकारार्थी क्रियापदांची मूळ रूपे
- नामांची सामान्य रूपे
- बहुवचने

- *पन्नास हजारांहून अधिक शब्द*
- *सातशे पन्नासांपेक्षा जास्त रेखाटने*

आकार : A5
पृष्ठे : 2200
कागद :पांढरा 80 gsm
सुबक शिलाई बांधणी
ग्रंथालयांसाठी मूल्य रु. 3300/-
व्यक्तिगत ग्राहकांसाठी
स्वयंअनुदानित मूल्य रु. 1200/-

ट.ख.नि.

राजहंस

राजहंस वितरण
1 - मीनाक्षी बिल्डिंग, डॉ. व्होल्फांगु द सिल्व्ह मार्ग, पणजी, गोवा 403001
Ph.:91 - 0832 2220320 / 2232177 email : rajhaunsvitaran@dataone.in

- नं. ध. बोरकार
मास्कारेन्हस वाडो,
व्हडलें - गोंय
फोन : २२१८१४७



स म स्या

(१)

म्हज्या ऑफिसांत चार प्यून्स आसात. तातुंतल्या एकल्याचें नांव गरीब. सामको सादो. कोणाचें उतर खाला उडोवचो ना. कसलेंच काम जायना म्हणचो ना. आपलें काम बरें, आपूण बरो. जशें नांव तशे ताचे गूण. एक वर्स जालें हांव ह्या ऑफिसांत काम करतां. पूण एक दीस हांवें ताका गैरहाजीर आशिल्लो पळोंवना. सकाळीं स वरांचेर येवन ऑफिसाभायर दारा कुशीक एका पिंजक्या जमखणाचेर बसतलो. पळयतल्याक गरीब त्या जमखणाचेंच आंग कशें दिसतालो. म्हाका तर ताका तेच अवस्तकायेंत पळोवपाची संवय जाल्ली. ते इमारतीचोच एक बांटो कसो दिसतालो तो म्हाका! इतलो सरळ की कोणाच्यो कितल्यो तापवण्यो खावनूय परतें उतर दिवचो ना. एक मुसलमान आसा. ताका ऑफिसांतले सगळेच भियेतात कित्याक खबर ना. पूण म्हजे दिश्टीन ताचीं व्हडलीं व्हडलीं शापोतां आमूं येता. ताच्या म्हणण्या प्रमाण, ताचो एक बापोलभाव एका राज्याचो काजी (जुईज) आसा. दुसऱ्या एका राज्यांत ताच्या एका आत्याचो घोव सबइन्स्पेक्टर आसा. ताका सगळ्यांचे मान्यतायेन 'काजी-साहब' ही पदवी दिल्या. उरिल्ले दोग जाण जातीन बामण. हे तिगूय कामचोर, आळशी आनी मालकिर्याद! तांकां कसलेंय काम सांग, तोंड वांकडें केलेंबगर केन्नाच करचे नांत. क्लार्कांचे तर तांकां कोंतूच ना. व्हडल्या सायबाक मात्शें दचकतात, तरी केन्ना-केन्ना झगडले बगर रावचे नात. ताच्यांत इतले दुर्गुण आसुनूय ऑफिसांत तांचोच बडेजाव! गरीब बावड्याचें कोणाकच कोंत ना. बडटींचो वेळ येतकच हे तिगूय फुडें. गरीबाचें कोणाकच पडिल्लें नासता. हेरांक जेन्ना धा-धा मेळटा तेन्ना हाच्या वाट्याक स च आसतात. सकाळ ते सांजमेरेन हाचे पांय केन्नाच थाऱ्यार आसनांत. तिनूय प्यून ताचेर एक सारको अधिकार गाजयतात. पूण मलय खावपाच्या वेळार तांकां तो दिसना. ताच्याय हातार इल्ली उडोवची, असो विचार तांच्या मनांत मातूय येना. इतलें आसुनूय ऑफिसांतल्या वट्ट कर्मचाऱ्यांच्यो सायब लोक धरून तापवण्यो आनी धमकावण्यो खावच्यो पडटात ताका. व्हडल्या सायबांकडे कागाळ्यार कागाळ्यो वतात. मेमो आनी दंड चालूच आसतात. हें अशें कित्याक घडटा, हाचें गुपीत म्हाका कळना. म्हाका ताची काकुळट दिसताली. म्हजेकडल्यान ताका सदांच बरी वागणूक मेळटाली. हांव ताका सदांच दाखोवन दितालों, की तो म्हाका हेर प्यूना परस मातूय उणे दर्जाचो दिसना. हेरां इतलोच ताकाय मान-रेस्पेंद मेळटालो. ताका म्हजेकडच्यान इतलेंच न्हय, तर खूबदां ताची कड घेवन हेर कर्मचाऱ्यांकडे लडचो पडला म्हाका!

(२)

एक दीस मॅनेजरान आपलें मेज साफ करपाक गरीबाक सांगलें. तो रोकडोच मेज साफ करूंक लागलो. दैवसंयोगान झाडवाचो झटको मेजाक लागलो. मेज हाललें आनी मेजा वयलो तिंतेर हालून तो मेजार परतलो. सगळें तिंत मेजाचेर पातळ्ळें. हें पळयनाफुडें मॅनेजर सामको रागान तांबडो जालो. ताणें गरीबाचे दोनूय कान पकडून ताणें ताका कचकचीत हालयलो. मॅनेजर इतल्यानूच थांबलोना. प्रचलीत भारतीय भाशांतल्यो गाळी वेंचून-वेंचून तो गरीबाच्या कानपटार मोखूंक लागलो. गरीब बाबडो कितें करतलो? ताचे दोळे दुकांनीं भल्ले. केदो वेळ तो भरिल्ल्या दोळ्यांनी, मूर्तीभशेन आपल्या सायबाक पळयत रावलो, जसो काय ताणें कोणाचो खून बी केला! येदेशे गजालीक लागून मॅनेजरान अशे तरेन रौद्ररूप धारण करप म्हाका मातूय आवडलें ना. हेर खंयच्याय प्यूनान हाच्यान व्हडलो अपराध केल्लो जाल्यार ताचेर येदो वज्र प्रहार जावचो नासलो. हांवें इंग्लीशीन म्हणलें, ''सर, तुमी ताचेर अन्याय करतात. ताणें तिंतेर मुजरत उमथुना, तुमचें हें इल्लें चडच जालें. इतली ख्यास्त तुमी ताका दिवंक फावनासली.'' मॅनेजरान नमळतायेन जाप दिली - ''तुमी ताका वळखनात, म्हादुश्ट आसा तो.''

''म्हाका दिसना. निदान म्हजे नदरेक तरी ताचीं दुश्टपणा केन्ना पडूंक ना.''

''तुमी खंय वळखतात ताका, सामको हराम तो हराम! हाचेकडे शेतां आसात, दोन जोतां आसात, हजारांचो वेव्हार

जाता. दुदाच्यो दोन म्हशी आसात. हाकाच लागून मातला तो. गर्वान फुल्ला.''

''घरा इतलें आसा जाल्यार हांगा प्यून म्हूण कित्याक काम करतालो तो?''

''तुमी वळखनांत ताका कसलो आसा पळय तो! सामको फातरा काळजाचो, हिमटो नंबर एक! चामडी सुटत, पूण दमडी सुटची ना.''

''आसत तो तसो, पूण ताका अपराध म्हणूं नज.''

''तुमी नवे आसात. थोडे दीस थांबात. कळटली तुमकां ताचीं हलकटपणां.''

हाचेर फुडें दुसरो एक बाब उलयलो, ''घरांत धंय-दुदाचे हांडे भल्ल्यात. जोंदळे, चणे-बिणे साकांनी भल्ल्यात. पूण हाच्या हातांतल्यान कांयच सुटपाचें ना. हांव म्हणटां, तुजें घर भरून दार ओतता. दी मरे इल्लें इल्लें हाडून ऑफिसांतल्या वांगड्यांक. आमी आशेतात हांगा. मागीर कित्याक कोण जळचो ना. आतां ताचेकडे कितें आसा तें हे नोकरेकच लागून. ना तर पयलीं हाचे घरांत गोबोर लेगीत नाशिल्लो.'' हें आयकून मॅनेजर मात्सो लजेलो. ताणें म्हणलें, ''तशें कांय ना. कोणाक दिवचें-ना दिवचें, ताची मर्जी, पूण हो सामकोच पशू!''

आतां मॅनेजर खूश जालो. ताच्या मनांतलो दुबाव आतां पयस जाल्लो. म्हणूंक लागलो, ''तागेल्या सागवादीनीं कोण गिरेस्त जावंचो ना. पूण मनशाची दानत बरी आसूंक जाय. दानतीकडल्यानूच कोणूय आस बाळगिता, भिकाऱ्याकडल्यान कोणाक कितें मेळपाचें आसा?''

गुपीत उक्तें जालें. मॅनेजरान सोंपेपणान आपल्या मनाचें दर्शन घडयलें. गिरेस्तकायेचे दुस्मान सगळेच आसतात, ल्हान आनी व्हडलेय बी! आमचें आजोळ आनी मावोडो गरीब आसल्यार आमी तांचेकडल्यान कसलीच आस्त बाळगिनात. कदाचीत आमकां ते विसरुनूय वतात. पूण ते समर्थ आसून ताणी आमकां तय-चवथीचें वजें बी धाडलेंना जाल्यार आमचो रागा पारो खिणाक चडटा. आमी आमच्या कफल्लक इश्टाकडे गेले जाल्यार मात थंय आमी पान-विड्याचेर संतुश्ट जातात. पूण आमी एकाद्रया धनवान इश्टागेर गेले, आनी थंय आमकां च्या-पाणी दिलेंना तर आमची पांयांची तिडक मस्तकाक पावता. आमी तांची निर्भत्सना करतात, तिरस्कार करूंक लागतात आमी तांचो! श्रीकृष्णान सुदामाक रिकाम्या हातांनी धाडिल्लो जाल्यार, सुदामा कृष्णाचो व्हडलो दुस्मान जावपाचो. शिशुपाल आनी जरासंधा परसूय व्हडलो. हो आसता मनशाचो सभाव!

(३)

कांय दीस फाटीं हांवें गरीबाक विचारलें - ''कितें रे बाबा! तुजे घरा शेत-भात बी कितें पिकता?''

गरीबान नमळतायेन जाप दिली. ''हां पिकता बाबा.''

''गायो-म्हशी बी आसात तर?''

''हय सायबा. दोन म्हशी दूद दितात. गायो अजून गाबण्यो गेल्योनांत. धनयां, लोकांचे कृपेन चार शितागोटे खातां!''

''ऑफिसांतल्या सायब लोकांच्या हातार बी कितें उडयता काय ना रे?''

गरीबान काकुळटेक येवन, भावार्थान हात जोडून, नमळतायेन जाप दिली- ''सायब, हांव तुमची सेवा कशी करूं? कितें उडयतलों सायबांच्या हातार? म्हज्या शेतांत, जोंदळे, बाजरी बी पिकता. हें आमचें गरिबांचें खाण. तुमी व्हडले मनीस. तुमी जोंदळे-बाजारी खावन दीस काडपी? आनी समजा दिलें, तांच्यो तापवण्यो, धमकावण्यो आनी मार खावचे पडले जाल्यार? ह्या देड दमडेच्या मनशाक, असलें पोजडें खाण आमकां भेटोवपाचें धाडस कशें जालें, अशें म्हणून मार खावचो पडलो जाल्यार? कोणाकूय कितें दितलो जाल्यार तें घेतल्याक फाव तशें आसूंक नाका?''

''दी तरी एक दीस हाडून. पळोंवया कोण कितें म्हणटा तें! शारांनीं खंय मेळटात पळोवंक असलो ओरोव? केन्ना-केन्नाय सायबांकूय खायन दिसता शेतांतलें भड्डें खाण!''

''बरें आसा, दिवया. हे चण्याचे दीस. सांगो काडून हाडून दिवं येता. तरी भंय दिसता. कोणूय कितेंय म्हणत जाल्यार? व्हडल्या सायबाकडे कोणेय कागाळ केली जाल्यार?''

''तें तुका लागना. हांव पळोवन घेतां तें. तांकां समजावपाची जापसालदारकी म्हजी.''

दुसरे दिसा गरीब ऑफिसांत आयलो. वांगडा 'खोडेगांट' तरणाटे मानाय आशिल्ले. दोगांय माथ्यार सांगांनी उप्पाट भरिल्लीं पाटीं आशिल्लीं. एकाच्या माथ्यार ऊसा रसान भरिल्लें मडकें आशिल्लें. तीग जाण उसकांड्यां भरे घेवन उबे आशिल्ले. गरीब येवन गरादी भायर आशिल्ल्या एका झाडामुंदात मोन्यानी उबो रावलो. ऑफिसांत पांय दवरपाचें धाडस जालेंना ताका. एक अपराधी कसो उबो राविल्लो तो! गरीब रुखामुंदांत उबो आसतनाच ऑफिसांतले प्यून आनी हेर कर्मचाऱ्यांनी येवन ताका गराडो घालो. कोण ऊस दातांनी फोडून चोखूं लागलो. कांय जाणांनी पाट्यांचेर झोपय घाली. इतल्यान व्हडलो सायब ऑफिसांतल्यान भायर आयलो. थंय लुटालूट चल्ल्या ती पळोवन मोट्यान आड्डेलो - ''थंय गर्दी कित्याक? चलात, लागाक आपापल्या कामाक!''

हांव वचून ताच्या कानाक लागलों - ''गरीबान सागवाद हाडल्या. ताणें आपल्याच घरच्यान हाडल्या. थोडी तुमीय घेयात. उरिल्ली दियात वाटून बाकीच्यांक.'' व्हडल्या सायबान अडेचो राग हाडून म्हणलें- ''कितें रे गरीब तुवें हें सगळें हांगा कित्या हाडलें? व्हर हें सगळें हांगाचें, ना तर रिपोर्ट करतां हेड ऑफिसाक. तूं आमकां ल्हेंवटे बी समजता काय कितें रे?'' गरीबान तोंड येदेंऽ केलें. ताच्या हात-पायांक थरथरो भरलो. तोंडांतल्यान एक उतर भायर पडूंक कुस्तार जालें. चोरां नदरेन म्हजेकडे पळयत रावलो. गरीबा वतीन हांवें सायबाकडे गुन्यांव भोगसणी

मागली. हय-हय, ना-ना म्हणत व्हडलो मायब मानून घेवंक तयार जालो. सगळ्यो वस्तू व्हडल्या सायबान अदर्यो-अदर्यो आपल्या घरा धाडून दिल्यो. उरिल्ल्यो सगळ्यांक वाटून दिल्यो. अशे तरेन हें नाटक सोपलें.

(४)

गरीबाक आतां ऑफिसांत मान मेळूंक लागलो. ताका तापवण्यो पडपाच्यो बंद जाल्यो. दीसभर धावचें पडनासलें ताका. कर्मचारी ताचीं उणी-दुणी काडिनासले. वांगड्यांकडच्यान वायट उतरां आयकुचीं पडनासलीं. दुसरे प्यून स्वता ताचीं कामां करूंक लागले. ताच्या नांवातय आतां इल्लो बदल जालो. तो आतां गरीबाचो गरीबदास जालो. ताच्या बदला आत्मगौरवाचो उद्भव जालो. तत्परतेचे सुवातेर आळसाय आयली. तो आतां खंयच्याय वेळार उसरां ऑफिसाक येवंक लागलो. बरो नाशिल्ल्याचें निमित्त्य करून घरा बसूंक लागलो. ताच्या सगळ्या अपराधांकडे आतां दुर्लक्ष जावंक लागलें. ताका आतां आपले प्रतिश्ठेचें रहस्य खबर जाल्लें. तो आतां धा-धा, बारा-बारा दिसांनी धंय-दूद हाडून व्हडल्या सायबाक दिवंक लागलो. देवचारांक रोंट घालपाक शिकलो. सरळपण वचून ताच्यांतलें धूर्तपण जागें जालें.

एक दीस व्हडल्या सायबान गरीबाक सरकारी सामान सोडोवन हाडपाक स्टेशनार धाडलो. व्हडलीं-व्हडलीं बंडलां आशिल्लीं. हातगाडयांचेर घालून हाडपाचीं. गरीबान गाडयेकारांकडे बारा आणे मजुरी थारायल्ली. पूण पेपर जेन्ना ऑफिसांत गेले, तेन्ना ताणें गाडयेवाल्यांक दिवपाक व्हडले सायबाकडच्यान बारा आणे वसूल केले. पूण ऑफिसापसून पयस गेल्या उपरांत ताची नीत बदल्ली. मजुरांकडे आपलें कमीशन मागूंक लागलो. मजुरांनीं तें न्हयकारलें. गरीबाक आयलो राग. ताणें सगळे पयशे आपल्या बोल्सांत घाले. आनी तांकां धमकावन सांगलें - "आतां तुमकां एक फुटकी कवडी मेळची ना. वचात जाय थंय आनी करात तुमकां जाय तें. हांव पळयतां कोण कितें करता तो."

गाडयांकार मजुरांक कळलें, कमिशन दिलेंना जाल्यार मुदल मेळचें ना. रडत-मरत तांणी चार आणे कमिशन दिवपाचें थारायलें.

गरीबान आठ-आठ आणे तांच्या हातार थेयले. बारा-आण्याच्यो पावत्यो बरोवन घेतल्यो. तांचेर आंगठ्यांच्यो निशाण्यो घेतल्यो आनी त्यो व्हरून ऑफिसांत दिल्यो.

हें सगळें पळयना फुडें हांव सामको चाट पडलों. होच गरीब कांय म्हयन्यां फाटीं सादो, सरळ आनी दैन्यावस्थेंत आशिल्लो. आपल्या वांगड्यांकडेन आपलो वांटो मागूंक कडकडटालो. स्वता खावपाचें सोडूच, दुसऱ्याक खावोवपाचें लेगीत धाडस जायनासलें ताका. ताचें हें स्वभावांतर पळोवन म्हाका खूब वायट दिसलें. हाका जापसालदार हावंच आशिल्लों. हावेंच ताका फटींगपण-नाडपणाचें चातुर्य शिकयल्लें. म्हज्या मनांत आतां एक प्रस्न उबो जालो, असले धुर्ततायेन दुसऱ्याचो गळो दामून जीव घेवचे परस गरीब भोळो आशिल्लो तोच बरो आशिल्लो. दुसऱ्याचो अन्याय सोंसुनूय हांवें ताका अयोग्य वेळार प्रतिश्ठा प्राप्तीचो मार्ग दाखयलो. ताचो हो भयंकर अधोगतीचो मार्ग आशिल्लो तो. हांवें ताचे खोटे प्रतिश्ठेचेर ताचें आत्मप्रतिश्ठेचें बलिदान केल्लें!

Goa: Progressive Industrial Destination

Goa invites investments for its Pharma, Food Processing, Bio-tech and Apparel Parks. Goa is hailed as the best industr'al destination in the country on account of several factors that set it apart from the other states.

Some of these are :

- Excellent climate, culture & environment.
- The best educated manpower resource.
- Accessibility by rail, road, air & sea.
- Committed government & bureaucracy.
- Ample power.
- Executives feel at home.
- State-of-the-art communications.
- Several professional educational institutions.
- Excellent management - labour relations.
- Abundant warehousing.
- Modern port & international airport.
- A major health tourism destination.

GOA-IDC

GOA INDUSTRIAL DEVELOPMENT CORPORATION

A Government of Goa Undertaking

Corporate Office: Plot No. 13 A-2, EDC Complex,
Patto Plaza, Panaji-Goa 403 001.
Tel.: (0832) 2437470 to 73 **Fax:** (0832) 2437478/79
E-mail: goaidc@sancharnet.in **Website:** www.goaidc.com

– अपर्णा गारुडी
शिवोली, गोंय
फोन : ९८२३०९८२५४

आत्मसंगीत



गितांत कितली शक्त आसता न्हय? सैमसंगीत आनी स्वरसंगीत हांचो सुमेळ म्हळ्यारूच जिणेंतल्या आंतरीक शांतीची अनुभूती. मनांतल्या सगल्या विकारांक नश्ट करून परमानंदाचो अणभव दिवपी दिव्य संगीत. शांत, प्रसन्न वातावरण. प्रेम, भक्ती आनी समर्पणाचो भाव मनांत निर्माण करून ईश्वराचे गूण गावपाक मनवीणेच्यो तारो झंकारपाक लागपी अनुप जलोटाचें स्वर्गीय संगीत.

काळजाच्या गंधकोशींत साठयल्ल्या म्होंवाळ यादींचो परमळ वसंताच्या आगमनान हर्षभरीत जावन मनमाचयेर नृत्य करपाक लागलो. सकाळच्या स वरांचेर थंड वारें व्हांवतालें. गरमेन घुस्मटिल्लो जीव धादोस जालो. रातीं इल्लो पावस पडून गेल्लो. दारामुखावयल्या आंब्यारूखार गायतल्या कोगळाच्या सुस्वर गायनान कान तृप्त जाताले. माडाच्या एका चुइटाचेर सात-आठ कीर झोपाळो घेत शिळोण्यो घालताले. तांच्या शिळोण्यांक प्रत्युत्तर दीत हांव झाडां शिंपतालें. पोरसांतलीं झाडां रंगयाळ्या फुलांचो शिरंगार करून वसंत वैभव मिरयतालीं. तरेकवार रंगयाळीं सवणीं फुलांचेर मुक्त विहार करतालीं. वसंताच्या येवकाराखातीर विधात्यान हो सैमीक मेळावोच हांगा घडोवन हाडिल्ल्यावरी दिसतालें. म्हज्या आंगणांतल्या ह्या फुलां-पेडांसांगातान दर दिसा हांव एक नवी सकाळ अणभवतां आनी प्रसन्न चित्तान दिसाची सुरवात करतां. ह्या सैमाकडेन एकरूप जावन तातुंतल्या खिणाखिणांक बदलपी सौंदर्याचो आस्वाद घेतना विधात्याच्या सृजनशीलतायेमुखार नतमस्तक जातां. कालचक्राची आनी ऋतुचक्राची गती तशेंच महत्ती समजून घेतना जमनीर घट्ट पांय रोवन स्वत:चो तोल सांबाळीत उबें रावतां. ऋतू प्रमाण बदलप हो सैमाचो नेम काळाप्रमाण परिवर्तन हो जिवीताचो नेम. पावस, शीं आनी गीम तशेंच जल्म, सृजन आनी मरण. ऋतुंचें आनी जिणेचें चक्र चालूच आसता. ह्या चक्रावांगडा आमीय घुंवप, तांचे परिणाम भोगप, सोंसप काय तांका तोंड दीत समर्थपणान उबें रावप? हो प्रस्न सकाळ उदेतनाच म्हज्या मनांत आयलो. वोतांत वोतावांगडा तापप काय सावळेंत उबें रावपाचें शाणेंपण करप? शियादिसांनी शियांत कुडकुडप काय समजिकायेन शाल पांगरून शियादिसांक तोखेवप? पावसांत सत्री फुलोवन स्वसंरक्षण करप काय चिप्प भिजून थंडीजोराक आमंत्रण दिवप? वसंत वैभव मिरोवपी सैम सुवाळो तटस्थतायेन तोखेतना एक विचार सहजतायेन मनांत आयलो. विधात्याच्या ह्या रंगामाचयेर तिगपाखातीर समजिकाये सारको इश्ट ना आनी तटस्थतायेसारकें वरदान ना. सैम कितल्या सहजतायेन परिवर्तन आपणायता. मन सैमाची मनशाकडेन तुळा करूंक लागलें. सैमाची सोंबितकाय कितली निरागस, पवित्र आनी मनाक शांती दिवपी. पूण मनशाची सोबितकाय? काळावांगडा तीय रंगता,

रुपड्यांवरी. बदलता जिणेंतल्या रुतुवरी. परिवर्तन हो सैमाचो नेम मनशाकय लागू जाता. फकत बाह्य परिवर्तनान मनशाक मानसीक शांतताय मेळप शक्य ना. मानसीक शांतताये खातीर आंतरीक परिवर्तन जावंक जाय. हें खूब कठीण. पूण सैमाच्या सान्निध्यात आनी भक्ती संगिताच्या स्वर्गीय सुरांनी भरिल्ल्या वातावरणांत हें सहज शक्य जाता. झाडां शिंपून हांव घरांत आयलें. सुरांची याद जाली आनी सीडी प्लेयर चालू केलो. अनुप जलोटाच्या स्वर्गीय सुरांनी मन अनामिक आनंदान भरून गेलें. गितांत कितली शक्त आसता न्हय? सैमसंगीत आनी स्वरसंगीत हांचो सुमेळ म्हळ्यारूच जिणेंतल्या आंतरीक शांतीची अनुभूती. मनांतल्या सगल्या विकारांक नश्ट करून परमानंदाचो अणभव दिवपी दिव्य संगीत. शांत, प्रसन्न वातावरण. प्रेम, भक्ती आनी समर्पणाचो भाव मनांत निर्माण करून ईश्वराचे गूण गावपाक मनवीणेच्यो तारो झंकारपाक लागपी अनुप जलोटाचें स्वर्गीय संगीत. नास्तिकतेकडल्यान आस्तिकतेकडेन व्हरपाची, काळखांत शेणिल्ल्यांक उजवाडाची वाट दाखोवपाची आनी अशांत मनाक शांतीचो पुरस्कार प्रदान करपाची तांक ह्या भजनांच्या स्वर लहरीत आसा. ह्या भक्तीमय वातावरणांत भक्तीसंगीताच्या तालार म्हजी सकाळची रांदचे कुडींतलीं सगलीं कामां ईश्वरार्पण जातात. आयच्या सामाजिक राजकीय, वैयक्तिक आनी मानसिक अस्तिरते संबंदान विचार करपाक लागलें काय दिसता, मनशां भोवतणी इतलें सैमसंगीत, भक्तीसंगीत आसतना मनीस स्वताभितर सकारात्मक परिवर्तन कित्याक घडोवन हाडिना? 'पानी मे मीन पियासी...' अशी ताची अवस्था कित्याक जाता? अर्थांत संगल्यांची न्हय. हाकाय आडवाद आसतलेच. अस्थिरतायेकडल्यान स्थिरतायेकडेन व्हरपी भक्तीसंगीताचो प्रवाह संतकवींच्या भजनांतल्यान अक्षयधारा जावन व्हांवत आसा. संत कबीर, रैदास, सूरदास हांचीं भजनां म्हळ्यार शांतिमार्गावयले प्रकाशस्त्रोत. भगवंत आनी भक्त हांचें नातें सांगपी अर्थपूर्ण उतरांचे अमृतकुंभ. हो विचार मनांत आयलो आनी म्हज्या आवडीचें भजन सुरू जालें. उतरां आशिल्लीं-

''तन तंबुरा तार है मन, अद्‌भूत है ये साज
हरी के कर से बज रहा, हरी की है आवाज
तन के तंबुरे में साँसो के दो तार बोले
जय सियाराम राम, जय राधे श्याम श्याम.''

कुडीच्या तंबुऱ्याक वाजोवपी स्वासाच्या तारांचें म्हत्त्व सांगतना कवी म्हणटा-

''अब तो इस मन के मंदिरे में, प्रभु का हुआ बसेरा
मगन हुआ मन मेरा, छुटा जनम जनम का फेरा
मन की मुरलीयाँ में सूर का सिंगार डोले....''

मनाच्या मंदिरांत ईश्वराची स्थापना जाली काय ताचेर विश्वास दवरून बिनधास्त रावप. हो विश्वास मात श्वासा सारको जाय.

कवी फुडें म्हणटा,

''लगन लगी अब लीलाधारी से, जगी रे जगमग ज्योति
राम नाम का हिरा पाया, श्याम नाम का मोती
प्यासी दो अखियों में आँसूओ की धार बोले....
जय सियाराम राम, जय राधेश्याम....''

एकदां श्वास त्या ईश्वरूपाकडेन एकरूप जालो काय येवपी आनंदानुभूति दोळ्यांतल्यान आनंदाश्रु जावन व्हावंक लागता. हो अणभव वर्णन करपाक येना. सैमसंगीत आनी भक्तीसंगीतांतल्यान निर्माण जावपी आत्मसंगीत ह्या विराट विश्वातल्या शांतिमार्गाचेर पावलां घालपाक प्रेरणा दीत रावता.

''मानुश जनम अनमोल रे
माटी में ना लोल रे
अब जो मिला है, फिर ना मिलेगा
कभी नही कभी नही कभी नही.''

सिध्देश रेस्टॉरन्ट

गोंयकारांच्या सुवादीक जेवणाची सुवाल

सी एम् एम् फॅक्टरी सामकार, तिसरी गेट, सपना पार्क लागीं
बेतोडा मार्ग, फोंडे - गोंय

आमी पाट्यांचीय ऑर्डर घेतात

संपर्क करात : धनंजय मुर्थी - मो. : ९८२२११८१८२ / ९७६६७७८१८२
फोन : २३३०१८२

तेफळां

- रुपा कोसंबे
शिंदोळी, सांकवाळ,
कुठ्ठाळी-गोंय.
फोन-२४५२१५०

दुरसंचार?

दिसानदीस मोबायलाचो वापर वाडतच आसा. रस्त्यार भीक मागपाक बशिल्ल्या भिकाऱ्याकडेन पुसून हो मोबायल खेळटा. रस्त्यावयल्यान वतना तर आमकां दर दोन मनशां फाटलो एकलो मोबायलाचेर उलयतना दिश्टी पडटा. चडशीं तरणाटीं, भुरगीं तर मोबायलांतच आपली तकली घालून मॅसेजी घेवपा-धाडपाक गुल्ल आसतात.

म्हाका याद जाता. इश्कोलांत आसतना परिक्षेवेळार मराठी, हिंदी ह्या विशयांनी निबंध बरोवपाक लायताले. पांचवी ते धावी-बारावी मेरेन हातूंत केन्नाच खंड पडलोना. आनी वर्सानवर्स न चुकतां एक निबंध आसतालोच आसतालो, तो म्हळ्यार, 'विज्ञान-स्राप वो वरदान?' मागीर आमी विज्ञानापुसून घडिल्ल्या बऱ्या बऱ्या सोदांची विस्कटावणी करत विज्ञान स्रापापरस चड वरदान कशें? हे बरोवपाक गुल्ल जातालीं. हें याद जावपाचें कारण अजूनमेरेन विज्ञानान केल्ली क्रांती आनी तातुंल्यान जन्माक आयिल्लो मोबायल. आनी आतां मोबायल भुरग्यांखातीर बरो काय वायट हो यक्षप्रस्न उबो रावला. कारण लंडनांतल्या एका हॉस्पिटलान संगणक, मोबायल आनी इंटरनॅटासारक्या इलॅक्ट्रोनिक गॅझेटांच्या मोगांत व्हांवन गेल्ल्या भुरग्यांची पुनर्वसणूक करचेखातीर खाशेली यंत्रणा उबारल्या. संवसारातलो हो अशे तरेचो पयलोच उपक्रम असो दावो त्या हॉस्पिटलान केला. ह्या इलेक्ट्रोनीक उपकरणांचो भुरगीं करतात तो वापराचो अतिरेक पळोवन खासा भुरग्यांच्या पालकांनीच हॉस्पिटलाकडेन संपर्क सादलो आनी ही सेवा प्रत्यक्षांत आयली. त्या हॉस्पिटलान खंय ल्हान भुरग्यांक कांय दीस दवरून ल्हव ल्हव तांचें लक्ष उपकरणावयल्यान उडटलें तशेंच लोकांमदीं मेळून मिसळून चड वेळ पासार करपाची प्रेरणा तांका मेळची अशे तरेन उपचार पद्धतीची आखणी केल्या.

हांगा आमच्या देशांत इश्कोलांनी, कॉलेजींनी घडटात त्यो आगळिको पळोवन मोबायल शाळा-कॉलेजींनी व्हरपापासत भुरग्यांचेर बंदी घाल्या. पूण त्या बंदीक केर काडिनासतना कांय भुरगीं दोनय बोलसांनी दोन मोबायल घालून शाळा कॉलेजींनी पावतात. कारण आमकां पालकांकच पयलीं आपल्या भुरग्याच्या अपुरबायेचो एक भाग म्हणून बेगिनात बेगीन मोबायल घेवन दिवपाचे वेध लागतात. 'तूं परिक्षेक अमूक टक्के मार्क घेतलो जाल्यार तुका अमूक अमूक कंपनीचो मोबायल घेवन दितां' म्हण पालकच तांका भुरळ घालतात. आनी वयल्यान आपल्या भुरग्याक मोबायल दिवपा फाटलें समर्थनय बेस बरें करतात. भुरगो खंय अडचणीक आसलो जाल्यार ताका रोखडोच मोबायला वयल्यान कळीत करपाक मेळटलें, वो ट्युशनाक, हेर क्लासीक बचपी भुरगो नेमको खंय आसा तें मोबायलाचेर संपर्क करतगीर कळटा आनी ताचो हुस्को जायना अशें तांचें म्हणणें. मोबायलाचेर भुरग्याक जेन्ना विचारतात, 'बाबा-बाये तूं खंय आसा?' तेन्ना आपूण अमक्या जाग्यार आसां म्हणपाचें ताणें खरें उलयल्यारच मोबायलाचो उपेग मूं? पूण हातूंत पालकांकय दोश दिवपाक जायना. आजकालच्या म्हारगायेक लागून भुरग्यांच्या बऱ्या फुडाराखातीर दोगांय घोव-बायलांक नोकरी केल्याशिवाय गत्यंतर नासता आनी भुरग्याकडेन वैयक्तिक लक्ष दिवपाक तितलो वेळ नाशिल्ल्या कारणान मोबायलाचेरच विसंबून रावचें पडटा.

पूण चड वेळ मोबायलाचेर उलयल्यार ताच्यापासून जे किरण उत्सर्जित जातात ते तकलेक

मारक ठरतात आनी ताच्या पासत वेगवेगळे रोग जावपाची शक्यताय आसता म्हण संशोधन करतल्या शास्त्रज्ञांचें म्हणणें. पूण दिसानदीस मोबायलाचो वापर वाडतच आसा. रस्त्यार भीक मागपाक बशिल्ल्या भिकाऱ्याकडेन पुसून हो मोबायल खेळटा. रस्त्यावयल्यान वतना तर आमकां दर दोन मनशां फाटलो एकलो मोबायलाचेर उलयतना दिश्टी पडटा. चडशीं तरणाटीं, भुरगीं तर मोबायलांतच आपली तकली घालून मॅसेजी घेवपा-धाडपाक गुल्ल आसतात. जगांत गर्देचो देश म्हणून दुसऱ्या नंबराचेर आशिल्ल्या आमच्या भारतांत तर संडासा परसय चड मोबायल घोळटात अशें युनायटेड नेशनावरवीं केल्ल्या अभ्यासांत म्हणलां. भारतांत जवळ जवळ ५४५ मिलीयन सेलफोन आसात, आनी ते लोकसंख्येच्या ४५ टक्क्या मेरेन लोकांक आपली सेवा दितात पूण ३६६ मिलीयनाक म्हळ्यार ३१ टक्के लोकसंख्येकच फक्त निवळ उदक आनी मलनिस्सारण सुविधांचो लाभ मेळटा. भारतांत दर वर्साक देड मिलीयन लोकांचो दुशीत उदक आनी मलनिस्सारण सुविधेच्या अभावाक लागून मरण येता अशें युनायटेड नेशनान केल्ल्या अभ्यासांत म्हणलां आनी स्वास्थापरस

मोबायलाक लोक चड प्राधान्य दितात हें सिद्ध जाता. म्हणटगीर मोबायल कसो जळामळाक पावला हें आनी वेगळें सांगचें पडना. आनी दिसानदीस हें मोबायलप्रेम वाडत वतलें हातूंत इल्लोय दुबाव ना. आधुनिक मोबायलाचेर आशिल्ल्या नव्या नव्या सुविधांक लागून हेर इलेक्ट्रॉनिक मिडियापरस मोबायल चड प्रमाणांत लोकप्रिय जायत आसा. हाका लागून वाचन संस्कृती कमी कमी जायत वता. मनीस हो एक सामाजिक प्राणी हें विसरून लोकांभितर घोळून मेळून रावपाची वृत्ती कमी कमी जायत आसा. मोबायलावेल्यान अश्लील संदेश धाडून तातुंतल्यान जावपी गुन्यांवय कांयकडेन तकली वयर काडपाक लागल्यात. युवापिढी तर मोबायलाची इतली म्हणून गुलाम जाल्या की तांका एक दीस मोबायल हातांत ना जाल्यार चुकिल्ल्या-चुकिल्ल्याबशेन दिसता. तांची न्हीद खळटा हें ॲडिक्शन दिसानदीस वाडत आसा. कायद्यान जरी कितलीय बंदी आसली तरी वाहना चलयताना मोबायलाचेर उलोवप आनी अपघात जावप सर्रास घडपाक लागलां. तसो मोबायल वापरपच म्हळ्यार अर्थहीन कसो अशें आमी म्हणूकच शकनात. पूण ताच्या वापराचो अतिरेक जायत आसल्या कारणान सगळे गूण धापून उरून दोश वाऱ्यार पडपाक लागल्यात. आनी ह्या बहुउपेगी, बहुआयामी मोबायलाचो आकार ल्हान पूण लाभ म्हान आसून पसून 'अतिपरिचयात् अवज्ञा' ह्या उक्तीप्रमाणे अवस्था जाल्या. आमच्या भारतांतय मोबायलाच्या मोगान व्हावन वचपी भुरग्यांखातीरच लंडनाबशेन पुनर्वसणुक करपाखातीर यंत्रणा उबारपाक पडची न्हय अशेंच मागपाचें.

बिम्ब प्रकाशनाचीं नवीं पुस्तकां

तॉलस्तॉय	: रवीन्द्र केळेकार	मोल : १२० रुपया
बाकी विशेश	: दिलीप बोरकार	मोल : १०० रुपया
जाय काय जूय? (दुसरी आवृत्ती)	: दत्ता दामोदर नायक	मोल : १०० रुपया
आत्मभान (कादंबरी)	: सुजाता सिंगबाळ	मोल : २०० रुपया
स्वीकार (कथा संग्रह)	: सुजाता सिंगबाळ	मोल : १२० रुपया
काणी एका सुण्याची (बाल साहित्य)	: सुधा खरंगटे	मोल : १०० रुपया
सांवळी सांज (कविता)	: तेजश्री प्रभु गांवकार	मोल : १०० रुपया
बोलके ठसे (मराठी कविता)	: तेजश्री प्रभु गांवकार	मोल : १०० रुपया
आरके गे घुरके (कविता)	: सुफला प्रभु शेळकार	मोल : १०० रुपया
पंचारत (एकांकी संग्रह)	: सुफला प्रभु शेळकार	मोल : ८० रुपया
बोरकारी	: दिलीप बोरकार	मोल : २०० रुपया
Shreyarthee	**: Dilip Borkar**	**Rs. 200**

पुस्तकां खातीर संपर्क करात : फोन : २४३८३७५

ऑर्डर नोंद केल्यार आमी पुस्तकां घरपोच पावयतात

१५% सवलती सयत.

डॉ. अर्चना गांवकार हांचें ११० वखदी वनस्पती हें आयुर्वेदाचेर आदारीत अशें पुस्तक. आमच्या सरभोंवतणी आशिल्ल्या वेगवेगळ्या वनस्पतींचो मनशांच्या वेगवेगळ्या दुयेंसांचेर उप्चार करपाखातीर कशेतरेन वापर करूं येता हाची म्हायती ह्या पुस्तकांत दिल्ली आसा. म्हत्वाचें म्हळ्यार हें पुस्तक कोंकणी भाशेंत आसा. ताका लागून गोंयच्या सर्वसामान्य दुयेंती मेरेन ही म्हायती सहजपणान पावपाक मदत जातली. हे म्हायती वरवीं विविध रोगांचें निवारण करपाक आपल्या हाताकडेन हें पुस्तक आसचें अशेंच ताचें स्वरूप आसा.

ह्या पुस्तकाक डॉ. नागराज सामगा हांची प्रस्तावना लाबल्या.

शाल्मली क्रिएशन्स हे प्रकाशन संस्थेन हें पुस्तक उजवाडाक हाडलां आनी ताका गोवा कोंकणी अकादमीचो प्रकाशन पालोव मेळ्ळा. १८१ पानांच्या ह्या पुस्तकाचें मोल ११५ रुपया आसात. पुस्तकाची सजावट प्रकाश पर्येकार हांणी केल्ली आसा.





दिलीप बोरकार हांणी ज्ञानपीठकार रवीन्द्र केळेकार हांचें जिवन, कार्य आनी साहित्य हाचेर कोंकणीत बरयल्ल्या श्रेयार्थी ह्या पुस्तकाचो हो इंग्लीश अणकार जावन आसा. नामनेच्यो लेखिका आनी समिक्षक डॉ. किरण बुडकुले हांणी ह्या पुस्तकाचो इंग्लीशींत सुरबूस अणकार केल्लो आसा. मूळ कोंकणी पुस्तकाची काव्यमय भास आनी शैलीक खंयच बाधा येवंक दिनासतना केल्लो हो अणकार म्हळ्यार भारतीय साहित्याचो एक नमुनो. पानां : १४८, मोल : २०० रु. प्रकाशक : बिम्ब प्रकाशन.

ह्या पुस्तकाचें मुखपृश्ठ लेगीत उत्कृश्ट जालां आनी रवीन्द्र केळेकार हांचो विशीश्ट मुडांतलें छायाचित्र हें मुखपृश्ठाचें खाशेलपण जावन आसा.

मनीस, शिक्षक, चिंतक आनी साधक म्हूण लेव तॉलस्तॉयाच्या जिविताची आनी विचाराची वळख घडोवपी एक आगळें वेगळें पुस्तक हें. तॉलस्तॉयाच्या तीन म्हत्वाच्या वैचारीक पुस्तकांचो आपरोस हातूंत आसा, तशे ताणें शिक्षकाच्या मळार केल्ल्या प्रयोगाची आनी तागेल्या जिविताची वळख घडोवपी दोन खेरीत लेखूय आसात.

लेव तॉलस्तॉय फकत एक व्हड साहित्यकार नाशिल्लो. तो जिविताचो एक साधक आशिल्लो. हाकाच लागून महात्मा गांधी सारकेलो युगपुरूस तॉलस्तॉयाक आपणालो एक गुरू मानूंक पाविल्लो. मनशाचें मनीसपण कित्यांत आसा मनीसपणाक सोबऽ सारकें जिवीत कशें आसूंक जाय, हे सारकेले प्रस्न जांकां लागतात तांकां जिवाभावाच्या इश्टावरी दिसचें अशें हें पुस्तक - काळजाच्यो गांठी सोडोवपी, दुबाव ना करपी, वाट दाखोवपी अशें हें पुस्तक ज्ञानपीठकार रवीन्द्र केळेकार हांणी अभ्यासपूर्ण रुपान वाचकांमुखार हाडलां.

पानां : १३४. मोल : १२०रु. प्रकाशक : बिम्ब प्रकाशन.

GOA FIRE & EMERGENCY SERVICES
FIRE TRAINING CENTRE



3 Main Activities

•Fire Prevention •Fire Extinction •Training

Professional Training Courses

for Government & Non-Government Public Fire Services

Regional Training Centre for **Fire Sevices Officers - Sub Officer's Course (N.F.S.C.)**

B. Sc. Fire Technology 3$^{1/2}$ years - Affiliated to Goa University

AND

Tailored Training Course by Professionals

Meeting the needs of Industries and Commerce

Contact

DIRECTOR OF FIRE AND EMERGENCY SERVICES

Government of Goa, Panaji - 403 001

Tel:- (0832) 22423101, 22425101 Tel. Fax:- (0832) 2225500

E-mail : dir-firegoa@nic.in Weabsite : www.goadfes.gov.in

मुतखडो



गिमाचे दीस आयले आनी आमच्या हॉस्पिटलांत खूबशे लोक पोटांत दुखून वा कुशींनीं दुखून आयले. ही दूख इतली खर आसता की तो मनीस सामको वळवळटा, ताका ओकारो येतासो दिसता, एकवेळ ओकूंक येता, तो सामको तळमळटा, ताका मातूय सुशेग नासता, न्हीद नासता, केन्नाय मुतांतल्यान रगत वता आनी ताका जोर येवं येता. हीं सगळीं लक्षणां आसलीं जाल्यार त्या मनशाक मुतखड्याचें दुयेंस जालां अशें समजूं येता.

मुतखडे - मुत्रपींड ना जाल्यार मुताचे नळयेंत जांव येता. मुतखडे रेंवेंच्या बारीक कणा इतले ल्हान आसूं येता, तशेच क्रिकेट बॉला इतले व्हड दिसून आयल्यात.

मुतखडे जर ल्हान आसत जाल्यार ते आमच्या आंगांतल्यान भायर मुतांतल्यान पडटात. पूण जर तर व्हडले आसत जाल्यार ते मुतांतल्यान भायर पडूंक शकनांत आनी ते मुत्रपिंडांत वा मुताचे नळयेंत बांद सो रावतात आनी मनशाक खूब त्रास करतात.

मुतखड्याचें जालां हें कशें कळटा?

१. अकस्मात पोटांत दुखप, कुशींनीं दुखप - तळमळप.

२. ओकारो येता वा ओकारो आयल्या भशेन दिसता.

३. मुतांतल्यान रगत पडप.

४. मुतखडो जर सामको ल्हान आसत जाल्यार मनीस सामको बरो आसूं येता, ताका कांयच जायना. पूण जेन्ना मुतखडो व्हडलो जाता तेन्नाच मनशाक हीं वयर दिल्लीं लक्षणां दिसून येतात.

दोतोराक जेन्ना अशें दिसता की त्या मनशाक मुतखड्याचें जालां तेन्ना ते

१) मुताची तपासणी

२) क्ष किरण (X ray)

३) सोनोग्राफी करून घेता.

ह्यो सगळ्यो तपासण्यो केल्ल्यान मुतखड्याची सगळी सारकी सविस्तर म्हायती कळटा.

मुतखडो जर सामको बारीक (ल्हान) आसत (5mm) जाल्यार तो मुतांतल्यान भायर पडटा. पूण जर समज व्हडलो आसत जाल्यार ताचेर दोतोराच्या सल्ल्या प्रमाणे उपचार करून घेवंचे पडटात. आतां खूबशे बरे उपाय आयल्यात, लेझर थेरपी, लिथोट्रीप्सी जे सोपें आनी रोखडें जाता. मनशाक चड वेळ हॉस्पिटलांत रावचो पडना.

एकदां मुतखड्याचेर उपाय केलो की तो परत जायना अशें न्हय. त्याच मनशाक तो परतून जांव येता. म्हूण ह्या मनशान आपल्या कुडीची कुयदाद घेवपाक जाय.

मुतखड्याचें जाल्ल्या मनशान कसली कुयदाद घेवपाक जाय?

१. भरपूर उदक पियेवपाचें. दोन-तीन लीटर उदक पियेल्यारूच ताका बरें सळसळीत मुतूंक जातलें आनी तो बरो उरतलो.

२. आहारांत प्रथिना (Proteins) कमी घेवपाचें.

३. सोडियम आशिल्लें खाण चड घेवपाचें ना. अळणी जेवल्यार चड बरें.

४. अशें म्हणटात की चॉकलेट, टॉमाट, पालक, कॉफी, चीज, सोडा, कोको ह्यो चड प्रमाणात खाल्यार मुतखडो जांव येता.

५. गिमाच्या दिसांनीं आपले उदक पिवपाचें प्रमाण मात कमी करचें न्हय. कारण ह्या दिसांनी आंगांतल्यान खूब उदक, घाम जावन भायर वता आनी मनशाक डिहायड्रेशन जांव येता, तशेंच मुतपाक त्रास जांव येता, मुतूंक थोड्या प्रमाणांत जाता, मुताक इन्फेक्शन जाता आनी मनशाच्या मुत्रपिंडाचेर (kidney) भार पडटा आनी ताका लागून आनी दुयेंसां जांव येतात.

६. दोतोराच्या सल्ल्यान वखदां चालू दवरचीं.

तशेंच कसलोय त्रास जालो जाल्यार ताचेर दुर्लक्ष करचें न्हय. आनी वेळार आपल्यो सगळ्यो तपासण्यो करून घेवंच्यो.

- डॉ. वंदना धुमे
फोन :९८२२५८५२८५

स्वताचे जाणवायेन वखदां घेवप धोकेदायक थारुं येता. तुमकां बरोवन दिल्ल्या वखदाविशीं (रशेद) जर कितेंय चवकशी करपाची आसत जाल्यार आमच्या फार्मासिस्टाकडेन उलयात.

हिन्दु फार्मासी
पणजी
फोन : २२२३११७३

आडवे

– संतोष शिवराम हळर्णकार
बांदिवडे-बंदर,
फोंडा-गोवा ४०३ ४०१

१. गावपी, गवय
३. सात दिसांचो गट
६. देणे – घेण्याविशींचो विस्वास
७. चड खारसाण
८. आगगाडी, उज्या गाडी, ट्रेन
९. राजाची बायल
११. भौस, सरभरस सगलो लोक
१३. सर्ग, सर्गार रावपी लोक
१५. आदोगाद
१६. चलयांक शिकोवपाची शाळा
१८. मळणी करप, कालोवप
२१. घर उबारपाक लागपी पारो
२२. लुगटाची एक जात
२४. कलय काडपी
२५. इंग्लीशींतलो दीस, मन्ना ह्न – एक गायक.



उबे

१. गाडो चलोवपी, गाड्याचो धनी
२. आपलेंपण, आस्था
३. साबांव, सोप (soap)
४. काकुळटेन केल्ली पराथणी, तळमळ
५. चामडी, कात
६. वेतन, तनखा
९. राजाली धूव
१०. एकेच तरेच्या वस्तुंचो वा मनशांचो पंगड
११. स पावटी
१२. फुलां विकपाचो धंदो करपी
१३. सपनां पळोवप
१४. गोंयांतलें एक मराठी दिसाळें
१५. कांकणकार
१६. फातराचो वा तळपाचो कडेकडलो कुडको
१७. भाजी
२०. जाच्यापासून तांदूळ करतात तें धान्य
२३. ताल, गती, चाल



एप्रिल उतरकुवाड्याची जाप

Sponsored By :
Chef Fernando's Nostalgia RAIA-GOA



सुंगटांचो बालशांव

साहित्य : ३ वाटयो सुंगटां (उजरायिल्लीं), ८-१० मध्यम तोमाटां, १० सुक्यो मिरसांगो, १० लवंगां, १० मध्यम कांदे, २ कुलेरां व्हडलीं सुकी कोथमीर, १ १/२ घाकटे कुलेर हळदीपिठो, २० मिरयां, ३ इंच तिखी, २ इंच आलें. १वाटी टॉमेटो सॉस, मीठ आदमासान, १५ लसूण बोयो, १ धाकटें कुलेर जिरें, अर्दवाटी तेल, अर्दवाटी कोथमीरे पालो.

करपाची तरा : सुंगटांक मीठ, हळद लावन दोन वरां मुरपाक दवरात. सगळो मसालो कोथमीर पाल्यासकट बारीक वाटात. अर्दवाटी तेल कायलींत घालून सुंगटां तश्यातशीं तळून काडात. कांदो शिनून त्याच तेलांत तळसून घेयात. कांदो शिजतगीर वाटिल्ली गुळी त्या कांद्यांत तळशियात. बारीक चिरिल्लो टोमॅटो त्या मसाल्यांत एकजीव जायरस तळशियात. तातूंत सुंगटां, मीठ आनीक २ वाटयो उदक घालात. १० मिनटां शिजोवन १ वाटी टॉमेटो सॉस घालात, बरो खतखतो येतगीर गॅस बंद करात.

सुक्या सुंगटां किसमूर

साहित्य : १ वाटी सुकीं सुंगटां, अर्दे कुलेर धाकलें मिरसांगे पिठो, १ धा. कुलेर तेल, अदमासान मीठ आनी कुवळ्यांयिल्ली आमटाण. अर्दे धा. कुलेर हळदी पिठो, अर्दवाटी सोय, २ मध्यम कांदे.

करपाची तरा : सुंगटांचे गळे आनी शेपट्यो काडून उडयात. मध्यमशे कुडके करात. तव्यार तेल घालून हे सुंगटांचे कुडके कुरकुरीत भाजून घेयात. बारीक कांदो चिरून सगळें साहीत्य एकठांय कालयात.

तुमी जर कांदो तेलान तळसून ही किसमूर करत तर तुमी फ्रिजांत डब्यांत दवरून तीन चार दीस खावंक शकतात. अशे तरेची किसमूर तुमी सुक्या गालम्याची, सुक्या बांगड्यांची करूं शकतात.

कुल्ल्यां लाखे सुकें

साहित्य : २ वाटयो कुल्ल्यां लाख. चिमटीभर हळदी पिठो, १ कुलेर मीठ, मोठे कांदे, १ वाटी सोय, १ धा. कु. मिर्ची पावडर, २ हरव्यो मिरसांगो, ४-५ सोलां.

करपाची तरा : कांदो बारीक चिरून सोय, मिरसांगे पिठो, हळदी पिठो, सोलां २/३ वाटयो उदक घालून कांदो शिजसर वा उदक आटसर शिजयात.

तळिल्ल्यो कुल्ल्यो

साहित्य : ७-८ कुल्ल्यो, १ धाकटें कुलेर मिरसांगे पिठो. १ कुलेर हळदी पिठो १ दावलभर तांदळां पीठ, तव्यार तळपापुरतें तेल, २ धाकटीं कुलेरां कोथमिरे पिठो, अदमासान मीठ.

करपाची तरा : कुल्ल्यो उजरावन एकें कुल्ले २ कुडके करात. दोंके भायर उडयात. कोथमीर मिरसांग आनी हळदी पिठो, मीठ लावन २०-२५ मिनटां दवरात. तवो बरो तापोवन ताचेर तांदळां पीठ लावन सारकें तव्यार मांडून तेल घालात. तव्यार आरतून परतून तळात. चुरचुरीत जातगीर हुनहुनीत खावप.

सडसडीत तिसऱ्यो

साहित्य : ४ वाटयो कल्लायिल्ल्यो तिसऱ्यो, ३ कुलेरां मिरसांगां पिठो, १ धा. कुलेर हळदी पिठो, ४ मध्यम कांदे, अदमासान कुंवळायिल्ली आमटाण आनीक मीठ. अर्द कुलेर साखर, २ वाटी सोय आनीक व्हडलें १ कुलेर भाजिल्ले कोथमिरे पिठो.

करपाची तरा : तिसऱ्यो २-४ वेळां धुवन कल्लयात. सगळें सामान एकठांय करून देड वाटी उदकांत तिसऱ्यांक एकजीव करून कालयात आनी कांदो शिजून उदक आटूंक दियात.

– सुफला रुद्राजी गायतोंडे
मिरामार-पणजे
फोन : ९८२३१११९१७

– कुसूम अग्रवाल
शिवोले–गोंय
फोन : २२७२०२१

मेवाळ उबें

ताचो तो अवतार पळोवन हांवें आशीकुशीक पळयलें. वळखिचो एकूय मनीस लागीं नाशिल्लो. भर बाजारांत लज शी. देवाक आर्गां दिलीं आनी म्हणलें "चूक जाली. कितले पयशे फारीक करपाचे तें सांग. हांव करतां. बेश्टेंच तुका लुकसाण नाका."

दिवाळी लागीं पाविल्ली. तश्यो घरांत पोरण्यो पणट्यो आशिल्ल्यो पूण म्हापशेंच्या शुक्राराच्या बाजारांत मांडून दवरिल्ल्यो रंगयाळ्यो, वेगवेगळ्या आकाराच्यो ल्हान व्हड पणट्यो पळोवन हांव भुल्लुशिल्लें. तेन्नाच हांवें मनांत थारायल्लें ह्या वर्सा हांव रंगबिरंगी पणट्यो पेटोवन म्हजें घर सजयतलें.

सगलो बाजार केलो आनी निमाणें मडक्यांच्या बाजारांत पणट्यो घेवपाक गेलें. सामानाच्या पोंदा वजनान फुटत म्हूण सामानाचेर अळंग दवरपाचें हांवें थारायिल्लें.

एका हाताच्या खाक्यांत पर्स आनी दुसऱ्या हातांत दोन जड पिशव्यो मदीं लांब रूंद हांव. मडक्यांच्या बाजारांत दोनूय वटेंतल्यान मातयेचीं आयदनां दाळून दवरिल्लीं. मदीं भितर वचपाक अशिरशी वाट, म्हजो दोळ्यांत भरपा सारको देह. अशीर वाटेंतल्यान भितर वचपाखातीर कितलोय आवुळपाचो प्रयत्न केलो तरीय शक्य जायनासलें. आमच्या भुरगेपणांत बसींत गर्दी जातकच बारीक जायात म्हूण कंडक्टर आमकां सांगतालो. हांवेंय बारीक जावपाचो प्रयत्न केलो. आनी नेटान मुखार गेलें. पोतयो सांबाळटना म्हजो तोल गेलो आनी म्हजो हात चिमणेक लागलो. चिमणी सकयल पडली आनी तिचो ट्यूब फुटलो. तो आवाज आयकनाफुडें म्हज्या काळजांत चर्र्ऽऽऽ जालें. काळो कुळकुळीत टणटणीत दादलो म्हाका म्हारक्या बैलावरी दोळ्यांत दोळे घालून पळयतालो. हांवें मनांत म्हणलें हाणें सामकी वाटेर काचेची चिमणी हाडून कित्याक दवरल्या? पूण म्हजो हात लागिल्लो खरो. चूक म्हजी आशिल्ली. हांव थंयच उबें रावलें. भर बाजारांत तो दादलो गाळी संवना जाल्यार पुरो. ट्युबाचो आवाज आयकनाफुडें ताणें तोंडाचो पट्टो चालू केलो. "ह्या बायलांक चलपाक लेगीत कळना. भर बाजारांत हालत धोलत चलतात. फोडलो मगे म्हजो ट्यूब? बाजारांत तुमकां सारकें चलपाक कळना?" हांवें नमळायेन म्हळें "बाबा रे, चुकून हात लागलो." "तशें सांगल्यार जालें? पयशे कोण दितलो?" अशें म्हणत तो कच्च करून आंगार आयलो.

ताचो तो अवतार पळोवन हांवें आशीकुशीक पळयलें. वळखिचो एकूय मनीस लागीं नाशिल्लो. भर बाजारांत लज शी. देवाक आर्गां दिलीं आनी म्हणलें "चूक जाली. कितले पयशे फारीक करपाचे तें सांग. हांव करतां. बेश्टेंच तुका लुकसाण नाका." हांवें अशें म्हणलें खरें पूण पर्सींत फक्त पन्नास रुपयांची नोट आसा. चड मागल्यार खंयचे दितलें? पयशे दिना जाल्यार हो म्हाका तापयतलो. सगले लोक आयकतले. हें चिंतून म्हाका दरदरून

घाम सुटलो. तो कितले पयशे सांगता हाचेर म्हजें लक्ष केंद्रीत जालें. म्हजी अपराध्याची अवतीकाय पळोवन ताणें तितल्याच मवाळ उतरांनीं म्हाका सांगलें, ''कांय दिवपाची गरज ना. ताका पयलींच वेर आयिल्ली.'' रागान फडफडटा त्या मनशाक एकदम मवाळ उतरां उलयता तें पळोवन म्हाका अजाप जालें.

कितली शक्त आसता ह्या मवाळ उतरांनी न्हय? मुखावयलो मनीस रागारागान फडफडट्टा, जळजळटा पूण जर दुसऱ्या मनशान 'चूक जाली' ही तोंडार भावना हाडून दिलगिरी व्यक्त केली जाल्यार ताचो तो रागाचो पारो खंयच्या खंय नाच्च जाता. संत कबीर म्हणटात.

'ऐसी बाणी बोलिए. मन का आपा खोए
औरन को शीतल करे, आपहु शीतल होय'

मवाळ उतरां उलोवपी मनीस सगल्यांक जाय जायसो दिसता. तांच्या सहवासांत सगल्यांक खोस भोगता. म्हणूनच जीं मनशां गोड उलयतात तीं सगल्यांची काळजां जिखतात.

चौगुले कॉलेजींत शिकता आसतना डॉ. मनोहरराय सरदेसाय थंय फ्रेंच शिकयताले. तांच्या वर्गाच्या कुशीकूच आमचो मराठीचो वर्ग आशिल्लो. आमचो तास सोपतकच आमी मुद्दाम ते वतात ते वाटेन सोपणांकडे उबीं रावतालीं आनी तांचेकडे उलयतालीं. गोड, मवाळ उतरांचें रहस्य तांका कळिल्लें. जीण सुखाची करतली जाल्यार होच एक रामबाण उपाय. म्हणूनच ते म्हणटाले 'उतरां तुजीं पयली जोख, मागीर मोख.' कितलो गहन अर्थ भरिल्लो आसा ह्या उतरांनी.

कांय मनशांची जीब बरीच धारदार आसता. चराचरा भाजी कातरिल्ल्यावरी शब्दांनी दुसऱ्यांचीं मनां कातरतात. फाटलो फुडलो विचार करिनासतना फट्ट करून उलयतात. आपूण लोकांचीं मनां दुखयता हाची तांकां जाणीव सुद्दां नासता.

एक बायल आसली. खंयूय मेळ्ळी की तोंड भरून हासताली. खूब दिसांनी मेळटकच सहज विचारप जातालें. ''कशें आसा गो?'' ह्या प्रस्नाक जाप दिताआसतना ती रागान म्हणटाली ''म्हाका कितें जालां? हांव धडधाकट आसां. म्हूण हांगा आयलां. बरें ना जाल्यार हांव हातरुणाचेर न्हिदून रावपाचें'' विचारतल्याक खंयचें आपणें तोंड उगडलें आनी विचारलें अशें जातालें. हाचो परिणाम म्हळ्यार लोक तिका टाळटाले.

उतरां मनशांक एकठांय हाडटात. उतरां मनशांचीं काळजां जोडटात. वखदा परस दोतोराच्या उतरांनी दुयेसां पयसावतात. आपली बाजू सत्य आसत जाल्यार आनी मवाळ, गोड भास आसत जाल्यार कितलींय म्हत्वाचीं कामां लेगीत सहज जावपाक शकतात. हीं म्होवी, मवाळ उतरां उलोवपाक आमकां कसलेंच मोल फारीक करचें पडना. ना वस्त दिवंची पडटा ना पयशे. गरज आसा नितळ काळजाची आनी व्हड मनाची. थंय मातसुद्धां सुवार्थ लिपिल्लो आसूंक जायना. निसुवार्थीपणान व्यक्त केल्ल्यो भावना मनशाची उंचाय वाडयता. ते व्यक्तीबद्दल आमच्या मनांत आदर निर्माण जाता.

बऱ्या उतरांनी आमी आमचे विचार दुसऱ्यामेरेन पावोवपाक शकतात जाल्यार मागीर काळीज पिजपी, दुसऱ्यांचीं मनां विचलीत करपी निश्ठूर उतरां वापरपाची गरज आसा व्हय? 'तिळगूळ खायात गोड गोड उलयात' हो विचार संक्रांतीच्या दिसापुरतो दवरनासतना येता त्या दर दिसा हो विचार आपणायतलों असो आमी संकल्प करूया.

अशें केल्ल्यान गिरेस्त-गरीब, दादलो-बायल, धर्म हांचेमदीं आशिल्ल्यो वणटी ना जातल्यो. शेणिल्लें मनीसपण परत मेळटलें. आनी सगले एकामेकाकडे मनीस म्हूण पळयतले. त्याखातीर देशांत, समाजांत आनी घराब्यांत एकवट वाडटलो. चलात तर. राग फाफडुया आनी मनां जुळोवपाचें काम करुया.

भुरग्यांच्या आंगणाक साहित्य धाडचें

बिम्ब मासिक दर्जेदार येवंचें असो हावेस पुराय बिम्ब परिवाराचो आसा. खंयचेंय मासिक दर्जेदार येतलें आनी तें वाचकाचे पसंतीक उतरतलें जाल्यार तातूंत दर्जेदार लेखकांचें जशें दर्जेदार साहित्य जाय तशेंच नव्या बरोवप्यांचेंय साहित्य जाय जाका लागून तांच्या साहित्याचोय दर्जो उंचावंक पावतलो.

आमी बिम्ब मासिकांत भुरग्यां खातीर चड पानां जरी दिवंक शकले नांत तरी दर अंकांत ३०% सुवात आमी राखून दवरतात. पूण हीं १० पानां भरपाखातीर फावो तें साहित्य अजून येना. ह्या मुखार जर साहित्य येना जाल्यार आमी हेर भासांतलें साहित्य अनुवाद करून माणकुल्यांखातीर दितले. जांकां कोणाक साहित्य धाडपाचें आसा ताणी बिम्ब मासिकाच्या पत्त्यार दर म्हयन्याच्या २० तारखे मेरेन पावता तशें धाडचें. तेच वांगडा आमकां दर्जेदार कथा, वैचारीक साहित्य, नाटकुलीं आनी हेर साहित्यप्रकार कागदाचे एकेच वाटेन सुवाच्च अशें बरोवन धाडचें. आमी निवडिल्ल्या साहित्याक फावो तें मानधन वर्साचे अखेरेक धाडून दितात. बिम्ब दर्जेदार जावंचें, वेळार वाचूंक मेळचें अशें जांकां दिसता ताणी बिम्ब आपलें मानून सहकार्य करचें.

दिलीप बोरकार

डायरी-ए-काश्मीर

दल सरोवरांतलीं चार पांच वरांची भोंवडी करून जाल्या उपरांत आमी त्या शिकाऱ्यावाल्याक निरोप दिलो. ताचीय आमी बरीच सरबराय केल्ल्यान तोय जाम खूश आशिल्लो. आमी सांगनासतनाय ताणें बरींच पदां म्हणिल्लीं. पूण एकल्याकूय कश्मीरी लोकगीत येनाशिल्लें. म्हणटाले तीं सिनेमांतलीं भ्रश्ट पदां. तीं आयकून म्हजी तकली कणकणटाली. देखून शिकारो सोडल्या उपरांत हांवें सुस्कारो सोडून जमनीर पावल घालें.

शिकाऱ्यांतल्यान देंवल्याबराबर रस्त्यारूच गाडी घेवन मन्सूर उबो आशिल्लो. सांजचीं तीन जाल्लीं. आमी चार चिनार जुंव्याक तेंकून आशिल्ल्या हाऊस बोटींत कितें कितें चाबडायल्लें, देखून भूक तशी लागूंक नाशिल्ली. आतां कितें करप हो प्रस्न आशिल्लो. रूमार वचून न्हिदपाचें वो खंयतरी थोड्या काळा खातीर भोंवपाचें. म्हळें लागीं आसा जाल्यार शंकराचार्याचें मंदिर पळोवन घेवया आनी वेळ आसलोच जाल्यार दल सरोवरा देगेवयल्यो बागो पळोवन येवया.

सगळ्यांक ही कल्पना आवडली. चार पांच वरां सरोवरांतूच उरिल्ल्यान तशी एक विचित्र थकावट जाणवताली. पूण कंटाळवाणी उबगण नाशिल्ली. नवें नवें पळोवपा खातीर दोळे आनी मन जेन्ना आशेल्लें आसता तेन्ना मनशाक कसलीच उबगण येना. जिणेची तर नाच ना.

मन्सूरान गाडयेची चावी म्हजेकडेन दिली. म्हाका ते गाडयेची संवय नाशिल्ली. सराव जायसर एक-दोन किलोमीटर चलोवंची पडपाची. पूण ती गाडी रंगान चकचकीत जरी दिसली तरी तिचे खूबशे अवयव वापरांतल्यान गेल्ले. स्टार्ट जावन गाडी गिअरांत पडटा आनी रोदां घुंवतात म्हूण ती गाडी! म्हाका ते दोंगुल्लेचेर चडटना कसलीच रिस्क घेवपाची नाशिल्ली. शिवाय लक्ष ड्रायव्हींगाकडेन लागिल्ल्यान म्हाका कांयच पळोवंक मेळपाचें नाशिल्लें. पूण गाडी हांवें चलोवंची म्हूण मन्सूर हट्टाक पेटिल्लो.

'काका आपूण खंयीय गाडी चलोवपी म्हूण नेट मारतालो. आतां भिलो पळय. हांव लेगीत चलोवपी!' कुकीन म्हजीं खेबाडां उडोवंक आरंब केलो.

'चलय रे तूं दिलीप. दाखय ताका' काकीन म्हळें. हांवें चावी घेवन गाडी स्टार्ट केली. पंचवीस मिटरांचेर पावसर क्लच, ब्रेक आनी स्टेअरींगची कल्पना आयली. मागीर हात बसलो. गाडयेचें मेन्टेनन्स नाशिल्लें, तरी गाडी इंजिनान बरी

आशिल्ली.

दोन-तीन किलोमीटर गेल्या उपरांत उजवे वटेन आमकां शंकराचार्य दोंगुल्लेचेर वचपाखातीरचो रस्तो लागलो. त्या रस्त्यार कडेकोट बंदोबस्त आशिल्लो. मॅच बॉक्स, सिगरेट, उदकाची बाटली, कॅमेरो बी कांयच व्हरूंक मेळनाशिल्लें. गाडी भितर घेवन हांवें तपासणेखातीर दवरली. बारकायेन तपासणी जाल्या उपरांत म्हजेकडेन लायसन्स मागलें. म्हज्या लायसन्सावेलो फोटो आनी म्हाका नियाळून लायसन्स परत केलें आनी आमकां सोडले. हांवें शंकराचार्य टेकडेची चडटी काडपाक आरंब केलो. मात्सो मुखार गेल्या उपरांत मन्सूर म्हणूंक लागलो, जाय जाल्यार हांव चलयतां आतां गाडी. हांवें विचारलें. मागीर कित्याक चलोवंक लायिल्ली म्हाका? म्हणूंक लागलो, मेरे पास लायसन्स नही था. चाप्टर खंयचे कडलो. हांव लायसन्स पाकिटांत दवरतां म्हण बरो. पयलीं तशें सांगिल्लें जाल्यार चेक तरी करपाचों पाकीट. आसा म्हण धरून चलिल्लों आनी दाखोवपाच्या वेळार नाच्च जाल्लें जाल्यार घात आशिल्लो.

तरी कांय हरकत नाशिल्ली. कुलू-मनाली, रोथांग, लेह बी वाठारांनी पंदरा दीस भोंवलां. थंयच्या राष्ट्रीय म्हा-मार्गाचेर जगांतलो सगळ्यांत उंचायेवेलो रस्तो म्हूण सायन बोर्ड हड्डें वयर करून आशिल्ले दिसतात. असल्या, रस्त्यावेल्यान वाहन चलोवपाक एक वेगळेंच थ्रील आसता. एक वेगळो अणभव आसता. पूण ती संद तेन्ना मेळूंक नाशिल्ली, ती आतां आलायती लाबिल्ली.

कश्मीर खोऱ्यांतले हे रस्ते म्हळ्यार सर्गीय सैमीक सुंदरायेचे खजिने. असले रस्ते गोंयांत ना अशें न्हय. उसगांवच्यान बोंडला अभयारण्यांत वतना जो रस्तो लागता तोय असो जंगलांतल्यान, दोनूय वाटानी रुखांची गर्दी. तरातरांचीं रुखां, वेली रस्त्याच्या दोनूय कडांनी रावून, मान बागोवन कुर्निसात करतात, हात हालयतात तें पळयत जाल्यार मन सामकें खुशालभरीत जाता.

पूण कश्मीरचें सौंदर्य आगळेंच. तशें दिसपाचें कारण म्हळ्यार आपूण कश्मीराक आसां हीच भावना.

शंकराचार्य दोंगुल्लेर वचपा खातीर केल्लो हो रस्तो दाट जंगलांतल्यान केल्लो. जेमतेम एक बस वचूंक मेळचो असो हो अशीर रस्तो. आमच्या गोंयच्या रस्त्यावरी हॉटमिक्स बी केल्लो न्हय पूण तसो सामको खडकाळ, खणीवयलो बी दिसपी न्हय. हांव सामको झोकात गाडी चलयतालों. केन्ना केन्ना अशें वल्त येतालें की शादूर रावचें पडटालें. त्या वल्तार पावलें म्हणटकच थंयच्यान सकयल नदर वताली आनी दिसतालें तो कश्मीर शाराचो एक वांटो. कचकचीत भरिल्ल्या घराचीं छपरां, तांबडींच. कांय चांदयाळी-सील्वर, हांगचीं छपरां पत्र्यांचीं. तांचेर सूर्य किरणां पडटालीं आनी पयसुल्ल्यान तीं हारशे कशीं दिसतालीं.

ह्या रस्त्यावेल्यान गाडी चलोवपाचो आनी तांतली खुशालकाय जाका गाडी चलोवपाचो छंद आसा ताकाच कळटली. घाट माथ्यावयलो हो रस्तो मळ्यार वल्तां चड आनी सरळपणा कमीच. चडटी चडटाले खरे पूण अश्या एका एका वल्तार कश्मीराच्या वेगवेगळ्या वाठरांचें दर्शन घडटालें. मदींच अस्तंतेकडेन पातळिल्लें शेकानशेक दल सरोवर दिसतालें आनी चार चिनारूय नदरेक पडटाले.

कांय वेळान आमी शंकराचार्य मंदिराच्या मुळसांत पावले. पर्यटकांच्यो, भाविकांच्यो बऱ्योच गाड्यो आशिल्ल्यो. हांवें गाडी थारायली. विजयरथावेल्यान देंवचो तसो हांव गाडयेच्या स्टेअरिंगावेल्यान देंवलों. मन्सूरान गाडी व्हरून पार्क केली आनी आमी सेक्युरिटी चेकींगा खातीर आमच्या देशाच्या सुरक्षा रक्षकांचे सुवादीन करपाखातीर मुखार सरलीं.

कडक तपासणी जाल्या उपरांत आमी शंकराचार्य मंदिराकडेन वचपी पायऱ्यो चडूंक लागलीं. पायऱ्यो कसल्यो? हे तर पायरे! एकेक पायरी चडपाखातीर पावलां काटकोनांत बरींच वयर उखलचीं पडटालीं. गोंयांत असल्यो पायऱ्यो फकत पणजे पोलीस मुख्यालयातले पयले माळयेर वतना लागतात. भोवतेक त्या पाकल्यांची, खापऱ्यांची ताकत पळोवन बांदिल्ल्यो आसूंक जाय बो ताका व्यायाम घडचो वो कश्ट्य भोगचे म्हण तश्यो बांदिल्ल्यो आसूंक जाय. केन्नाय हांव त्यो चडटां तेन्ना पुरो सायबा, पावलो एकदाचो म्हणून थोडी खरस काडटा.

राजभास प्रशासनांत चडांतचड वापरची म्हणून सरकाराचे सर्वपरी प्रयत्न

१. सरकारी कर्मचाऱ्यांक राजभाशेंतल्यान पत्रवेव्हार करपाक प्रशिक्षण दिवपाची कार्यावळ.

२. राज्यपावंड्यावयले कायदे राजभाशेंतल्यान प्रकाशीत करपाची येवजण.

३. राजभाशेची अंमलवजावणी जावपाखातीर सर्वसमावेशक तज्ज प्रतिनिधींचें सल्लागार मंडळ स्थापन.

४. कोंकणी साहित्याक आनी संस्कृतीक उर्जा दिवपा खातीर गोवा कोंकणी अकादमीक अनुदान दिता.

५. मराठी साहित्याक आनी संस्कृतीक प्रोत्साहन दिवपाखातीर गोमंतक मराठी अकादमीक अनुदान दिता.

६. भाशीक उदरगतीखातीर दालगादो कोंकणी अकादमीक मदत दिता.

भाशीक उदरगती खातीर आमी कसलेय मदतीखातीर थवटवा अकादमीकडेव संपर्क करात.

प्रायोजक :

राजभाशा संचालनालय,

गोंय सरकार,

२रो मळो, ९वो लिफ्ट, जुंवा हाऊस,

पणजी - गोंय

दिव्य वार्तिक / मे २०१८/६७

REUNITING GOANS

। वसुधैव कुटुंबकम् ।

DEPARTMENT OF NRI AFFAIRS
GOVERNMENT OF GOA

हांगच्योय पायऱ्यो चडटना तीच गत जाताली. कुकी आपलो उडक्यो मारीत वयर पाविल्लो. आपलो स्टेमिना, आपली शक्त उक्तावपाची, प्रदर्शन करपाची पिराय ताची. काकी आनी हांव चार-पांच पायऱ्यो चडटालीं आनी धापेतालीं. मागीर एक पांच मिणटां सुसेग घेवप. ताचोय फायदो जातालो. स्वास घेवपाखातीर आमी पायऱ्यांचेर बसलीं काय थंयच्यान सरभोंवतणी नदर मारतालीं. थंयची ती सैमीक सुंदराय पळयतालीं. तोखेतालीं. काकी भोंवडे खातीर खूब बरी कंपनी. ताका सैमाची आवड आसा, संगीताची आसा, कलेची, साहित्याची आसा. हांव म्हज्या दोळ्यांनी जें पळयतां, कानानी आयकतां तें सगळें काकी आयकता, पळयता आनी तें सगळें एकठांय हाडून ताची आमी दोगांय सांगड घालून पळयतालीं. ते चर्चेतल्यान खूब कितें समजूंक मेळटालें. बसत, थकत, उठत आमी त्यो पायऱ्यो चडून वयर पावलीं. वयर पावले बराबर इतल्यो पायऱ्यो चडून आयिल्ल्याची थकावट खंयचे खंय नाच्च जावन गेली.

वयर चडून आयल्या बराबर पयलीं नदरेक पडलें ते एक आंगण कशें. ताका तेंकूनच एक ऐसपैस बाग. फुलांनी सजिल्ली बाग. खंयीय वचात कश्मीराक, थंय दिसतल्यो त्यो बागोच बागो. रासवळ सुवातेर जावं वो कोणाच्या घरांत जावं. फुलां सामकीं खेळत आसतात बागेंत.

पुरातत्व खात्याचें एक बरें आसता. पुराय देशांत पुरातत्त्व खात्यान दायज म्हूण ज्या ज्या गजालींची नोंद केल्या आनी त्यो सुवातो पुरातत्त्व खात्याचे संरक्षण अखत्यारीत आयल्यात तांचेविशी म्हायती दिवपी बोर्ड प्रवेशदाराचेर ठळकपणान लावपाचें सत्कार्य केलां. निळ्या रंगाच्या बोर्डाचेर धव्या अक्षरांनी इंग्लेज आनी हिंदींतल्यान लायिल्ले हे टिपीकल बोर्ड खंयीय नदरेक पडले काय समजुपाचें, ही सुवात पुरातत्त्व खात्यान आपल्या पाखापोंदा घेतल्या.

हांगाय पुरातत्त्व खात्यान आपलो पारंपारिक निळो बोर्ड लायिल्लो आनी ताचेर शिवमंदिराचो इतिहास बरयल्लो.

असल्यो ऐतिहासीक वास्तु आनी वाठार आसता ताची अधिकृत म्हायती अशी बरोवन लायली जाल्यार ती वास्तु पळोवचे आदी तिची पुराय म्हायती मिळूंक बरें पडटा. ताका लागून जो कोण ती वास्तु पळयता. ताका गिन्यान लाबता तें जालेंच, ते भायर त्या काळांत वचपाखातीर एक आदारूय लाबता. पूण तोच इतिहास चुकीचो आसलो जाल्यार? वो एकेच सुवातेचो दोन कडेन वेगवेगळो इतिहास सापडत जाल्यार? मागीर दिसूंक लागता असो हो इतिहास जाणून घेवन चुकीचे नदरेन दायज तोखेवचे परस, मन, दोळे सामके साफ दवरून, आपले नदरेन पळोवप कितें चूक? पूण तशें पळोवन फायदो कितें? अमुकच काळावयली शिल्पकला तोखेवंक मेळत पूण ती कोणाची हें जर खबर नासत जाल्यार ती कुड्ड्यांनी पळयल्ल्याची गत जातली.

पुरातत्त्व खात्याचो फलक सांगतालो त्या प्रमाण हें शिवमंदिर, जाका आयज शंकराचार्य मंदिर म्हूण वळखतात तें सांदिपन राजान ख्रिस्ता आदीं ६०० वर्सांपयलीं बांदलें. त्या उपरांत गोपादित्य राजान इ.स. पयलीं ४५० सालांत ताचो जिर्णोद्धार केलो. सम्राट अशोकाचो पूत जालुका हाणेंय इ.स. पूर्व २०० सालांत ह्या मंदिराचो जिर्णोद्धार केल्लो म्हणपाचो उल्लेख आसा. हालींच्या काळार १९७६ सालांत मंदिराचे विश्वस्त डॉ. करणसिंग हाणी हें मंदिर परतून बांदलें. सगळ्या जाती धर्माचे लोक ह्या मंदिरांत येवन शिवलिंगाचें दर्शन घेतात.

ह्याच शिवमंदिरांत शंकराचार्य येवन राविल्लो. हांगा ह्या शिवमंदिरांत ताणें तपश्चर्या केल्ली... हिंदू धर्माची पुर्नस्थापना करूंक शंकराचार्य भायर सरिल्लो. सगळ्यांत पयलीं तो कश्मीराक आयलो. हांगा ह्या शिवमंदिरांत रावन तपश्चर्या करूंक लागलो. तांच्या ह्या वावराक ताणी हांगच्यान आरंब केल्लो देखून भक्त ह्या मंदिराक खाशेलें म्हत्व दितात.

तरी ह्या मंदिराविशीं आनीकूय एक इतिहास आसा. श्रीनगरांत दल सरोवरापासून पांच कि.मी. अंतरावेले दोंगुरलेर, ११०० फुटांचे उंचायेर आशिल्ल्या ह्या देवळाची स्थापना ख्रिस्ता आदी ३००० सालांत राजा सोलोमन हाणें केल्ली. ताका ह्या मंदिरांत भांगराचे आनी चांदीचे ३०० पुतळे दवरपाचे आशिल्ले. पूण ताचें नांव सहसा कोण घेनांत, नांव घेतात तें अशोकपूत्र जालुकाचें, ताणें जेन्ना हें देऊळ बांदलें तेन्ना थंय ३०० भांगराचे पुतळे आशिल्ले. किंग सोलोमनान हांगा भांगराचे पुतळ दवरपा खातीर म्युजियम सदृश्य बांदकाम केलां आसूं येता आनी ताचेरूच मागीर जालुकान शिवमंदीर बांदलें जावंक जाय. मागीर राजा गोपादित्यान ख्रिस्ता आदल्या ४२६-३६५च्या काळांत तें दुरूस्त केलें. उप्रांत ख्रिस्ता आदल्या ६६९-७३६च्या काळार लालित्यादीत महाराजान तें दुरूस्त केलें.

सद्याचें जें शिवमंदीर आसा तें मूळ बुन्यादीच्या चौथऱ्याचेर बांदलां. ताचें हें बांदकाम जहांगिराच्या कार्यकाळार जालां. अजून हांगचे मुस्लीम हे सुवातेक 'तख्ते सुलेमान' म्हणूनच वळखतात.

आज ह्या मंदिराक सुलेमानाचें तख्तूय कोण म्हणनात आनी शिवमंदिरूय म्हणनात. वळखतात तें शंकराचार्याचेंच मंदीर म्हूण.

शंकराचार्य इ. स. ७-८व्या शेंकड्यां मजगती केरळांतल्या कालटी नांवाच्या गांवांत जल्माक आयलो. तांणें ब्रह्मसूत्रां, गीता आनी उपनिषदां हांचेर भाश्यां बरयल्यांत. ताच्या नांवार दोनशां परस चड ग्रंथांची नोंद आसा. भारतवर्षाची धर्मीक वेवस्था चालू दवरपा खातीर भारताच्या चारय दिकांनी चार मठांची ताणी स्थापना केली. द्वारका, पुरी, बदरी आनी श्रृंगेरी हांगां मठस्थापना करपाचेर विचार केलो तो हांगा कश्मीराक.

अष्टकौनी चौथऱ्याचेर हें शिवमंदिर उबें आसा. एका तेमकाचेर तें बांदिल्ल्यान

देवळा भोंवतणी सुवात म्हणटात ती लागीं लागीं नाच. देवळांत वचपाच्यो पायऱ्योच सुमाराभायर व्हडल्यो. चडटलो जाल्यार तकालस घेवंची पडटा. कांय जाण्टीं बायलां आनी दादले पयलीं बसून मागीर पांय वयर करून कसरत करीत चडटाले. जाता नज करीत देवळा मेरेन येवन देवळांत वचून लिंगदर्शन घेवप ना म्हळ्यार कितें? देवळाचें दारूय मोटवेंच. त्या ल्हानशा दारांतल्यान मंदिरांत भितर सरचें पडटा. तेंय बी एक खेपे एकल्याकूच. गाभाऱ्यांत काळ्या फातराचें व्हड लींग आसा. जो तो येतालो तो त्या लिंगाच्या दर्शनाक. लिंगाचें दर्शन घेतलें म्हणटकच भक्त धन्य जाताले. पूण इतले उंचायेर येवन लिंगदर्शन करून वेळ होगडावंक हांव लिंगपिसो नाशिल्लों. ते उंचायेर रावून धर्तर वयलो सर्ग कश्मीर सकयल दिसतालो.

एका उंच टावराचेर रावून पुराय कश्मीर पळोवंचें तशें कितें ह्या देवळाक प्रदर्शना घालतना जाता. आमचे वांगडा महाराष्ट्रांतलो एक पर्यटक पंगड गडाच्यो पायऱ्यो चडटालो. तांचें एकूच ध्येय आशिल्लें तें वयर गडार पावप आनी लिंगाचें दर्शन घेवन गड देंवप. जालें जीवनाचें सार्थक. शिवमंदिराचें हें बांदकाम इतले वयर करपाचें आनी थंय वचूंक ह्यो व्हडल्यो व्हडल्यो पायऱ्यो करपा फाटली कल्पना म्हाका होलमता ती अशी. खंयच्याय धर्माचीं धर्मस्थळां जावं, तीं त्या वाठारांतल्या दोंगुल्लेचेरूच बांदिल्लीं आसात. सपाट सुवातेर बांदीत जाल्यार बांदप्यांक चड तकालस जायना आनी सामान हाडपा व्हरपाकूय, तें उंचायेर व्हरपाच्या मानान कमी खर्चान जाता. तरी लेगीत हीं धर्मस्थळां चडांत चड उंचायेर बांदपाचो प्रयत्न त्या त्या काळच्या लोकांनी केला.

पयलींचो अशिक्षीत समाज जांव वो आतांचो अतिशिक्षीत समाज जांव तांच्या बऱ्याची गजाल विज्ञानाची बैठक दिवन सांगल्यार लेगीत पटना. पटल्यार आळसाक लागून आचरणांत हाडप जायना. पूण देव-धर्माच्या नांवान सांगिल्ल्यो गजाली मात

दरएक मनीस जाता-नज करीत आचरणांत हाडटा. सकाळफुडें फांतोडेर उठून चलप भलायकेक बरें ही गजाल सगळ्यांक पट्टा. सकाळ-सांज मनशान निदान अर्दवर मेकळे हवेंत चलचें अशें सगळ्यांनी मान्य केलां. पूण वेळ मेळना, आळस येता अश्या कारणांक लागून हें चलप खंडीत जाता. पूण देवाक वचूंक जाय म्हूण मात दर एकलो सक्तीन ही गडी चडटा आनी ताचो फायदो, देवाच्या नांवान जायना, मनशाक जाताच. देवळां-चर्चीं मेरेन वाहनां व्हरपाची सोय नाशिल्ल्यान थंय सक्तीन चलून वचप जाताच. (आतां हेलीकॉप्टरांनी लेगीत वतात ही गजाल वेगळी.)

ह्या अश्या चलपाक लागून देवदर्शन घेतिल्ल्यांक धार्मिक, भावनीक समादान मेळटा. अनायास चलप जाल्ल्यान भलायकी घटमूठ उरता आनी मेकळे हवेंत आयिल्ल्यान शुध्द प्राणवायू मेळटा. हें अशेंच जावंक जाय हीच मूळ संकल्पना समाजशास्त्र्यांची आशिल्ली. तेंच दूरदृष्टीचो आयच्या लोकांक फायदो जाता.

गडावेल्यो पायऱ्यो चडप, थकावट आयली म्हणटकच थोडो वेळ विसव घेवप. त्या काळांत सरभोंवतणी नदर मारून सैम सुंदराय नियाळप, मनाची उंचाय वाडोवप हेंच देवदर्शना फाटलें मुखेल कारण आसा. पूण आमी देवाच्या नांवान हेर सगळें विसरतात आनी फातराचे मूर्तीचें दर्शन घेवन धन्य धन्य जातात.

शिवमंदिरांत कितें आसा हें पळोवपाखातीर हांवें थोडोवेळ भितर पासय मारलीच. पूण ओणोव घालून वचप, एकल्याक उबो रावंक लेगीत सुवात नासप अशे सुवातेर म्हाका घुस्मटूंक लागलें. भितरलें वातावरण आनी सजावट हेर मंदिरांनी आसा तशीच. काळ्या फातराचें एक व्हड लींग, एक पिंडिका जाचेर तांब्या कळसुलेंतल्यान उदकाची धार सतत ओतता आनी गाभाऱ्यांतल्यो गणेश, शिव आनी पार्वतीच्यो ल्हान ल्हान मूर्ती. तें पळोवन हांव झटपटीत भायर आयलों. सुवात ल्हान आसुनय लोक घुसताले.

मंदिरांतल्यान भायर येवन हांवें मोकळे हवेंत दीर्घ स्वास घेतलो. कुकी खंयतरी नाच्च जाल्लो. ताका भोंवूनी म्हळें. काकीक जाता तितलें दर्शन घेवं म्हूण हांव दोंगराचे तेंगशेर आयलों, आनी थंयच्यान पुराय श्रीनगर दिसतालें, दल सरोवर दिसतालें. चार चिनार, नेहरू पार्क दिसतालें आनी पयसुल्ल्या पर्वत रांकेंतल्या पर्वतांचेर बर्फाचो चादर दिश्टी पडटालो. ही चड करून पिर-पंजाल पर्वत रांक आसूंक जाय.

सैमाचें तें विराट रूप पळोवन हांवूय त्या सैमाचोच एक घटक आशिल्ल्यावरी सैमांतूच एकरूप जालों. काकीय येवन म्हजे कुशीक उबी राविल्ली. एकंदर तें दृश्य, थंयचें वातावरण पळोवन काकीचे दोळे चकचकताले. निर्मळ, निर्व्याज अफाट, विशाळ सैम मनशाच्या मनाचेर कसो मोनेळ घालता तें म्हाका काकीच्या मुखामळार दिसतालें! किंग सोलेमन जांव वो अशोकपूत्र जालुका जांव जाणें हे उंचायेर, ह्या गडार हें देऊळ बांदलें ताचें दूरदृष्टीक आनी ताणीं घेतिल्ल्या श्रमांक मनांतल्यान दंडवत घालीत भारावन गेल्ल्यावरी हांव गडी देवंक लागलों.

लिव्ह इन रिलेशनशीप !

मार्चच्या बिम्बांतल्या 'आयलें तशें गायलें' ह्या सदरांत राधेविशीं म्हजी ओड हांवें गावन दाखयली आनी तेन्नाच सर्वोच्च न्यायालयान कृष्ण आनी राधा हीं दोगांय एकठांय रावतालीं. तींय बी लग्न जायनासतना तेन्ना विवाहपूर्व संबंध गैर न्हय. लिव्ह इन रिलेशनशीप तशेच लैंगीक संबंध कायद्यान अपराध न्हय असो म्हत्त्वाचो निर्णय दिलो आनी ह्या निर्णयान सद्या गोंधळ निर्माण केला.

जांचे भितर गोंधळ निर्माण जाला तांचें म्हणणे अशें की कायद्याचो निवाडो दितना न्यायालयामुखार पुरावे सादर करचे पडटात. त्या पुराव्यांच्या आदाराचेरूच न्यायाधीश आपलो निवाडो दिता. ज्या गजालींक पुरावो ना ती गजाल कितलीय सत आसली तरी सशक्त पुराव्या अभावान ती न्यायाधीश दयामाया दाखयतानसतना भायरायता. अशें आसतना हांगा सर्वोच्च न्यायालय कृष्ण आनी राधा ह्यो पुराणांतल्यो व्यक्तीरेखा आनी पुराणांतली वायंगी शाकेक शिरी पडनांत हें तत्त्व मान्य करूनय लिव्ह इन रिलेशनशीप गैर न्हय, कायद्यान अपराध न्हय असो निर्णय दिता हो खऱ्यानीच म्हत्वाचो म्हणचें पडटा.

कृष्ण आनी राधा हे धर्तरेर जल्माक आयिल्लीं काय कितें हें कोणाच्यान सांगूंक येना. कृष्णाचे बाबतींत द्वारका बिरका सापडली म्हूण तो हे भुंयेर जन्मून गेला आनी संपूर्ण महाभारत हेच व्यक्तीरेखे भोंवतणी घुवत रावलां ही गजाल कृष्णाचो जन्म दाखलो पुराव्याक सापडनासतनाय हजारांनी वर्सां सरलीं तरी मनीस विस्वास दवरून आसा. तीच गत राधेविशीं.

राधा ही व्यक्तीरेखा काल्पनीक अशें मत खूबश्या विद्वानानी उक्तायलां आनी राधा ही कवींची कल्पना अशें मानलां. अशें आसतना, ह्या दोगांयचोय जन्म दाखलो नासतना, कोणूच विटनेस नासतना सर्वोच्च न्यायालयाचे न्यायाधीश तीं दोगांय लग्न जायनासतना एकठांय रावतालीं अशें सांगून



तांचे तरेन आनीक कोणूय रावलीं जाल्यार तो गुन्हो न्हय म्हणपाचें जेन्ना सांगता तेन्ना तांच्या निवाड्याची कोणूय फकांडां करूं पूण त्या निवाड्यांत म्हजे नदरेन तथ्य आसा. कृष्ण आनी राधा हांची लिव्ह इन रिलेशनशीप आसूं वो नासूं! पूण असल्या संबंधात एक खूब मोठी ताकद आसा आनी तातूंत कसलेंच पाप ना आनी तशें कोण रावंक सोदता जाल्यार तो अपराध न्हय म्हणपाचें प्रांजळपणान मान्य करता तेन्ना हो न्यायाधीश खऱ्यानीच मानवी सबंधाकडेन शुद्ध नदरेन पळयता आनी तातूंत कसल्याच प्रकारचे किल्मीश ना म्हणपाचें कळटा.

जांका सर्वोच्च न्यायाधिशान दिल्लो निवाडो चूक दिसता ताणीं आतां एक गजाल स्पश्ट करपाची गरज आसा; ती म्हळ्यार लिव्हइन रिलेशनशीप म्हळ्यार कितें? विवाहपूर्व संबंध म्हळ्यार कितें? हें फक्त दादलो आनी बायल हांचे पुरतेंच मर्यादीत आसता काय, दादलो आनी दादलो हांचे लिव्ह इन रिलेशनशीप, बायल आनी बायल हांची लिव्ह इन रिलेशनशीप हाचोय तातूंत आसपाव जाता?

लिव्ह इन रिलेशनशीप हाचो अर्थ तथाकथीत समाजान चुकीचो लायला. हो असो अर्थ लावपी समाज हो सदांच बोंबले सकयलूच विचार करून आयिल्लो आसता आनी कोणूय दादलो आनी बायल एकठांय दिसलीं जाल्यार तीं कातीचे, चामडेचे ओडीनूच एकठांय आयल्यांत असो समज करून घेवन आपले परीन तांचो कॅरेक्टर थारायता.

दादलो आनी बायल ही सैमान रचिल्ली एक सुंदर अप्रुप अशी रचणाय. तशी सैमातली सगळीच निर्मणी अप्रूप. मागीर ती धर्तरेवेली आसूं, दर्यांतली आसूं, भूगर्भातली आसूं वा ब्रह्मांड -आकाशांतली आसूं. पयलीं आमकां म्हळ्यार सर्वसामान्य मनशाक ही अप्रूप रचणाय दोळ्यांनी पळोवंक गावनाशिल्ली. ही अप्रूप सृश्ट त्या मळाचो वसो लागिल्लेच कांय संशोधक पळयताले आनी सैमाची ही मिलाग्र पळोवन अचंबीत जाताले.

पूण आतां हीच मिलाग्र ह्या संशोधकांनी कॅमेऱ्याचो दोळो आपल्या दोळ्यांक जोडून आपूण जें कितें पळयता तें आमच्या सारख्यांकडे पावोवपाची तजवीज केल्या. दूरदर्शनावेले कांय चॅनल अशे आसात की ते चोविसूय वरां सृश्टीतलो हो चैतन्याचो खेळ दाखयत आसतात. हो खेळ पळोवप्यांक केन्नाच लिव्ह इन रिलेशनशीपचेर तकली फोडपाचो प्रस्नूच येना. पूण हे चॅनल पळोवपाचे सोडून चोविसूय वरां वेगवेगळ्या चॅनलावेल्यो कुटुंबीक म्हणा वो कुटुंब विरोधी मालिका पळोवपाखातीर जो समाज आपलो वेळ होगडायता, त्या मालिकांतल्यो प्रत्यक्षात घडप अशक्य अश्यो घडणुको पळोवन तेंच सामाजिक खरें जीवन मानून, तातूंत समरस जाता. तांकांच हो लिव्ह इन रिलेशनशीपचो प्रस्न सतायता. दुर्दैवान होच समाज मोठे संख्येन आशिल्ल्यान आनी असल्या गजालींचेर उलोवपाक, विचार करपाक ह्या

लोकांकडेन भरपूर वेळ आशिल्ल्यान हांच्या धवळ्यांकूच विचारप्रणाली मानपाची एक परंपरा सुरू जाल्या. आवडटा तो नर वो आवडटा ती मादी हांच्या सांगाताकूच रावप ही सृश्टीतले जिवावळीची सैमीक ओड. हाकाच लिव्ह इन रिलेशनशीप म्हणटात. जिवावळीच्या उत्पत्ती सावन ही परंपरा चालूच आसा. ती सैमाची गरज. जर ही लिव्ह इन रिलेशनशीप नासत जाल्यार सैमाचें निर्मितीचक्र खंडीत जातलें. नवनिर्मिती जावपाचीच ना. म्हणटकच सैमाक सृश्टीतले दरेक नर मादींक तांचे मदी एकमेकांविशीं ओड निर्माण करची पडटा. ते पासत शाररीक सुखासारकी गोडी लावची पडटा. एक प्रकारचें हांयसूच तें!

पूण मनीस हो विकसीनशील प्राणी. ताका हेर प्राण्यावरींच शरीरसूख हें हांयस सैमान हुमकळायिल्लें आसाच. पूण मनीस स्वताक हेर प्राण्यापासून जेन्ना वेगळो समजूंक लागलो तेन्ना ताणें आपल्या सगळ्या करण्यांक सभ्यतायेचें पूट लायलें. सौंदर्याची एक वेगळी संकल्पना तयार करून तातूंत खरेल्या सुंदरायेचो बळी दिवन मोकळो जालो.

जो मनीस आयज आपल्याक सभ्यतायेचो म्हूर्तमणी समजता तो एकांतात समागमाच्या वेळार ज्यो करण्यो करता त्यो खंयच्याय प्राण्याक लजेक घालपासारक्योच आसतात. म्हणटकच आमी सभ्यतायेचीं अडेचीं परिमाणा तयार केल्यांत आनी आमी असैमीक रूपान जियेतात.

आमकां मनशांक अणभवान म्हणात वो निरिक्षणान म्हणात, एक गजाल लक्षांत आयली की कायद्याचें बंधन नासत आनी खंयच्याय नराक वो मादीक मेकळीक दिली जाल्यार समाजाची बुन्याद घट जावचिना. लिव्ह इन रिलेशनशीप ही निव्वळ भावनेचेर निंबून आशिल्ल्यान जे सर एकमेकांविशी ओड आसा ते सर हे संबंध तिगून उरतले. मनीस हो मुळांत मत्सरी, हेकेखोर आनी अहंकारी. मनशान कितलेंय जरी आपणाक बुद्धीवादी, सुशिक्षीत आनी निर्विच्छ म्हळें तरी केन्ना ना केन्ना ताचे मदलो अहंकार तकली वयर काडटाच. अडेचो नेट हाडून ताणें आपूण तसो न्हय म्हणू मागीर! ह्या अहंकाराक लागून प्रेमाचे पास फटाफट तुट्टात. जिवीत सासणाचें एकमेकांच्या सांगातान सारपाचें उतर एकमेकाक दिवन लिव्ह इन रिलेशन आपणायल्ले हे प्रेमी तूं आपलो कायद्याचो पार्टनर न्हय म्हूण सांगून एकमेकापासून पयस जावंक शकतात. तांका खंयचोच कायदो आडावंक शकना. मागीर हींच मनशां नव्या पार्टनराचे सोदीक फिरत रावतात वो उरिल्लें आयुश्य एकटुक्यान सारतात.

पूण लग्नाच्या बंधनांत बांदून घेवन कायद्याचे फास्केत रावन जे कोण संवसार करतात तांका अशे संबंद सट्ट करून तोडप परवडना. लग्न हें केन्नाच नर-मादींचें जायना तर दोन घराब्यांचें जाता. निमित्ताक व्हंकल न्हवरो आसत. पूण अहंकार जागत जाल्यारूय हीं सट्ट करून एकमेकाचो संबंध तोडूंक शकनांत. तसो प्रसंग येत जाल्यार दोनूय घराबे एकठांय येवन ताचेर उपाय काडटात. लग्न हें पवित्र बंधन असो विचार ह्या लोकांचे तकलेंत परंपरेन रिगिल्ल्यान ही पवित्रताय भ्रश्ट जावंची न्हय म्हूण हे घराबे जतनाय घेतात. हिकाच समाज वेवस्ता म्हणटात. तरी पूण लग्नाआदी प्रेमान उप्पाट भरिल्लीं, एकमेकांक वेगळावपाची शक्त खंयचेच शक्तीक ना म्हणपी लग्न जावन आठ दीस सरचे पयलींच एकेमेकापासून वेगळीं जातात हीं उदारणाय कमी नांत.

म्हणटकच लग्न जायनासतना एकठांय रावप बरें काय कायदेशीर लग्न जावन संवसार थाटप बरें हाची निश्चित जाप कोणूच दिवंक शकना. जे लोक दोळे बंद करून धर्माक पाळो दितात तांचे नदरेन कायदेशीर लग्न जावन संवसार थाटप म्हळ्यार नैतिकताय अशें दिसतूय पूण लग्न जायनासतना फक्त मित्र म्हूण एकठांय रावल्यार, हांसत खेळत जीवनाची खोशी भोगल्यार वायट कितें आसा? तांकाय तो अधिकार मेळूंक जाय.

पूण कायदेशीर लग्न जावन संवसार थाटप बरें. तें सोपें, ताका कोणाची हरकत नासता. पूण कायदेशीर लग्न जायनासतना जेन्ना कोण एकठांय जिवीत सारतात तांका मात हो समाज सुखान जगूंक दिना. तांच्यो नदरो आनी तांचें उलोवप ह्यो दोनूय गजाली ह्या जोडप्याक चोंचायतात. उथळ उदकांत उबें रावतकच बारीक बारीक धाडयो जश्यो पांयाक चोंचायतात तशें शें हें घडटा. मांसाचो कुडको वचना पूण इरिटेट नक्कीच जाता. हाका लागून सतत एक दडपण नाय म्हळ्यार उरताच. ताका लागून जो कोण अशी लिव्ह इन रिलेशन आपणायता तांचीं काळजां प्रचंड ताकदिचीं आसचीं पडटात. समाजापासून अलिप्त रावपाची शक्त आसची पडटा. कुच्छीत्री नदरांक बेदरकार टक्कर दिवचीं पडटा. सगळ्यांत म्हत्वाचें म्हळ्यार दोगांय सगळ्या आंगानी खंभीर आसचीं पडटात. फाटी फुडें कितेंय गैरसमज जावन ह्या दोगांकूय वेगळीं जावंचीं पडलीं तरी खंभीरपणान एकटेपण सारपाची शक्त तांचे भितर आसूंक जाय.

जीवन हें एकदांच मेळटा आनी तें खिणयाळें आसता. ते पासत मनशान दरएक खीण हो निमणो खीण म्हूण हांसत खेळत, पुरायेन जियेवपाची गरज आसता. ह्या विचारांचीं मनशां एकठांय आयलीं जाल्यारूच तांच्या लिव इन रिलेशनशीपीक अर्थ उरत नातर लग्नीक संबंदान एकठांय रावलीं कितें आनी लग्न जायनासतना एकठांय रावलीं कितें एकूच!

ती फक्त शरिराची भूक भागोवपा खातीर केल्ली तडजोड आनी तातुंतल्यान भुरगी जल्माक आयिल्ल्यान तांची जापसालदारकी आंगार पडिल्ल्यान तांकां संवसार अशें सभ्य नाव दिवन जिवीत धुकलीत रावप इतलोच खरो अर्थ उरता. इतलीच आमची जगपाफाटली मर्यादा!



– दिलीप बोरकार
आगशी – गोंय

INFOTECH CORPORATION OF GOA LTD.

A Government of Goa Undertaking

COMMITTED TO ASSIST

Government of Goa

for

"Employment Generation in IT and IT Enabled Service Industries"

And

Prompt and Effective Services / Information to Citizens through use of E-Governance

4th Floor, Alcon Construction, Above Hundai Showroom, Porvorim, Gardez-Goa - 403 521
Ph.: (0832) 2416024/2415192 Fax: (0832) 2412855
E-mail: ecgig@sancharnet.in

POSTAL LIENSE NO.: G-2/RNP.Goa/01/2009-11

RNI Regd. No. GOA KON/2008/30413

Co-operative movement strengthened

Goa Co-Operative Society Act implemented

- Goa Co-operative Society Act, 2001, enforced in the state.
- The Goa Agriculture Produce Marketing and Development Act 2007 is passed.
- Government accepts the Task Force Report submitted by Viadyanathan Committee, for revival of Rural Co-operative credit institutions
- During 2007-08, the Sanjivani sugar factory has produced 160445 quintals of sugar
- Milk collection centers at village level were opened under Centrally Sponsored Scheme, strengthening of infrastructure for quality and clean milk production.
- One time settlement scheme formulated to the Urban Co-operative credit societies.
- One time settlement scheme for Urban Co-op Banks with cut off date 01/04/2005 commissioned

Issued by:
Department of Information and Publicity
Government of Goa

Working towards a Secular & Prosperous Goa

Published & Printed by Dilip Borkar Owner of Bimb Monthly, 'Dharm-Laxmi', St. Lourence, Agasaim - Goa & Printed at Sahyadri Offset Systems, Corlim, Goa. Editor : Dilip Borkar, Ph.: 2438355, E-mail: bimbkonkani@yahoo.co.in